मंत्राक्षता

8159
Gen→Dev
RAM

रामकृष्ण जुवारकर

मंत्राक्षता

रामकृष्ण जुवारकार

KONKANI BHAS ANI SANSKRITI PRATHISTAN (R)

चामुंडा प्रकाशन
व्हडलें गोंय

8159
Gen -> Dev.
RAM.

मंत्राक्षता

(ललित निबंध)

©रामकृष्ण जुवारकार

उजवाडावपी:

चामुंडा प्रकाशन, व्हडलें गोंय

अक्षर जुळोवणी:

स्नेह ग्राफिक्स, ताळगांव -गोंय

चित्रकार:

सुरेश बोरकार

रंग येवजण:

अमृत गोयतोंडे

छापपी:

प्रिंटआर्ट ऑफसेट प्रिंटर्स,

कुंडई - गोंय

मोल रु.१००/-

मंत्राक्षता

ह्या संग्रहांत आयिल्ले ललित निबंध हे आमचे भाशेंत मंत्रायिल्ल्या अक्षतां सारके. आमच्या समाजांत नित्याच्या वेव्हारांत व्यक्तींचे कांय खास नमुने पळोवंक मेळटात. कांय नमुने प्रतिनिधीक आसतात.. तांकां ह्या अक्षतांनी पावन करचो प्रयत्न केला.

ह्या निबंधांनीं जायतेकडे विनोदाची सया आसा. विनोदाक लागून सोसणूक मेळटा. कांय व्यक्तिचित्रां विनोदाचे नदरेन पळेत जाल्यार सोंसपासारकीं आनी हांसपासारकीं जातात. राग ना, लोभ ना असे भाशेन तांचें वर्णन केल्लें आसा.

बरयतल्याक बरयतनाच आपल्या बरपाचो आनंद मेळूंक जाय. वाचप्यांचो प्रतिसाद मेळ्ळयार तांतूंत भर पडटा. पूण ते भरीक चड पडूंक जायना. बरोवप्यान चड परावलंबी जांवक जायना. कोंकणींत सातत्यान बरोवपाचें आसल्यार हो संयम दवरूंकूच जाय.

कांय थोडे वाचपी उक्त्या मनान प्रतिक्रिया दितात. चडशे जाण "तुजें पयरचें वाचलें आं" इतलेंच म्हणून फुडें वतात. बरोवप्याक पयर आपणें बरें केलें काय गुन्याव केलो हें कळना. कोंकणी बरोवप्यान हाची संवंय करून घेंवक जाय अशें म्हजें मत जालां.

हांतलें चडशें बरप 'सुनापरान्त'च्या सप्तकी आंकांनी उजवाडाक आयलां. 'बिम्ब' च्या आंकांतूय थोडें भोव छापून आयलां. तांचो हांव चड उपकारी आसां.

'टवाळा आवडे विनोद'हें विनोदाचें आनीक एक आंग आसता. खंयूय एकाद्रें हटमटवाळी जाल्ली आसल्यार ती भगसूंची अशें मागतां.

ह्यो अक्षता वांट्टना खूप खोस जाता. पुस्तकां वांटपांत खोस आसता ताचे परस अक्षता वांटपांत चड खोस आसता.

व्हडलें गोंय, रामकृष्ण जुवारकार

२५डिसेंबर,२००५

मां डा व ळ

१ सांतूची देखदिणी जीण/ १
२ धर्मूचो स्वहिताचो धर्म/ ४
३ यशवंताचीजैतवंत जीण/ ९
४ मोनूचें बल्कांव / १६
५ शाणूदादाचें दूरदर्शन/ २६
६ फटीबाबाच्यो फटी/ २९
७ गुणा म्हणे/ ३२
८ तिकूचीभाशावादांतभोंवडी/३७
९ शांतो-मराठीचोप्रमूखवक्तो/ ४०
१० मराठी येता घरा/ ४७
११ फ्रेम कविता/ ५२
१२ उतरांचे बरे वायट दीस/ ५६
१३ वाल्मिकी ग्रंथायन/ ५९
१४ कृष्ण जन्मभूमी/ ६२
१५ असत्यमेव जयते/ ६७
१६ सहस्त्रकाचेंताजें ग्रहमान/ ७१
१७ भानू पै/ ७५
१८ घटनेक जाय घटपाण/ ७९
१९ खाय थंय लोकशाय/ ८१
२० भाशेचो संवसार/ ८३
२१बरोवप्याचें आत्मचरित्र/ ८५
२२ मटको/ ८८
२३ नवें गोंय/ ९२
२४ सुण्याचो गुणधर्म/ ९६
२५ चोरयेची विद्या/ ९९
२६ कंडक्टर/ १०३
२७ जयू/ १०९
२८ हिम्मतवान कान्ता/ ११३
२९ सदू/ ११९
३० उपी आनी गोपी/ १२५
३१ सूर्या/ १३०
३२ जगू/ १३४
३३ पावलू आनी रवळू / १४०
३४ रानराज्य/ १४३
३५ सोबेचीं झाडां/ १४७

सांतूची देखदिणी जीण

राजकी फुडारी जर धर्मप्रचारक आसत, संत जर नट आसत, शिक्षक जर राजकारणी आसत, जाल्यार अशे दोट्टी व्यक्तित्वाचे मनीस समाजांत बरेंच येस मेळयतात. सांतून अशेंच खूप येस मेळयलां. चोरयेच्या कर्तुबां बराबरूच ताच्या आंगात फटींगपणाचे गुण आसलेल्यान ताची जीण तोखणाय करपासारकी जाल्या.

वडा-पुनवे दिसा जल्म जालो म्हूण सांतूक सत्यवान नांव दवरलेलें. ताचें मागीर सांतू जालें. सत्य ताच्या आंगांत येवंक अनमनूं लागलें पूण आंग मात वडाभशेन वाडलें. ताचें आंग धडधाकट पूण सत्याचे मार्ग चुकोवन ताचें पावल चडशें असत्याचे दिकेन पडूंक लागलें. तांतूत हातांक चोरयेची चलाखी आशिल्ल्यान ताची जीण भोवरंगी आनी भोवढंगी जाली. संवसारांत व्हड व्हड चोर-फटिंगांक प्रसिद्धी मेळटा पूण सांतू सारक्या प्रसिद्धी माध्यमांपसून पयस आशिल्ल्या गांवांतल्या एका भोवरंगी व्यक्तित्वाक तशी प्रसिद्धी गावना. तरी पसून तांचेंय चरित्र गावपासारकेंच आसता.

सुरवेक सावन सांतूची बुद्द अभ्यासांत चडशी नासली. तरी पसून रिती-रिवाजाप्रमाण ताणे शाळेच्यो सात-आठ यत्ता पास केल्यो. अभ्यास जरी चडसो जालोना तरी मुळांत ताची बुद्द शिटूक आसलेल्यान ह्यो यत्ता पास जांवक ताका व्हडलीशी अडचण पडली ना.

निव्वळ पुस्तकी गिन्यान उपकरना. आपल्या पायांर उबो रांवक जाय जाल्यार हेर गिन्यानाचीय गरज आसा अशें येवजून ताणें एके गॅरेजींत शिकावू मॅकेनिकची नोकरी धरली. यांत्रिक कला शिकतना थंय ताणे चोरयेचे कळाशेचोय अभ्यास केलो. जेन्ना ताणे नोकरी सोडली जांव ताका ती सोडची पडली तेन्ना संवसारांत आपल्या पायांर उबो रांवक जाय तितली तांत्रिक विद्या आनी चोरयेचीय विद्या तो शिकिल्लो.

मागीर सेल्समनची एक नोकरी ताका मेळ्ळी. थोड्या दिसांनी दुकानांचेर माल घालून परतो येतना वाटेर चोरांनी ताका आडावन

ताचेकडल्यान पैसे काडून घेतले अशी गजाल ताणें मालकाक येवन सांगतकूच ही गजाल फुडें वाडूंक नाका म्हूण मालकान ताका नोकरी सोडूंक लायली. हाचे फुडें आपूण केन्नाच चोरांचे तावडेंत सांपडचोना अशें सांतून सांगून पसून मालकान ताचें आयकलेंना. निरूपाय म्हूण सांतू थोडे दीस घरा बसून रावलो. बसून खावपाइतली कमाई ताचेकडे आसली. पूण बसून उबगण येतकूच ताणें हेर धंद्यांनी लक्ष घालपाक सुरवात केली.

गावांत ताणे एक गाडो घालो. खंयचे तरी सरकारी स्वयं-रोजगार योजनेखाला हो गाडो ताणे घाल्लो. ह्या गाड्यार विक्रेचो माल आसलो तसोच हेर चोरयेचो मालूय मेळटालो.

सतत परिश्रमान सांतून आपलो धंदो वाडयलो आनी तो गांवांत एक प्रतिष्ठीत व्यापारी म्हूण मान्यतेक पावलो.

एक गिरेस्त व्यापारी म्हणूनच न्हय तर एक गुणेस्त मनीस म्हूण तोखणाय करपासारकी सांतूची चलणूक आसा. कोणेय ताची तुस्त केली जांव निंदा केली तरी तो स्वहिताचो धंदो सोडिना. ताका कोणेय चोर, फटींग म्हळो तरी तें तो मनाक लावन घेना जांव ताचो दुस्वास करीना. दीस रात उद्योग करीत आसता. ते नदरेन ताका उद्योगपतीच म्हणचो पडटा.

सांतूचो गाडो एक 'थ्री इन वन' गाडो आसा. सांतू ह्या गाड्यार अर्दी-मर्दी आडसरांचोय धंदो करता. आमोरेचेर हांगा तरातरांच्या सट्ट्यांचोय बोवाळ आसता. त्या उपरांत तो आनी ताचे कांय विश्वासांतले साथीदार रातचे भाटांनीं वचून आडसरां काडून हाडटात. हो आडसरांचो धंदोय सांतू मोटे हिकमतीन चलयता.

सांतूकडे पैसो आयिल्यान ताका गांवांत मानूय आयला. आदीं कांय जाण ताका चोर, फटींग, नाड अशें जायतें म्हणटाले पूण ताचेर लक्ष्मीची कृपा जाल्ल्याक ताचे आड चडशे कोण उलयनात. ताच्यांत कितें कमी आसा तें लोक लक्ष्मीक स्मरून विसरून वतात. इतलेंच न्हय तर ताचे दोश पसून आतां लोक गूण म्हणूंक लागल्यात. ताच्या फटींगपणाक मुत्सद्दीपण आनी हात मारपाचे कलेक हस्तकला समजूंक लागल्यात.

धनाचे सर्तींत आसलेल्या समाजाक धन कशें केलें हाचेपरस धन

कितलें केलें हाचें म्हत्व चड आसता. सांतून आतां धन बरेंच जमयलां म्हूण गांवांतल्या समाजीक आनी संस्कृतीक क्षेत्रांतूय ताका म्हत्व आयलां. हालीं हालीं गावांतल्या संस्कृतीक कार्यावळींक सांतूक मुख्येल सोयरो म्हूण आपोवंक लागल्यात. चडशे जाण धनाचे सोयरे आसलेल्यान असल्या संस्कृतीक कार्यवळीनीं सांतू मुख्येल सोयरो म्हूण बरो सोबता.

सांतूचो धंद्याचो वड केदो वाडत सांगू नज. ताचो घेवपासारको गूण म्हळ्यार ताचे तकलेंत-नित्य आयते धंदे आनी आलायतें धन हांचे विचार घोळत आसतात.

हेर धंद्यांच्या अर्दी-मर्दी सांतू केन्ना केन्नाय कोणाक जाग नासतना जागे घेवन प्लॉट करून. विकचेलोय धंदो करता. हांतूंत तो पंचायतींतल्या वांगड्यांचीय मदत घेता. हो धंदो सहकार पद्धतीचेर आसून जाचें ताका दिवन वयलें आपणाक दवरपाचें आसता. सहकार क्षेत्रांतूय कॉम्फ्र, कॉ-ओपेरेटिव्ह असल्या कोशटकांनी तो संद सादून वांटो घेता.

सांतूचे व्यक्तित्व चतुरंगी आसा. ताच्या धंद्यांच्या विस्ताराचो अंदाज करूं नज. हालीं तो संभावीत समाजांत खूप घोळूंक लागला. धनवंताच्या घोटाळ्यांनीं रस घेवंक लागला. जाचें पैशांचें प्रेम खरें आसता तो कितलोय फुडे पावूं येता. धनसंस्कृतीच्या समाजांत ताका भरपूर मान मेळूंक लागला.

सांतूच्या कर्तुबांचो वटवृक्ष असो वाडत असो अंदाज आदीं कोणें करूंक नासलो. फुडें तो कितलो वाडत हाचोय अदमास करूं नज. ताच्या आडमार्गांचे आनी नाडपणाचें सार्थक जावन एक दीस तो व्हड नांव कमयतलो हांतूंत दुबाव ना.

हाली सांतू इल्लो इल्लो संत जांवक लागला. जय श्री राम, जय श्री कृष्ण अशें म्हणूंक लागला. वडापुनवे दिसा जाल्लो हो सत्यवान एक व्हड धर्माभिमानी म्हूण नांव मेळयतलो अशी चिन्नां दिसतात..

◆◆

धर्मूचो स्वहिताचो धर्म

धर्मू आदल्या काळावेलो एक 'मालगडो.' पुर्तुगेज काळांत हद्दीवेल्यान माल हाड-व्हर करपी. त्या वेळार असल्या कार्याक बंदी घाल्ली आसली तरी धर्मून असले जायते बंदी-हुकूम मोडून हद्दीवेल्यान माल हाड-व्हर करचेलें धाडसी कार्य केलें.

धर्मूच्या बापायचो गांवांत एक पसरो आसलो. तो सादो पसरकार. बनिया न्हय. लोकांक बनोंवक ताका कळनासलें. तो इल्लो धर्मिश्टूय आसलो. तुकारामाचे कांय खास अभंग ताका तोंडपाठ आसले. पूण 'मुँहमें राम बगलमें छुरी' ह्या सभावाचो तो नासलो.

धर्मूच्या तोंडांत राम आनी बोडांत दाम आसा. बापाय इतलो तो सरळ मार्गी न्हय. पैशे मेळोवचे मार्ग ताचे तकलेंत सदांच घोळटात. ते मेळोवंक तो वेळा-प्रसंगार वांकड्या मार्गान वचपी. समाजांत वांकडेपण खूप आसा आनी वांकड्या माटवाक वांकडी नेम हो नेम धर्मू मानपी.

हद्दीवेल्या ह्या मालाचे आनी मालगड्यांचे येरादारी चक्राक तेन्ना 'ब्लॅक' ह्या सांकेतीक उतरान वळखताले. "ब्लॅक इज ब्युटिफूल" अशें म्हणटात तशें त्या वेळार लोक ह्या धंद्याक तोखेताले. फुडें जेन्ना व्हड व्हड प्रतिष्ठित लोक हो धंदो करूंक लागले तेन्ना 'ब्लॅक' म्हणप म्हळ्यार तांचे प्रतिष्ठेक बाधा येंवक लागली. तेन्ना ह्या धंद्याक 'वाग छाप' धंदो अशेंय म्हणूंक लागले. लोकशाहींत मागीर शींव, हत्ती हे शिक्के आयले. पूण तेन्ना फक्त वागाचोच शेक चलतालो.

धर्मून हो धंदो धाडशीपणान केलो. कमिशन घेवन मिशन अशें समजून केलो. फुडें पावन जेन्ना ह्या धंद्यांत प्रस्थापीत व्यापारी वांटो घेवंक लागले तेन्ना ह्या धंद्याची प्रतिष्ठाय वाडली. धर्मूची आवकूय वाडली. मालूय मोलादीक वस्तींचो जालो.

ह्या धंद्यांत बरीच प्रगती केल्या उपरांत धर्मूचे अर्थकारण बदल्लें. गिरेस्तांक अदीक गिरेस्त करप आनी गरीबांक गिरेस्त रेशेसकयल दवरप हें योग्य न्हय अशें येवजून ताणें ब्लॅकांत आनीक ब्लॅक करचें धोरण धरलें.

माल धरिनासतना धरलो असो बोवाळ करून अदीं-मदीं माल गडप करून हडप करचेलें कर्तुप तो करूंक लागलो. ह्या कार्यांत ताणें आकस्मिक आनी आलायतो फायदो जायतो करून घेतलो. गोंय मुक्त जावचे सुमाराक भरपूर संपत्ती साठोवन तो ह्या धंद्यांतल्यान मुक्त जालो.

गोंय स्वतंत्र जातकूच थोडे दीस कितें करचें तें कळना जावन धर्मू रानांत पडलो. स्वतंत्र गोंयांत कसलो तरी स्वतंत्र धंदो करचो अशें ताच्या मनांत येतालें. पैसो आसा पूण काम करिनासतना रावप हें मनाक पटना जालें. त्या भायर आकस्मिक धनाची रूच लागिल्ल्या ताच्या मनाक चैन पडना जावन तो संद सोदीत आसलो.

ताच्या बऱ्या नशिबान ताका फाव तो धंदो सांपडलो. रानां मारपाचो धंदो ताणे सुरू केलो. हद्दीर काम करतना ताका रानां भोवपाची सवंय आसलीच. रानांचे सर्वेक्षणूय ताणे केल्लें म्हूण हो धंदो ताच्या पथ्थ्यार पडलो. हो धंदो कायदेशीर नासलो पूण फायदेशीर आसलो. तांतूंत व्हडा-व्हडांचे आनी अधिकार आशिल्ल्यांचे सहकार्य ताका मेळिल्ल्यान हेंय कार्य हुसक्या मेकळें करपाक ताका सवलत मेळूंक लागली.

आकस्मिक धनप्राप्ती जाली तरी धनसंचयाची रूच लागिल्ल्या मनशाक नियमीत धनप्राप्तीय जाय आसता. हद्दीर धर्मून कितें कितें केलां तें गुपीत आसलेल्यान तो थंय कितें कितें करतालो तें सांगूंक कठीण. धर्मून आपूण हद्दीचेर स्वातंत्र्याखातीर वावुरल्याचीं प्रमाणपत्रां आनी प्रतिज्ञापत्रां सादर केलीं. स्वातंत्र्य सैनिकांचे वळेरींत आपलें नांव भांगराच्या अक्षरांनीं बरोवन ताणें सत्कार करून घेतले आनी मागीर दर म्हैन्याक सुटके झुजाऱ्याचें पेन्शनूय मंजूर करून घेतलें. असली सुटके झुजाऱ्याक पेन्शन मेळोवंक एकाद्रें त्रास पडत, पूण धर्मूसारके नकली स्वातंत्र्य सैनिक तकली चलोवन सोपेपणान पेन्शन मेळयतात. आयच्या राजकारणांत कितेंय चमत्कार घडूं येता. धर्मून जायते चमत्कार केल्यात. साधू-संतूच चमत्कार करतात हेरांक जमना अशें ना संदी-साधूय चमत्कार करून दाखयतात. चमत्कार नासून खरे स्वातंत्र्य

सैनिक कोनशाक उरतात आनी धर्मू सारको चमत्कारान स्वातंत्र्य सैनीक जावन सत्काराक आनी निवृत्ती वेतनाक पात्र जाता.

धर्मून मागीर बापायच्या पसऱ्याचें नुतनीकरण केलें. पसऱ्याक आधुनिक रूप दिवन ताचो पसारो वाडयलो. संवसाराक उपेगाक पडटात त्या जिनसां भायर इलेक्ट्रिक आनी इलेक्ट्रोनिक वस्तूय हाडून भरल्यो. सॉफ्टड्रिंक तेच परी हार्डवेअरूय ताच्या पसऱ्यार मेळूंक लागलें. धर्मू पसरकारूच उरलो ना तर जनरल मर्चंट जालो.

पसरकार जांव जनरल मर्चंट जांव, ना तर आनीक कोणूय जांव ताचे खास इश्ट ताका स्वांतत्र्य सैनिक धर्मू अशेंच चडशें म्हणूक लागले. खऱ्या बिरूदापरस लोकांक ठकोवन मेळिल्लीं बिरूदां चड आवडीचीं आसतात. धर्मूकूय आपल्याक लोकांनी स्वातंत्र्य सैनिक म्हूण वळखूचो अशेंच दिसता. स्वातंत्र्य सैनिक म्हूण जेन्ना जेन्ना धर्मूचो गौरव जाता तेन्ना आपूण धर्मगुरू जाल्लेवरी तो स्वानंदांत बुडून वता.

बापायच्या वेळार देवस्पणाचें वातावरण आसलें. ताचो थोडो अंश ह्या धर्मानंदामदें आसा. पूण बापायचो तुकाराम आसलो, धर्मूचो म्हाकाराम आसा. जंय सादता थंय राम आसा. जंय सादना थंय राम-राम.

धर्मू जनरल मर्चंट आसलो तरी ताका कसलीच फिकीर नासलेल्यान तो मेळत त्या क्षेत्रांत कीर कसो फिरता. राजकारणांत, देवस्पणांत, समाजकारणांत, सगळ्यांत तो इल्लो इल्लो बोवाळटा. राजकारणांतल्या सगळ्या पक्षांमदें येवन वचून तो आयला. जो पक्ष ज्या वेळार सत्तेर आसता त्या वेळार त्या पक्षांत तो फेरयो मारीत आसता.

गांवांत जायत्या उत्सवांमदें तो वांटो घेता.ताचो वांटो ताका आसत जाल्यार तो कसल्याय राजकी, सामाजीक आनी धर्म-संप्रदायाच्या चळवळींत वांटो घेता. सार्वजनिक गणपती इतलोच तो सार्वजनिक नरकासुराक मनयता. असल्या उत्सवांचे येजमानपण केन्ना केन्नाय ताच्या वांट्याक येता. निवडणुकेच्या वेळार जो पक्ष चड मोडटा थंय तो ओडटा जो पक्ष निवडून येता थंय तो दिसता.

धर्मू धर्मिश्ट आसलेल्यान धर्मिक कार्यांत ताका व्हड मान आसा. सद्या तो गांवच्या रवळनाथाच्या देवळाचे कमिटीचेर आसा. तो कमिटीचेर खजिनदार म्हूण वावरूंक लागिल्ल्याक रवळनाथाच्या देवळाचो जीर्णोद्धार जालो. धर्मूचे वळखीन देणग्यो खूप आयल्यो. सत्तेवेल्या पक्षाक तेकून राविल्ल्यान ताची जायतीं कामां बेगोबेग जालीं. बांदकाममंत्र्याच्या वळखीन बांदकामाचें काम बरेंच सोपें जालें. वनमंत्र्याकडल्यान रानांतले सायले आपशींच आयले. देवळाच्या दारा जनेलांक पावन उरले ते ताका हेरकडे उपकरले. हे धर्मिक कार्यांचे पुण्यायेन धर्मूची घराकडलीं आनी दुकानावयलीं जायतीं अडलेलीं कामां जावन पडलीं. हिशोब किदेंय आसूं पूण देवळाचे काम जावन पडलें.

आपलें अर्थार्जनाचें मुखेल काम जातकूच फाविल्ल्या वेळांत धर्मू गांवच्या समाजिक, शिक्षणिक तशेंच धर्मिक कामांनीं आपलो वांटो उखलता.

मनशाचे जिणेंत किदें तरी ध्येय आसूंक जाय तरूच ताचे जिणेक अर्थ आसता. धर्मू कसलेंय काम करूं, नदरे मुखार अर्थ आसता. पैशांचें ध्येय नासलें जाल्यार धर्मूचे जिणेक अर्थ उरचो नासलो.

निर्धन कितलोय शाणो आनी गुणी आसलो तरी ताची समाजांत उपेक्षा जाता. ताचो अपमान जायत आसता. धनवानाक सन्मान मेळोवंक आंगांत व्हडलेशे गूण आसूंकूच जाय अशें ना. ही समाजाची वळख धर्मूक आसलेल्यान दर एका कामांत ताणें अर्थाक चड म्हत्व दिल्लें आसा. धन कशेंय मेळोंव तें मेळयलां म्हूण समाजांत ताची अर्थ-अपुर्बाय जाता.

फावल्या वेळांत तो आतां मंडळांनीं, महामंडळांनीं बोवाळटा. सभ्य लोकांच्यो सभा आसूं ना तर फटींग लोकांच्यो मिटिंगो आसूं जंय कितेंय अर्थ आसता थंय तो वता. आपलें ध्येय केन्नाच विसरना.

वांकड्या माटवाचे वांकडे नेम जांका कळना ते ह्या समाजांत उपकरनात. दोतोर जनसेवा करूं पूण तो आपली बिदागी सोडिना. आव्दोगाद तर प्रतिपक्षाक सैल सोडून आपल्याच अशिलाकडल्यान पैशे वसूल करच्या फाटल्यान लागता. शिक्षक ट्युशनाबगर विद्यार्थ्यांक

भगशिना. साधू पसून झोळयेंत कांय पडना जाल्यार देवाक मानिना. अशा समाजांत धर्मून आपलो धर्म समजून घेतला. धर्मूची देशभक्ती, देवभक्ती हे सगळे भक्तींत ताची सुवार्थभक्तीच ताका पावता.

धर्मुचो धर्म स्वहिताचो आसा. जो स्वताक पावता ताका देव पावता असो ताचो मूळमंत्र आसलेल्यान ताचें सगळेकडे फावता.

◆◆

यशवंताची जैतवंत जीण

यशवंत हो आमच्या गांवान गोंयाक दिल्लो हालींचो नवो-ताल्ल मंत्री. थोड्याच काळा भितर आमी गोंयाक चार-पांच मंत्री दिले. तेच वळेरींतलो हो जैतवंत मंत्री.

यशवंताचें तेर्माचें नांव यशवंत आसलें तरी भुरगेपणांत सावन्त ताका येसोच म्हूण वळखतालें. तो पंचायतीचो सरपंच जालो तेन्ना ताका आमी यशवंत म्हूण पाचारूंक लागले. राजकारणांतूय जेन्ना तो जैतवंत जालो तेन्ना ताका आमी यशवंतभाऊ, यशवंतभाई, यशवंतराव अशें म्हणूंक लागले.

आमच्या गांवचो एक सर्वसामान्य मनीस कांय न्हंय करून मंत्री जाता हाचें जायत्या जाणांक अजाप जाता. शेजराच्या गांवांक नसायूय जाता. तरी आमच्या गांवांक असो वर आसा कीं हांगची कणंगां आनी कांळगां पसून आपशींच रूचीक जातात. राजकारणांतली सवंगां आनी धवंगांय तशींच आपशींच रंगूक लागतात. आमी चडशे मंत्र्यांचें दोट्टी पीक घेतात.

आमचे मंत्री जरी हालींच लोकांच्या दोळ्यांत वतात तरी पसून हांगची परंपराच तशी व्हड आसा. पुर्तुगेज काळारूय आमी बरे आदमिनिस्त्रादोर गोंयाक दिल्यात. हांगचे रेजिदोर पसून पराक्रमी उतरल्यात. तेन्ना तितलीं गांवठी वर्तमान पत्रां नासलेल्यान गोंयच्या गांवांनी लोकांक आमची तितली खबर मेळूंक ना. तेन्ना गोंयांत मंत्र्यांची जमातूय नासली. अशा वेळार पसून सोरोप धरपी मंत्री आमच्या गांवांत फामाद जावन गेले. अशा ह्या नांवाजत्या गांवांत यशवंतरावासारके मनीस सहज मंत्री जातात हातूंत अजाप ना.

यशवंतरावाचें शिकप णव्वे-धाव्वे मेरेनचे आसा. कॉपी करचेली सारकी वेवस्था ना जाल्ल्यान तो धाव्वेचे परिक्षेक बसलो ना. बसल्यार बऱ्या मार्कांनी पास जावपाचो. पुण हें इतलें शिकप मंत्री जांवक

पावसारकें आसलेल्यान फुडें व्हडलीशी अडचण आयली ना.

चड शिकलो म्हूण बरी नोकरी मेळटाच अशें ना: यशवंतान शिकप सोडलें. पणजे ताच्या मित्राचे एक हॉटेल आसलें. ताका हाता-पायां पडून ताणें हॉटेलांत नोकरी धरली. आपल्याक आदार जावचो आनी यशवंतूय अर्थिक अडचणींतल्यान सुटचो असो विचार करून मित्रान ताका नोकरी दिल्ली. यशवंत पायां पडूंक जाणा तसो हात मारूंकय बरो जाणा. एका वर्साभितर हॉटेलाक जायतें नुकसान जालें आनी यशवंताक जायतो फायदो जालो. सत्पात्रीं दान करचें म्हणटात पूण आपणें कसलें पात्र वेंचून काडलें अशें त्या मित्राक जालें. पूण उपाय नासलो. यशवंतान बऱ्यान नोकरी सोडली. तो मेरेन ताणें गांवांत एक गाडो चलोवपा इतलें भांडवल केल्लें. यशवंत फुडें राजकारणांत येश मेळयतलो हाचे पूर्वसंकेत मेळूंक लागिल्ले.

गावांत आनीक गाडे आसले. पूण यशवंताचो गाडो सगळ्यांत बरो चलतालो. मुख्येल कारण म्हळ्यार थंय मटकोय चलतालो. आमोरेचेर तर यशवंताचो गाडो रथ कसो सोबतालो. भक्तगण थंय मटको लावंक लोट्टाले. थोड्याच दिसांनीं गांवांतल्या कांय थोड्याच लखपतीमदें यशवंताचो नंबर लागलो. यशवंताचे कुंडलेंत खरेंच 'लक' आसलें म्हणूंक जाय. ताची रंकाचो राव जावचेली प्रगती खरीच तोखणाय करपा सारकी आसली.

यशवंताचेर लक्ष्मीची कृपा जाल्या ती पळोवन गांवच्या सुधारक नागरिकांनी ताचो तरातरांनी सन्मान आनी भौमान केलो. लक्ष्मीची कृपा जाली तशी आपशांच हेर देवांची कृपा जाता. आमच्या गांवांत हालीं सार्वजनिक गणेशोत्सव व्हडा दबाज्यान जांवक लागला. सर्ती जातात सोर्ती लागतात. ह्या उत्सवाच्या अध्यक्षाक खूप मान आसता. गणपतीक जितलो पुजेंत मान आसता तितलोच जांव ताचेपरस चड ह्या अध्यक्षाक उत्सवांत मान आसता. ह्या उत्सवाचो अध्यक्ष जावचो मान यशवंताक मेळ्ळो.

सार्वजनिक गणपतीचो आशिर्वाद घेवन यशवंतान सार्वजनिक कार्याक आरंभ केलो. समाजिक, संस्कृतिक आनी शिक्षणिक मळार तो

वावुरतालो तेन्ना ताणें व्हड समाज सुधारकाचे व्रत घेतिल्लेवरीं दिसतालें. ह्या काळार ताणें वाड्या-वाड्यार सत्यनारायणाचीं व्रतां घडोवन हाडलीं. खूपशे फंड एकठांय केले. ह्या वावरांत वांटो घेतना तो आपलोय वांटो कडेक दवरूंक विसरलो ना. जे शाळेंत तो धाव्वेमेरेन शिकिल्लो ते संस्थेच्या चालक मंडळाचोय तो अध्यक्ष जालो. शाळेंत तो दरेक वर्गांत कॉपी मारून पास जाल्लो तेच शाळेच्या अध्यक्षपदाची तोपी ताच्या माथ्यार पडली हें विलक्षण भाग्य म्हणूंक जाय.

पंचायतीच्यो निवडणुको जेन्ना जाहीर जाल्यो तेन्ना ते निवडणुकेंत उबो रावंक ताच्या भक्तगणांनीं ताका एकसारको आग्रो केलो. लोकांची खरी सेवा पंचायतींतल्यानूच जाता असो पेंच घालतकूच तो निवडणुकेक उबो रांवक तयार जालो. तो निवडणुकेक उबो रावतकूच ताचे भक्तगण घरा घरांनी वचून आनी बार्रां बार्रांनी बसून ताचो प्रचार करताले. त्या भरार ताणीं मिरवणुकोय काडल्यो आनी कोनशा कोनशानीं प्रचार सभा केल्यो. फुडाराकडे नदर दवरून यशवंत अशा वेळार हात ढील सोडटा. पोटाची वेवस्था बरी जायत जाल्यार कार्यकर्त्यांचें आनी मतदात्यांचें फाटबळ बरें मेळटा. पंचायत निवडणुकेंत जैतिवंत जावन यशवंत पंचायतींत पावलो.

कांय जाणांची जिणेंतली उदरगत तोखणाय करपासारकी आसता. भाग्य म्हळें तरी कांय विशेश गूण मुळांतूच आसचे पडटात. सुवार्थाकडे चित्त एक सारकें लागलें जाल्यारूय हातांक हातचलाखी करचेलो हातगुण आसूंक जाय. हात मारप आनी गरज पडल्यार घात मारप हाचें सर्रास गिन्यान आसूंक जाय.

पंचायतींत पंच म्हूण समाजकार्य करतना यशवंताक सरपंच जावचेली संद सांपडली. आदल्या सरपंचाचेर अविश्वासाचो थाराव येवन तो पास जालो. यशवंताचो गूट जैतिवंत जालो. यशवंत सरपंच जालो.

सरपंच जातकूच पयलो मांडपाचो मुद्दो म्हळ्यार गांवचो विकास. आदले सरपंच आपूण गांवचो सर्वार्थान आनी सर्वांगान कसो

विकास करतले हाचेर लांब लांब उलोवपां करताले. पूण हो मुद्दो आतां चाबून चाबून चोथो जाला. गांवांत विकासाची गंगा कशी हाडतले, हे गंगेचें विकास वांटप कशे करतले अशी प्रवचनाय आतां पोन्नी जाल्यांत. शेतां भाटांनी उत्पन्न वाडोवन हरीत क्रांती घडोवन हाडटले असें म्हणूंक गेल्यार शेतांच पुरल्यांत आनी भाटांनी माडाच्या जाग्यार खांबे वयर सरल्यात. विकास आदींच करून दवरलेलो आसा. आतां हीं उलोवपां बंद जाल्यांत आनी फुडलो विकास गपचूप जावंक लागला. सगळेच जाण तोंड धांपून विकास करीत आसात. विकासांत सगळ्यांचोच वांटो आसा. सरपंचाचो शिंवाचो वाटो आसलो तरी हेर पंचांकूय तांच्या तांच्या वाटाराप्रमाण वांटो थारायल्लो आसा.

यशवंताचे सरपंचाचे कारकिर्दींत विकासकार्यां आनी सार्वजनिक कार्यां खूप जालीं. शेता-भाटांनीं आकर्शक बांदावळी जाल्यो. घरां जालीं तशीं थोडी-भोव मंदिरांय जालीं. मदिरा-घरांय जालीं. जायतें बांदकाम कायद्यांत बसनासलें तें कायद्यांत बसोंवक यशवंतान खास उपाय केले. ह्या देशांत कायद्यान कांय जायना असो ह्या देशाच्या राजकारभाराविशीं सार्वत्रिक समज आसलेल्यान यशवंतान कायदे मोटे हिकमतीन जाय तशे घुंवडावन कार्यां तडीक व्हेलीं. फायद्याची तजवीज करून कायदे बागोंव येतात. यशवंतान अल-कायदा आनी अल-फायदा हांचे मजगतल्यान विकास गंगा हाडली.

यशवंतान माया केली जायत पूण गांवाची काया बदल्ली. गांवाक शाराची सया मारूक लागली. तरातराच्यो योजनाय अंमलांत हाडल्यो. आदार नाशिल्ल्यांक आनी आदार आशिल्ल्यांकूय निराधार योजनेंत घाले. सरकारी योजनेमार्फत तरनाट्यांक गाडे घालून दिले आनी मोटर-सायकलीय मेळोवन दिल्यो. हे गाडे मटक्याचीं केंद्रां जावन मोटर-सायकली मटक्याच्यो स्लिपी हाड-व्हर करूंक लागल्यो. हे योजनेक लोक अपुर्बायेन 'यशवंत कल्याण योजना' म्हणूंक लागले. कल्याण हें नांव कल्याण मटक्यावेल्यान घेतिल्लें. त्या भायर यशवंताच्यो आनीक कांय खास योजना आसल्यो त्यो इल्ल्यो गुपीत आसल्यो तांका लोक 'यशवंत मैन योजना'म्हणटाले.

मंत्राक्षता

रामकृष्ण जुवारकार

चामुंडा प्रकाशन
व्हडलें गोंय

मंत्राक्षता

(ललित निबंध)

©रामकृष्ण जुवारकार

उजवाडावपी:
चामुंडा प्रकाशन, व्हडलें गोंय

अक्षर जुळोवणी:
स्नेह ग्राफिक्स, ताळगांव -गोंय

चित्रकार:
सुरेश बोरकार

रंग येवजण:
अमृत गोयतोंडे

छापपीः
प्रिंटआर्ट ऑफसेट प्रिंटर्स,
कुंडई - गोंय

मोल रु.१००/-

मंत्राक्षता

ह्या संग्रहांत आयिल्ले ललित निबंध हे आमचे भाशेंत मंत्रायिल्ल्या अक्षतां सारके. आमच्या समाजांत नित्याच्या वेव्हारांत व्यक्तींचे कांय खास नमुने पळोवंक मेळटात. कांय नमुने प्रतिनिधीक आसतात.. तांकां ह्या अक्षतांनी पावन करचो प्रयत्न केला.

ह्या निबंधांनीं जायतेकडे विनोदाची सया आसा. विनोदाक लागून सोसणूक मेळटा. कांय व्यक्तिचित्रां विनोदाचे नदरेन पळेत जाल्यार सोंसपासारकीं आनी हांसपासारकीं जातात. राग ना, लोभ ना असे भाशेन तांचें वर्णन केल्लें आसा.

बरयतल्याक बरयतनाच आपल्या बरपाचो आनंद मेळूंक जाय. वाचप्यांचो प्रतिसाद मेळ्ळयार तांतूंत भर पडटा. पूण ते भरीक चड पडूंक जायना. बरोवप्यान चड परावलंबी जांवक जायना. कोंकणींत सातत्यान बरोवपाचें आसल्यार हो संयम दवरूंकूच जाय.

कांय थोडे वाचपी उक्त्या मनान प्रतिक्रिया दितात. चडशे जाण "तुजें पयरचें वाचलें आं" इतलेंच म्हणून फुडें वतात. बरोवप्याक पयर आपणें बरें केलें काय गुन्याव केलो हें कळना. कोंकणी बरोवप्यान हाची संवंय करून घेंवक जाय अशें म्हजें मत जालां.

हांतलें चडशें बरप 'सुनापरान्त'च्या सप्तकी आंकांनी उजवाडाक आयलां. 'बिम्ब' च्या आंकांतूय थोडें भोव छापून आयलां. तांचो हांव चड उपकारी आसां.

'टवाळा आवडे विनोद'हें विनोदाचें आनीक एक आंग आसता. खंयूय एकाद्रें हटमटवाळी जाल्ली आसल्यार ती भगसूंची अशें मागतां.

ह्यो अक्षता वांट्टना खूप खोस जाता. पुस्तकां वांटपांत खोस आसता ताचे परस अक्षता वांटपांत चड खोस आसता.

व्हडलें गोंय, रामकृष्ण जुवारकार

२५डिसेंबर,२००५

मां डा व ळ

१ सांतूची देखदिणी जीण/ १
२ धर्मूचो स्वहिताचो धर्म/ ४
३ यशवंताचीजैतवंत जीण/ ९
४ मोनूचें बल्कांव / १६
५ शाणूदादाचें दूरदर्शन/ २६
६ फटीबाबाच्यो फटी/ २९
७ गुणा म्हणे/ ३२
८ तिकूचीभाशावादांतभोंवडी/३७
९ शांतो-मराठीचोप्रमूखवक्तो/ ४०
१० मराठी येता घरा/ ४७
११ फ्रेम कविता/ ५२
१२ उतरांचे बरे वायट दीस/ ५६
१३ वाल्मिकी ग्रंथायन/ ५९
१४ कृष्ण जन्मभूमी/ ६२
१५ असत्यमेव जयते/ ६७
१६ सहस्त्रकाचेंताजें ग्रहमान/ ७१
१७ भानू पै/ ७५
१८ घटनेक जाय घटपाण/ ७९
१९ खाय थंय लोकशाय/ ८१
२० भाशेचो संवसार/ ८३
२१बरोवप्याचें आत्मचरित्र/ ८५
२२ मटको/ ८८
२३ नवें गोंय/ ९२
२४ सुण्याचो गुणधर्म/ ९६
२५ चोरयेची विद्या/ ९९
२६ कंडक्टर/ १०३
२७ जयू/ १०९
२८ हिम्मतवान कान्ता/ ११३
२९ सदू/ ११९
३० उपी आनी गोपी/ १२५
३१ सूर्या/ १३०
३२ जगू/ १३४
३३ पावलू आनी खळू / १४०
३४ रानराज्य/ १४३
३५ सोबेचीं झाडां/ १४७

सांतूची देखदिणी जीण

राजकी फुडारी जर धर्मप्रचारक आसत, संत जर नट आसत, शिक्षक जर राजकारणी आसत, जाल्यार अशे दोट्टी व्यक्तित्वाचे मनीस समाजांत बरेंच येस मेळयतात. सांतून अशेंच खूप येस मेळयलां. चोरयेच्या कर्तुबां बराबरूच ताच्या आंगात फटींगपणाचे गुण आसलेल्यान ताची जीण तोखणाय करपासारकी जाल्या.

वडा-पुनवे दिसा जल्म जालो म्हूण सांतूक सत्यवान नांव दवरलेलें. ताचें मागीर सांतू जालें. सत्य ताच्या आंगांत येवंक अनमनूं लागलें पूण आंग मात वडाभशेन वाडलें. ताचें आंग धडधाकट पूण सत्याचे मार्ग चुकोवन ताचें पावल चडशें असत्याचे दिकेन पडूंक लागलें. तांतूत हातांक चोरयेची चलाखी आशिल्ल्यान ताची जीण भोवरंगी आनी भोवढंगी जाली. संवसारांत व्हड व्हड चोर-फटिंगांक प्रसिद्धी मेळटा पूण सांतू सारक्या प्रसिद्धी माध्यमांपसून पयस आशिल्ल्या गांवांतल्या एका भोवरंगी व्यक्तित्वाक तशी प्रसिद्धी गावना. तरी पसून तांचेंय चरित्र गावपासारकेंच आसता.

सुरवेक सावन सांतूची बुद्द अभ्यासांत चडशी नासली. तरी पसून रिती-रिवाजाप्रमाण ताणे शाळेच्यो सात-आठ यत्ता पास केल्यो. अभ्यास जरी चडसो जालोना तरी मुळांत ताची बुद्द शिटूक आसलेल्यान ह्यो यत्ता पास जांवक ताका व्हडलीशी अडचण पडली ना.

निव्वळ पुस्तकी गिन्यान उपकरना. आपल्या पायांर उबो रांवक जाय जाल्यार हेर गिन्यानाचीय गरज आसा अशें येवजून ताणें एके गॅरेजींत शिकावू मॅकेनिकची नोकरी धरली. यांत्रिक कला शिकतना थंय ताणे चोरेयेचे कळाशेचोय अभ्यास केलो. जेन्ना ताणे नोकरी सोडली जांव ताका ती सोडची पडली तेन्ना संवसारांत आपल्या पायांर उबो रांवक जाय तितली तांत्रिक विद्या आनी चोरयेचीय विद्या तो शिकिल्लो.

मागीर सेल्समनची एक नोकरी ताका मेळ्ळी. थोड्या दिसांनी दुकानांचेर माल घालून परतो येतना वाटेर चोरांनी ताका आडावन

ताचेकडल्यान पैसे काडून घेतले अशी गजाल ताणें मालकाक येव-
सांगतकूच ही गजाल फुडें वाडूंक नाका म्हूण मालकान ताका नोकरी
सोडूंक लायली. हाचे फुडें आपूण केन्नाच चोरांचे तावडेंत सांपडचोना अशें
सांतून सांगून पसून मालकान ताचें आयकलेंना. निरूपाय म्हूण सांतू थोडे
दीस घरा बसून रावलो. बसून खावपाइतली कमाई ताचेकडे आसली. पूण
बसून उबगण येतकूच ताणें हेर धंद्यांनी लक्ष घालपाक सुरवात केली.

गावांत ताणे एक गाडो घालो. खंयचे तरी सरकारी स्वयं-रोजगार योजनेखाला हो गाडो ताणे घाल्लो. ह्या गाड्यार विक्रेचो माल आसलो तसोच हेर चोरयेचो मालूय मेळटालो.

सतत परिश्रमान सांतून आपलो धंदो वाडयलो आनी तो गांवांत एक प्रतिष्ठीत व्यापारी म्हूण मान्यतेक पावलो.

एक गिरेस्त व्यापारी म्हणूनच न्हय तर एक गुणेस्त मनीस म्हूण तोखणाय करपासारकी सांतूची चलणूक आसा. कोणेय ताची तुस्त केली जांव निंदा केली तरी तो स्वहिताचो धंदो सोडिना. ताका कोणेय चोर, फटींग म्हळो तरी तें तो मनाक लावन घेना जांव ताचो दुस्वास करीना. दीस रात उद्योग करीत आसता. ते नदरेन ताका उद्योगपतीच म्हणचो पडटा.

सांतूचो गाडो एक 'थ्री इन वन' गाडो आसा. सांतू ह्या गाड्यार अर्दी-मर्दी आडसरांचोय धंदो करता. आमोरेचेर हांगा तरातरांच्या सट्ट्यांचोय बोवाळ आसता. त्या उपरांत तो आनी ताचे कांय विश्वासांतले साथीदार रातचे भाटांनीं वचून आडसरां काडून हाडटात. हो आडसरांचो धंदोय सांतू मोटे हिकमतीन चलयता.

सांतूकडे पैसो आयिल्यान ताका गांवांत मानूय आयला. आदीं कांय जाण ताका चोर, फटींग, नाड अशें जायतें म्हणटाले पूण ताचेर लक्ष्मीची कृपा जाल्ल्याक ताचे आड चडशे कोण उलयनात. ताच्यांत कितें कमी आसा तें लोक लक्ष्मीक स्मरून विसरून वतात. इतलेंच न्हय तर ताचे दोश पसून आतां लोक गूण म्हणूंक लागल्यात. ताच्या फटींगपणाक मुत्सद्दीपण आनी हात मारपाचे कलेक हस्तकला समजूंक लागल्यात.

धनाचे सर्तींत आसलेल्या समाजाक धन कशें केलें हाचेपरस धन

कितलें केलें हाचें म्हत्व चड आसता. सांतून आतां धन बरेंच जमयलां म्हूण गांवांतल्या समाजीक आनी संस्कृतीक क्षेत्रांतूय ताका म्हत्व आयलां. हालीं हालीं गावांतल्या संस्कृतीक कार्यावळींक सांतूक मुख्येल सोयरो म्हूण आपोवंक लागल्यात. चडशे जाण धनाचे सोयरे आसलेल्यान असल्या संस्कृतीक कार्यवळीनीं सांतू मुख्येल सोयरो म्हूण बरो सोबता.

सांतूचो धंद्याचो वड केदो वाडत सांगू नज. ताचो घेवपासारको गूण म्हळ्यार ताचे तकलेंत नित्य आयते धंदे आनी आलायतें धन हांचे विचार घोळत आसतात.

हेर धंद्यांच्या अर्दीं-मर्दीं सांतू केन्ना केन्नाय कोणाक जाग नासतना जागे घेवन प्लॉट करून विकचेलोय धंदो करता. हांतूंत तो पंचायतींतल्या वांगड्यांचीय मदत घेता. हो धंदो सहकार पद्धतीचेर आसून जाचें ताका दिवन वयलें आपणाक दवरपाचें आसता. सहकार क्षेत्रांतूय कॉम्फ्र, कॉ-ओपेरेटिव्ह असल्या कोशटकांनी तो संद सादून वांटो घेता.

सांतूचे व्यक्तित्व चतुरंगी आसा. ताच्या धंद्यांच्या विस्ताराचो अंदाज करूं नज. हालीं तो संभावीत समाजांत खूप घोळूंक लागला. धनवंताच्या घोटाळ्यांनीं रस घेवंक लागला. जाचें पैशांचें प्रेम खरें आसता तो कितलोय फुडे पावूं येता. धनसंस्कृतीच्या समाजांत ताका भरपूर मान मेळूंक लागला.

सांतूच्या कर्तुबांचो वटवृक्ष असो वाडत असो अंदाज आदीं कोणें करूंक नासलो. फुडें तो कितलो वाडत हाचोय अदमास करूं नज. ताच्या आडमार्गांचे आनी नाडपणाचें सार्थक जावन एक दीस तो व्हड नांव कमयतलो हांतूंत दुबाव ना.

हाली सांतू इल्लो इल्लो संत जांवक लागला. जय श्री राम, जय श्री कृष्ण अशें म्हणूंक लागला. वडापुनवे दिसा जाल्लो हो सत्यवान एक व्हड धर्माभिमानी म्हूण नांव मेळयतलो अशी चिन्नां दिसतात..

◆◆

धर्मूचो स्वहिताचो धर्म

धर्मू आदल्या काळावेलो एक 'मालगडो.' पुर्तुगेज काळांत हद्दीवेल्यान माल हाड-व्हर करपी. त्या वेळार असल्या कार्याक बंदी घाल्ली आसली तरी धर्मून असले जायते बंदी-हुकूम मोडून हद्दीवेल्यान माल हाड-व्हर करचेलें धाडसी कार्य केलें.

धर्मूच्या बापायचो गांवांत एक पसरो आसलो. तो सादो पसरकार. बनिया न्हय. लोकांक बनोंवक ताका कळनासलें. तो इल्लो धर्मिश्टूय आसलो. तुकारामाचे कांय खास अभंग ताका तोंडपाठ आसले. पूण 'मुँहमें राम बगलमें छुरी' ह्या सभावाचो तो नासलो.

धर्मूच्या तोंडांत राम आनी बोडांत दाम आसा. बापाय इतलो तो सरळ मार्गी न्हय. पैशे मेळोवचे मार्ग ताचे तकलेंत सदांच घोळटात. ते मेळोवंक तो वेळा-प्रसंगार वांकड्या मार्गान वचपी. समाजांत वांकडेपण खूप आसा आनी वांकड्या माटवाक वांकडी नेम हो नेम धर्मू मानपी.

हद्दीवेल्या ह्या मालाचे आनी मालगड्यांचे येरादारी चक्राक तेन्ना 'ब्लॅक' ह्या सांकेतीक उतरान वळखताले. "ब्लॅक इज ब्युटिफूल" अशें म्हणटात तशें त्या वेळार लोक ह्या धंद्याक तोखेताले. फुडें जेन्ना व्हड व्हड प्रतिष्ठित लोक हो धंदो करूंक लागले तेन्ना 'ब्लॅक' म्हणप म्हळ्यार तांचे प्रतिष्ठेक बाधा येंवक लागली. तेन्ना ह्या धंद्याक 'वाग छाप' धंदो अशेंय म्हणूंक लागले. लोकशाहींत मागीर शींव, हत्ती हे शिक्के आयले. पूण तेन्ना फक्त वागाचोच शेक चलतालो.

धर्मून हो धंदो धाडशीपणान केलो. कमिशन घेवन मिशन अशें समजून केलो. फुडें पावन जेन्ना ह्या धंद्यांत प्रस्थापीत व्यापारी वांटो घेवंक लागले तेन्ना ह्या धंद्याची प्रतिष्ठाय वाडली. धर्मूची आवकूय वाडली. मालूय मोलादीक वस्तींचो जालो.

ह्या धंद्यांत बरीच प्रगती केल्या उपरांत धर्मूचे अर्थकारण बदल्लें. गिरेस्तांक अदीक गिरेस्त करप आनी गरीबांक गिरेस्त रेशेसकयल दवरप हें योग्य न्हय अशें येवजून ताणें ब्लॅकांत आनीक ब्लॅक करचें धोरण धरलें.

माल धरिनासतना धरलो असो बोवाळ करून अर्दीं-मर्दीं माल गडप करून हडप करचेलें कर्तुप तो करूंक लागलो. ह्या कार्यांत ताणें आकस्मिक आनी आलायतो फायदो जायतो करून घेतलो. गोंय मुक्त जावचे सुमाराक भरपूर संपत्ती साठोवन तो ह्या धंद्यांतल्यान मुक्त जालो.

गोंय स्वतंत्र जातकूच थोडे दीस कितें करचें तें कळना जावन धर्मू रानांत पडलो. स्वतंत्र गोंयांत कसलो तरी स्वतंत्र धंदो करचो अशें ताच्या मनांत येतालें. पैसो आसा पूण काम करिनासतना रावप हें मनाक पटना जालें. त्या भायर आकस्मिक धनाची रूच लागिल्ल्या ताच्या मनाक चैन पडना जावन तो संद सोदीत आसलो.

ताच्या बऱ्या नशिबान ताका फाव तो धंदो सांपडलो. रानां मारपाचो धंदो ताणे सुरू केलो. हद्दीर काम करतना ताका रानां भोवपाची सवंय आसलीच. रानांचे सर्वेक्षणूय ताणे केल्लें म्हूण हो धंदो ताच्या पथ्यार पडलो. हो धंदो कायदेशीर नासलो पूण फायदेशीर आसलो. तांतूंत व्हडा-व्हडांचे आनी अधिकार आशिल्ल्यांचे सहकार्य ताका मेळिल्ल्यान हेंय कार्य हुसक्या मेकळें करपाक ताका सवलत मेळूंक लागली.

आकस्मिक धनप्राप्ती जाली तरी धनसंचयाची रूच लागिल्ल्या मनशाक नियमीत धनप्राप्तीय जाय आसता. हद्दीर धर्मून कितें कितें केलां तें गुपीत आसलेल्यान तो थंय कितें कितें करतालो तें सांगूंक कठीण. धर्मून आपूण हद्दीचेर स्वातंत्र्याखातीर वावुरल्याचीं प्रमाणपत्रां आनी प्रतिज्ञापत्रां सादर केलीं. स्वातंत्र्य सैनिकांचे वळेरींत आपलें नांव भांगराच्या अक्षरांनीं बरोवन ताणें सत्कार करून घेतले आनी मागीर दर म्हैन्याक सुटके झुजाऱ्याचें पेन्शनूय मंजूर करून घेतलें. असली सुटके झुजाऱ्याक पेन्शन मेळोवंक एकाद्रें त्रास पडत, पूण धर्मूसारके नकली स्वातंत्र्य सैनिक तकली चलोवन सोपेपणान पेन्शन मेळयतात. आयच्या राजकारणांत कितेंय चमत्कार घडूं येता. धर्मून जायते चमत्कार केल्यात. साधू-संतूच चमत्कार करतात हेरांक जमना अशें ना. संदी-साधूय चमत्कार करून दाखयतात. चमत्कार नासून खरे स्वातंत्र्य

सैनिक कोनशाक उरतात आनी धर्मू सारको चमत्कारान स्वातंत्र्य सैनीक जावन सत्काराक आनी निवृत्ती वेतनाक पात्र जाता.

धर्मून मागीर बापायच्या पसऱ्याचें नुतनीकरण केलें. पसऱ्याक आधुनिक रूप दिवन ताचो पसारो वाडयलो. संवसाराक उपेगाक पडटात त्या जिनसां भायर इलेक्ट्रिक आनी इलेक्ट्रोनिक वस्तूय हाडून भरल्यो. सॉफ्टड्रिंक तेच परी हार्डवेअरूय ताच्या पसऱ्यार मेळूंक लागलें. धर्मू पसरकारूच उरलो ना तर जनरल मर्चंट जालो.

पसरकार जांव जनरल मर्चंट जांव, ना तर आनीक कोणूय जांव ताचे खास इश्ट ताका स्वांतत्र्य सैनिक धर्मू अशेंच चडशें म्हणूक लागले. खऱ्या बिरूदापरस लोकांक ठकोवन मेळिल्लीं बिरूदां चड आवडीचीं आसतात. धर्मूकूय आपल्याक लोकांनी स्वातंत्र्य सैनिक म्हूण वळखूचो अशेंच दिसता. स्वातंत्र्य सैनिक म्हूण जेन्ना जेन्ना धर्मूचो गौरव जाता तेन्ना आपूण धर्मगुरू जाल्लेवरी तो स्वानंदांत बुडून वता.

बापायच्या वेळार देवस्पणाचें वातावरण आसलें. ताचो थोडो अंश ह्या धर्मानंदामदें आसा. पूण बापायचो तुकाराम आसलो, धर्मूचो म्हाकाराम आसा. जंय सादता थंय राम आसा. जंय सादना थंय राम-राम.

धर्मू जनरल मर्चंट आसलो तरी ताका कसलीच फिकीर नासलेल्यान तो मेळत त्या क्षेत्रांत कीर कसो फिरता. राजकारणांत, देवस्पणांत, समाजकारणांत, सगळ्यांत तो इल्लो इल्लो बोवाळटा. राजकारणांतल्या सगळ्या पक्षांमदें येवन वचून तो आयला. जो पक्ष ज्या वेळार सत्तेर आसता त्या वेळार त्या पक्षांत तो फेरयो मारीत आसता.

गांवांत जायत्या उत्सवांमदें तो वांटो घेता.ताचो वांटो ताका आसत जाल्यार तो कसल्याय राजकी, सामाजीक आनी धर्म-संप्रदायाच्या चळवळींत वांटो घेता. सार्वजनिक गणपती इतलोच तो सार्वजनिक नरकासुराक मनयता. असल्या उत्सवांचे येजमानपण केन्ना केन्नाय ताच्या वांट्याक येता. निवडणुकेच्या वेळार जो पक्ष चड मोडटा थंय तो ओडटा जो पक्ष निवडून येता थंय तो दिसता.

धर्मू धर्मिश्ट आसलेल्यान धर्मिक कार्यांत ताका व्हड मान आसा. सद्या तो गांवच्या रवळनाथाच्या देवळाचे कमिटीचेर आसा. तो कमिटीचेर खजिनदार म्हूण वावरूंक लागिल्ल्याक रवळनाथाच्या देवळाचो जीर्णोद्वार जालो. धर्मूचे वळखीन देणग्यो खूप आयल्यो. सत्तेवेल्या पक्षाक तेकून राविल्ल्यान ताची जायतीं कामां बेगोबेग जालीं. बांदकाममंत्र्याच्या वळखीन बांदकामाचें काम बरेंच सोपें जालें. वनमंत्र्याकडल्यान रानांतले सायले आपशींच आयले. देवळाच्या दारा जनेलांक पावन उरले ते ताका हेरकडे उपकरले. हे धर्मिक कार्यांचे पुण्यायेन धर्मूची घराकडलीं आनी दुकानावयलीं जायतीं अडलेलीं कामां जावन पडलीं. हिशोब किदेंय आसूं पूण देवळाचे काम जावन पडलें.

आपलें अर्थार्जनाचें मुखेल काम जातकूच फाविल्ल्या वेळांत धर्मू गांवच्या समाजिक, शिक्षणिक तशेंच धर्मिक कामांनीं आपलो वांटो उखलता.

मनशाचे जिणेंत किदें तरी ध्येय आसूंक जाय तरूच ताचे जिणेक अर्थ आसता. धर्मू कसलेंय काम करूं, नदरे मुखार अर्थ आसता. पैशांचें ध्येय नासलें जाल्यार धर्मूचे जिणेक अर्थ उरचो नासलो.

निर्धन कितलोय शाणो आनी गुणी आसलो तरी ताची समाजांत उपेक्षा जाता. ताचो अपमान जायत आसता. धनवानाक सन्मान मेळोवंक आंगांत व्हडलेशे गूण आसूंकूच जाय अशें ना. ही समाजाची वळख धर्मूक आसलेल्यान दर एका कामांत ताणें अर्थाक चड म्हत्व दिल्लें आसा. धन कशेंय मेळोंव तें मेळयलां म्हूण समाजांत ताची अर्थ-अपुर्बाय जाता.

फावल्या वेळांत तो आतां मंडळांनीं, महामंडळांनीं बोवाळटा. सभ्य लोकांच्यो सभा आसूं ना तर फटींग लोकांच्यो मिटिंगो आसूं जंय कितेंय अर्थ आसता थंय तो वता. आपलें ध्येय केन्नाच विसरना.

वांकड्या माटवाचे वांकडे नेम जांका कळना ते ह्या समाजांत उपकरनात. दोतोर जनसेवा करूं पूण तो आपली बिदागी सोडिना. आव्दोगाद तर प्रतिपक्षाक सैल सोडून आपल्याच अशिलाकडल्यान पैशे वसूल करच्या फाटल्यान लागता. शिक्षक ट्युशनाबगर विद्यार्थ्यांक

भगशिना. साधू पसून झोळयेंत कांय पडना जाल्यार देवाक मानिना. अशा समाजांत धर्मून आपलो धर्म समजून घेतला. धर्मूची देशभक्ती, देवभक्ती हे सगळे भक्तींत ताची सुवार्थभक्तीच ताका पावता.

धर्मुचो धर्म स्वहिताचो आसा. जो स्वताक पावता ताका देव पावता असो ताचो मूळमंत्र आसलेल्यान ताचें सगळेकडे फावता.

◆◆

यशवंताची जैतवंत जीण

यशवंत हो आमच्या गांवान गोंयाक दिल्लो हालींचो नवो-ताल्ल मंत्री. थोड्याच काळा भितर आमी गोंयाक चार-पांच मंत्री दिले. तेच वळेरींतलो हो जैतवंत मंत्री.

यशवंताचें तेर्माचें नांव यशवंत आसलें तरी भुरगेपणांत सावन ताका येसोच म्हूण वळखताले: तो पंचायतीचो सरपंच जालो ते.. ताका आमी यशवंत म्हूण पाचारूंक लागले. राजकारणांतूय जे. तो जैतवंत जालो तेन्ना ताका आमी यशवंतभाऊ, यशवंतभाई, यशवंतराव अशें म्हणूंक लागले.

आमच्या गांवचो एक सर्वसामान्य मनीस कांय न्हंय करून मंत्री जाता हाचें जायत्या जाणांक अजाप जाता. शेजराच्या गांवांक नसायूय जाता. तरी आमच्या गांवांक असो वर आसा कीं हांगची कणंगां आनी कांळगां पसून आपशींच रूचीक जातात. राजकारणांतली सवंगां आनी धवंगांय तशींच आपशींच रंगूक लागतात. आमी चडशे मंत्र्यांचें दोट्टी पीक घेतात.

आमचे मंत्री जरी हालींच लोकांच्या दोळ्यांत वतात तरी पसून हांगची परंपराच तशी व्हड आसा. पुर्तुगेज काळारूय आमी बरे आदमिनिस्त्रादोर गोंयाक दिल्यात. हांगचे रेजिदोर पसून पराक्रमी उतरल्यात. तेन्ना तितलीं गांवठी वर्तमान पत्रां नासलेल्यान गोंयच्या गांवांनी लोकांक आमची तितली खबर मेळूंक ना. तेन्ना गोंयांत मंत्र्यांची जमातूय नासली. अशा वेळार पसून सोरोप धरपी मंत्री आमच्या गांवांत फामाद जावन गेले. अशा ह्या नांवाजत्या गांवांत यशवंतरावासारके मनीस सहज मंत्री जातात हातूंत अजाप ना.

यशवंतरावाचें शिकप णव्वे-धाव्वे मेरेनचे आसा. कॉपी करचेली सारकी वेवस्था ना जाल्ल्यान तो धाव्वेचे परिक्षेक बसलो ना. बसल्यार बऱ्या मार्कांनी पास जावपाचो. पुण हें इतलें शिकप मंत्री जांवक

पावसारकें आसलेल्यान फुडें व्हडलीशी अडंचण आयली ना.

चड शिकलो म्हूण बरी नोकरी मेळटाच अशें ना: यशवंतान शिकप सोडलें. पणजे ताच्या मित्राचे एक हॉटेल आसलें. ताका हाता-पायां पडून ताणें हॉटेलांत नोकरी धरली. आपल्याक आदार जावचो आनी यशवंतूय अर्थिक अडचणींतल्यान सुटचो असो विचार करून मित्रान ताका नोकरी दिल्ली. यशवंत पायां पडूंक जाणा तसो हात मारूंकय बरो जाणा. एका वर्साभितर हॉटेलाक जायतें नुकसान जालें आनी यशवंताक जायतो फायदो जालो. सत्पात्रीं दान करचें म्हणटात पूण आपणें कसलें पात्र वेंचून काडलें अशें त्या मित्राक जालें. पूण उपाय नासलो. यशवंतान बऱ्यान नोकरी सोडली. तो मेरेन ताणें गांवांत एक गाडो चलोवपा इतलें भांडवल केल्लें. यशवंत फुडें राजकारणांत येश मेळयतलो हाचे पूर्वसंकेत मेळूंक लागिल्ले.

गावांत आनीक गाडे आसले. पूण यशवंताचो गाडो सगळ्यांत बरो चलतालो. मुख्येल कारण म्हळ्यार थंय मटकोय चलतालो. आमोरेचेर तर यशवंताचो गाडो रथ कसो सोबतालो. भक्तगण थंय मटको लावंक लोट्टाले. थोड्याच दिसांनीं गांवांतल्या कांय थोड्याच लखपतीमदें यशवंताचो नंबर लागलो. यशवंताचे कुंडलेंत खरेंच 'लक' आसलें म्हणूंक जाय. ताची रंकाचो राव जावचेली प्रगती खरीच तोखणाय करपा सारकी आसली.

यशवंताचेर लक्ष्मीची कृपा जाल्या ती पळोवन गांवच्या सुधारक नागरिकांनी ताचो तरातरांनी सन्मान आनी भौमान केलो. लक्ष्मीची कृपा जाली तशी आपशांच हेर देवांची कृपा जाता. आमच्या गांवांत हालीं सार्वजनिक गणेशोत्सव व्हडा दबाज्यान जांवक लागला. सर्ती जातात सोर्ती लागतात. ह्या उत्सवाच्या अध्यक्षाक खूप मान आसता. गणपतीक जितलो पुजेंत मान आसता तितलोच जांव ताचेपरस चड ह्या अध्यक्षाक उत्सवांत मान आसता. ह्या उत्सवाचो अध्यक्ष जावचो मान यशवंताक मेळ्ळो.

सार्वजनिक गणपतीचो आशिर्वाद घेवन यशवंतान सार्वजनिक कार्याक आरंभ केलो. समाजिक, संस्कृतिक आनी शिक्षणिक मळार तो

वावुरतालो तेन्ना ताणें व्हड समाज सुधारकाचे व्रत घेतिल्लेवरीं दिसतालें. ह्या काळार ताणें वाड्या-वाड्यार सत्यनारायणाचीं व्रतां घडोवन हाडलीं. खूपशे फंड एकठांय केले. ह्या वावरांत वांटो घेतना तो आपलोय वांटो कडेक दवरूंक विसरलो ना. जे शाळेंत तो धाव्वेमेरेन शिकिल्लो ते संस्थेच्या चालक मंडळाचोय तो अध्यक्ष जालो. शाळेंत तो दरेक वर्गांत कॉपी मारून पास जाल्लो तेच शाळेच्या अध्यक्षपदाची तोपी ताच्या माथ्यार पडली हें विलक्षण भाग्य म्हणूंक जाय.

पंचायतीच्यो निवडणुको जेन्ना जाहीर जाल्यो तेन्ना ते निवडणुकेंत उबो रावंक ताच्या भक्तगणांनीं ताका एकसारको आग्रो केलो. लोकांची खरी सेवा पंचायतींतल्यानूच जाता असो पेंच घालतकूच तो निवडणुकेक उबो रांवक तयार जालो. तो निवडणुकेक उबो रावतकूच ताचे भक्तगण घरा घरांनी वचून आनी बार्रां बार्रांनी बसून ताचो प्रचार करताले. त्या भरार ताणीं मिरवणुकोय काडल्यो आनी कोनशा कोनशानीं प्रचार सभा केल्यो. फुडाराकडे नदर दवरून यशवंत अशा वेळार हात ढील सोडटा. पोटाची वेवस्था बरी जायत जाल्यार कार्यकर्त्यांचें आनी मतदात्यांचें फाटबळ बरें मेळटा. पंचायत निवडणुकेंत जैतिवंत जावन यशवंत पंचायतींत पावलो.

कांय जाणांची जिणेंतली उदरगत तोखणाय करपासारकी आसता. भाग्य म्हळें तरी कांय विशेश गूण मुळांतूच आसचे पडटात. सुवार्थाकडे चित्त एक सारकें लागलें जाल्यारूय हातांक हातचलाखी करचेलो हातगुण आसूंक जाय. हात मारप आनी गरज पडल्यार घात मारप हाचें सर्रास गिन्यान आसूंक जाय.

पंचायतींत पंच म्हूण समाजकार्य करतना यशवंताक सरपंच जावचेली संद सांपडली. आदल्या सरपंचाचेर अविश्वासाचो थाराव येवन तो पास जालो. यशवंताचो गूट जैतिवंत जालो. यशवंत सरपंच जालो.

सरपंच जातकूच पयलो मांडपाचो मुद्दो म्हळ्यार गांवचो विकास. आदले सरपंच आपूण गांवचो सर्वार्थान आनी सर्वांगान कसो

विकास करतले हाचेर लॉब लांब उलोवपां करताले. पूण हो मुद्दो आतां चाबून चाबून चोथो जाला. गांवांत विकासाची गंगा कशी हाडतले, हे गंगेचें विकास वांटप कशे करतले अशी प्रवचनाय आतां पोन्नी जाल्यांत. शेतां भाटांनी उत्पन्न वाडोवन हरीत क्रांती घडोवन हाडटले असें म्हणूंक गेल्यार शेतांच पुरल्यांत आनी भाटांनी माडाच्या जाग्यार खांबे वयर सरल्यात. विकास आदींच करून दवरलेलो आसा. आतां हीं उलोवपां बंद जाल्यांत आनी फुडलो विकास गपचूप जावंक लागला. सगळेच जाण तोंड धांपून विकास करीत आसात. विकासांत सगळ्यांचोच वांटो आसा. सरपंचाचो शिंवाचो वाटो आसलो तरी हेर पंचांकूय तांच्या तांच्या वाटाराप्रमाण वांटो थारायल्लो आसा.

यशवंताचे सरपंचाचे कारकिर्दीत विकासकार्यां आनी सार्वजनिक कार्यां खूप जालीं. शेता-भाटांनीं आकर्शक बांदावळी जाल्यो. घरां जालीं तशीं थोडी-भोव मंदिरांय जालीं. मदिरा-घरांय जालीं. जायतें बांदकाम कायद्यांत बसनासलें तें कायद्यांत बसोंवक यशवंतान खास उपाय केले. ह्या देशांत कायद्यान कांय जायना असो ह्या देशाच्या राजकारभाराविशीं सार्वत्रिक समज आसलेल्यान यशवंतान कायदे मोटे हिकमतीन जाय तशे घुंवडावन कार्यां तडीक व्हेलीं. फायद्याची तजवीज करून कायदे बागोंव येतात. यशवंतान अल-कायदा आनी अल-फायदा हांचे मजगतल्यान विकास गंगा हाडली.

यशवंतान माया केली जायत पूण गांवाची काया बदल्ली. गांवाक शाराची सया मारूक लागली. तरातराच्यो योजनाय अंमलांत हाडल्यो. आदार नाशिल्ल्यांक आनी आदार आशिल्ल्यांकूय निराधार योजनेंत घाले. सरकारी योजनेमार्फत तरनाट्यांक गाडे घालून दिले आनी मोटर-सायकलीय मेळोवन दिल्यो. हे गाडे मटक्याचीं केंद्रां जावन मोटर-सायकली मटक्याच्यो स्लिपी हाड-व्हर करूंक लागल्यो. हे योजनेक लोक अपुर्बायेन 'यशवंत कल्याण योजना' म्हणूंक लागले. कल्याण हें नांव कल्याण मटक्यावेल्यान घेतिल्लें. त्या भायर यशवंताच्यो आनीक कांय खास योजना आसल्यो त्यो इल्ल्यो गुपीत आसल्यो तांका लोक 'यशवंत मैन योजना'म्हणटाले.

फटीबाबाच्यो फटी

फटीबाबाचे मूळचें नांव फटीबाब न्हय. पूण ताच्या फटशास्त्रांतल्या अफाट गिन्यानाक लागून ताच्या गांवभावांनीं ताका सन्मानान दिल्लें तें अपुर्बायेचें नांव.

फटीबाब जल्माचोच फटींग. धोडावन धोडावन पिकयल्लो फटींग न्हय. हें पुत्ररत्न जल्माक येतकूच आवय-बापायन ज्योतिशा-कडल्यान ताची जल्मकुंडली करून घेतली आनी ज्योतिशाक जेन्ना कुंडलेचो सारांश विचारलो तेन्ना ज्योतिशान सांगलें खंय कीं हो जोडटलो, संवसार करतलो, सगळें करतलो पूण राहू-केतू, शनी फाल्स स्थानार पडिल्ल्यान ताची जल्माची फटींगपणां वच्चीं ना.

सर्वसामान्य घराब्यांत अवतार घेतिल्ल्या फटीबाबाक ताच्या आवय-बापायन तेन्नाचे मर्यादेंत जाता तितलें शिक्षण दिलें. मराठी चार यत्ता, आनी पुर्तुगेज प्रिंमैर ग्राव पदरांत पडटकूच बापायन ताका आपल्या पसऱ्यार बसयलो.

फटीचे फटींगपणाचे प्रतिभेक जेन्ना पाखां फुटलीं तेन्ना ताका पसऱ्यार बसून रावप जमना जालें. माल हाडून देणें बुडोवप हो व्यापारधर्म ताणें पसऱ्यार बरे तरेन चलयलो. पूण बापायकडे व्यापाऱ्यांचो चड कागाळ्यो जाल्ल्यान ताका पसऱ्यार बसून रावप कठीण पडूंक लागलें. मागीर व्याप वाडोवंक तो भाणस्तारच्या शुक्रारच्या बाजाराक वचून येवंक लागलो. थंय जायते बारा ब्रेस्तार आनी तेरा शुक्रार ताणे केले. फटीच्या लटाफटींक थंय कार्यक्षेत्र व्यापक मेळिल्ल्यान ताणें आपलो व्यापार बरोच वाडोवन बरी अर्थप्राप्ती करून घेतली. जायत्या जाणांक तोपयो घालून जातकूच ताणें आपलो भाणस्तारचो व्याप आटापाक हाडलो.

निव्वळ फटी मारप ही अव्वल कला आसली आनी तांतूंत दुसऱ्याक फटयल्ल्याचें आत्मसुख मेळटा आसलें तरी ताचे जोडयेक सुवार्थबुद्द आसत जाल्यार फटी मारिल्ल्याचें सार्थक जाता. फटीबाब

फटी मारचे मारून सुवार्थूय सादता म्हूण जोडूंक पावता.

फटीबाबाक उलोवपाची चलाखी आसा तशी हातचलाखीय आसा. काळजांत पैशांचो मोग आसा. पैशांच्या मोगाक लागतलो दुसरो मोग ना आनी फटींक लागतली दुसरी कला ना. ह्या कलासंगमाक लागून फटीबाबाची जीण संपन्न जाल्या.

भाणस्तारचो व्याप जातकूच फटीबाबान आपलें कार्यक्षेत्र वाडोवन खोर्ले उद्योग वसाहतींत कांय काळ संचार केलो. दोन तीन उद्योग-धंद्यांनीं माल पुरवठो करचेलो उद्योग केलो. थंय नाडानाडी बराबरूच वेळाप्रसंगार गुप्त चोरयेचीय नाडेपेन्नां ताणें केलीं आनी आपले जीणेक खेरीत गोडी हाडली. दुदाक साखर जी गोडी हाडटा ती फटींक नाडानाडी गोडी हाडटा आनी जीण समृद्ध करता.

कर्तबगार मनशाचे जिणेंत अशे कांय खिण येतात की खूप कर्तुबां करून जातकूच मध्यांतर घेवन कांय काळ आत्मचिंतन करून फुडल्या कार्याची दिशा थारावची पडटा. फटींगपणां एकसारकी लांबयत जाल्यार लाब जावचे सुवातेर फटींगपणां उक्त्यार पडून नुकसान जांव येता. अशा वेळार समाजसेवेची, देशसेवेची जांव देवभक्तीची सोवळीं वस्त्रां पांगरून अस्सल हेतू लिपोवप फायद्याचें आसता.

फटीबाबान कांय काळ गांव सुदारणेचे भानगडीनीं लक्ष घालें. समाजीक, शिक्षणीक, राजकी आनी धर्मीक अशा वेगवेगळ्या मळार ताणें भोंवडी मारून पळेली. गांवच्या शाळेच्या कारभारांत कार्य केलें. देशभक्तीची शिरां-शिरांनी अकस्मात स्फूर्त हाडली. सांस्कृतीक, देशप्रेमाचे चळवळींत शबय घालून पळेली. राजकी सभांक हजेरी लायली. पसंन्यार सत्यनारायणाची पूजा केली. असत्याचे मजे उपरांत सत्यनारायणाचे पुजेचें धांकणें घालून ताणें आपलें असत्य लिपोवची तजवीज केली. ह्या समाजीक, संस्कृतीक आनी धर्मीक वावरांतल्यान ताची व्हड-व्हड प्रस्थांकडे वळख जावन फुडें प्रस्थान दवरचेले मार्ग ताका आपशांच दिसूंक लागले.

फ़टी फटींग आसलो तरी ताची वाणी अमृतासारकी गोड आसा. ताच्या गोड उलोवपाक लागून ताचीं नाडपणां लिपतात. फट तें

खरें करून दाखोवच्या कसबाक लागून तो फटी मारता तें कळना. ताची उतरां सत्यापरस खरीं कशीं दिसूंक लागतात.

गोड उलोवन आनी फटी मारून फटीबाबान बऱ्या बऱ्यांकडे संबंद जोडले. समाजसेवा केल्ल्याचें फळ ताका रोखडेंच गावलें. ताचो पसऱ्यावेलो व्याप वाडलो. जंय साकर, पेत्रोल मेळटालें थंय आतां सारें, शिमिट अशे सगळे जिनस मेळूंक लागले. फटीबाबाचो पसरो ताण चलूंक लागलो.

समाजीक आनी राजकी मळार आपणें जे कितें शिटुकपणाचें बीं घालां ताका अदीक अदीक गोड फळां येवचीं अशें ताका दिसतालें. राजकी वळखींक लागून आपल्याक एक पेट्रोल पंप तरी मेळचो अशी ताची माफक मागणी आसली. तो एक व्हड समाज कार्यकर्तो आनी देशभक्त म्हूण वावुरलेल्यान ही ताची मागणी रास्त आसली. राजकारण्यांक कितेंय खावोवन पंपाची आपली मागणी मान्य जाता काय कितें हाची ताणे भितरल्यान चौकशी केली.. निमाणें पेट्रोल पंपाचे समितीची संमती मेळोवपाक फाव तो सौदो जावन गांवच्या हमरस्त्यार एक पेट्रोल पंप घालूंक ताका परवानगी मेळ्ळी.

फटीबाब सद्या गांवांत एक व्हड प्रस्थ आसा. सत्य जंय मार खाता थंय असत्य व्हडपण दिता हाची देख फटीबाबान आपले आदर्श जिणेन दिल्ली आसा.

◆◆

गुणा म्हणे

पिलार हो वाटार सगळ्या गिन्यानाचें कुळार आसा. कदंब रायांची राजधानी हांगाच आसली. साधू-संत, पंडीत-महंत हांचीय जायतीं कुळां हांगा जावन गेल्यांत. कदंबांच्या काळार हांगचे पंडीत रत्नजडीत पालख्यांनीं भोंवताले अशें वर्णन आसा. आताचे पंडीत हांगा मोटरींनी भोवतात. पंडितांची परंपरा हांगा आजून व्हडलीशी खंडीत जांवक ना.

ह्या वाटारांत एका अर्दान आगशी, नेवरें, दोंगरी, करमळी तर दुसऱ्या अर्दान पाळें, शिरदन, कुडका, सांतान आसा. राजधानीचो वाटार आसलो ताका आतां व्हडलें गोंय म्हणटात.

पिलारचो दोंगोर आजून बरोवप्यांक, विद्वानांक आनी साधू-संतांक दीपस्तंभाभशेन मार्गदर्शन करता. हांगच्या आसमंताच्या गांवांनीं कवी, लेखक, पत्रकार, साधूंचे बी पीक बरें येता. हांगा कणंगांचे आनी कांद्यांचेंय पीक बरें येता. हांगची कणंगां रूचीक आणी कांदे रसीक अशी गोंयभर फाम आसा. हांगच्या नाल्लांक तितली दर ना पूण आडसरांक आसा. आदल्या काळार म्हाड्डोळच्यो जायो फामाद आसल्यो तशीं आतां व्हडले गोंयची आडसरां फामाद आसात. हांगच्या अर्दकच्च्या विद्वानांक आनी बोंड्यांक पसून खूप मान आसा.

आदली राजधानी आसलेल्यान हांगा दरेक विद्वानाच्या रगतांतूच राजकारण आसा. हांगा कांय राजकारणी संतूय सापडटात. ते अयोध्ये-मथुरेक रथयात्रा करून आयल्यात.

राजधानी लागसारूच प्रसिद्ध सुळाभाट वाडो आसा. आदल्या काळार हांगा चोर चड नासले. संन्यासी मात खूप आसले. म्हूण चोरांक सोडून सन्याशांक सुळार दिवपाची हांगा चाल आसली अशें म्हणटात. आजून हो वाडो लोक पवित्र मानतात.

संत-महंताचे आखाडे आतां उत्तर हिन्दुस्थानांत आसात तशे ह्या स्थानार नात. तरी ह्या स्थानार जायत्या साधू-संतांनीं अघनाशिनी

न्हंयेचेर स्नान केल्ल्यान ताचो आगळो-उणो परीणाम हे भूंयेर जाल्लो आसा. हाका लागून अदीं-मदीं हांगा संत, कवी, पंडीत, आदी विद्वान मनीस जल्म घेत आसतात. केन्ना ती विद्वत्ता कांद्या-कणंगांभशेन तळा -पोंदा धांपून उरता तर केन्ना-केन्ना ती माडां-माडयांभशेन सगळ्यांच्या माथ्यावयर वचून आकाशांत मिरोवंक लागता. हांगा अकलेचे कांदेच नात तर अकलेचे माडूय आसात.

काळ बदलता ह्याप्रमाण साधु-संतांच्या, पंडीत-विद्वानांच्या वर्तनानूय बदल जायत आसत्ता. दोंगरेर कृष्णभट्ट बांदकारासारके संत जाले तशेच दोंगरेकारासारके आनी पर्वतकारासारके राजकारणी साधू-संत जावन गेले. पाळेकारासारके पंडीत जाले तशेच शिरधनकारासारके स्वामीभक्त जाले. करमळकारासारके देशभक्त, लेखक बी जाले. व्हडल्या नेवऱ्या व्हडले नट जाले जाल्यार धाकल्या नेवऱ्यां फामाद तियात्रिस्त जावन गेले. जुवारेर वैद्यकशास्त्री जावन गेले जाल्यार आगशी दर्शनशास्त्री जावन गेले. खुद्द व्हडल्या गोंयां प्रदर्शन-शास्त्री चड जाले.

संत समुदाय तर हांगा परंपरेन जायत आसा. ऐसे संत जाले काळीं। तोंडी तंबाकूची नळी। अशेंय संत हांगा जाले. तेच परी ऐसे संत जाले काळीं। हातीं तुबकाची नळी। त्यांनी घेतले नरबळी। भाशेलागोनी। अशेय संत जावन गेले.

अशी व्हडले गोंयची व्हड परंपरा आसा. फाटले पिळगेंत पसून हांगा दोन संत कवी जावन गेले. तांचे चरित्र आयकल्यार पुण्य मेळटा.

दोंगरे लागसार तळ्या-बांदार हें दोनूय संत-कवी शेजरा शेजराच जल्माक आयले. तांची नांवां गुणो आनी उश्णो. हीं नांवां दितलेय कितले शाणे ते समजुचें पडटा. हांगची नांवां ल्हान, सुटसुटीत पूण अर्थपूर्ण आसतात.

गुणो आनी उश्णो जरी सात्वीक संत आसले तरी एकामेकाचे तात्वीक वैरी आसले. दोगांयचींय निवासस्थानां लागीं लागीं आशिल्ल्यान मदले इल्लेशे सुवाते खातीर दोगांयचोय तात्वीक वाद आसलो. दोन घरां मदीं हो जो जमनीचो कुडको आसलो ताचेर दोनूय घराण्यांत

परंपरेन वाद चलत आयिल्लो. हें प्रकरण कांय काळ कोर्टातूंय गेल्लें. जो भोगता तो मालक असो कोर्टाचो आदेश आसलो. पूण हे जमनी कुडक्याचो भोगपी मालक कोण हाचो निर्णय जायनासलो. भोगपाचे नदरेन दोगांयचोय ह्या कुडक्यार हक्क आसलो. हो वाद मागीर इल्लो थंड पडलो पूण पारंपारीक वैर चालूच आसलें.

गुणाजी हो ह्या कुटंबांत पयलो संत. ताणें आपले परीन अभंग रचना केली. ताच्या दुस्मानांनीं एक पावट ताचे अभंग सुळाभाटचे तळयेंत बुडोवचो प्रयत्न केलो तरी ते गोवेश्वराचे कृपेन तरले अशें सांगतात. ह्या पुर्वापार दुस्मानकायेक लागून संत गुणाजी आपल्या अभंगांत म्हणटा :

धन्य दोंगरी गांव पुण्यभूमी पवित्र। तेथे साधू संत राहताती।।१।।
साधू ना मानिती निंदा आनी थट्टा। निंदेचा बट्टा त्यांसी नसे ।।२।।
निंदकाचे घर असावें शेजारी। उश्णो माझे शेजारी राहतसे।।३।।
बरें केले देवा जन्म दोंगरेर दिला। गुण्या गोविंदें गुणा राही येथें।।४।।

उश्णाकडे गुण्याचे वैर आसलें तरी तो कसो निवैर आसलो हें ह्या अभंगाच्या दाखल्यावेल्यान कळटा.

गुण्यान पंढरीची वारी एक पावट केल्ली अशे सांगतात. पूण फुडें अशी वारी करप जमलें ना म्हूण ताणें इथेंच पंढरपूर हे भावनेन केल्ली ही अभंग रचना आसा:

सुंदर तें ध्यान। उभें दोंगरेवरी। नदर आम्हावरी ठेवोनिया।।१।।
गुणा म्हणें म्हाजें हेचीं सर्वसुख। पंढरीचा कल्परूख दारी असे।।२।।

कल्परूख दारांतल्या माडाक उद्देशून आसा. ह्या माडाक लागून गुणो आनी उश्णो हांचेमदीं आदीं वाद आसलो.

गांवांत कृष्णभट्ट बांदकाराचें राममंदीर आसा. गुण्याची रामभक्तीकडेय ओड आसली हें फुडले रचनेवेल्यान कळून येता:

घाली बांद गुण्या दुस्मानपणाला। राममंदिराला भेट देई।।१।।
आतां तरी प्राण्या हो रे शहाणा। रामापायीं गुणा लागतसे।।२।।

त्या काळार सज्जन अनी दुर्जन अशे जनांचे दोन प्रकार आसले. आतां बहुजन, मागास जन, अति मागास जन, आनीक मागास जन अशे जनांचे जायते प्रकार जाल्यात. समाज सुदारता तशे तशे जनांचे प्रकार वाडटात, पूण गुण्यान सगळ्या जनांक दोन वाट्यांनी वाटलेले आसात तरी सगळे आपल्याक सारके हेंय ह्या अभंगान सांगलेलें आसाः

सज्जन दुर्जन एकचि आम्हा जन ।
आम्हा सर्व समान वाग कोले ॥
गुणा म्हणे गोपाळा तुजी आमी गोरवां ।
तुचि खरा आमुचा राखण देव ॥

गुण्याच्या अभंगांनी केन्ना केन्नाय पुर्तुगेज उतरूय येता. भाशेबद्दल ताचो भेदभाव ना. देखीक :

गुणा म्हणे देवा तुचि आमचो भाव ।
दुजो कोणी इर्मांव नाहीं आम्हा।।

आतांचे सारके तेन्नाय थोडे भोंदू गुरू, बाबा आसले जांवक जाय. गुणाजीचो हो अभंग ताचो पुरावो आसा :

नाहीं शास्त्राधार। वरसून सादू भेस।
करूनी उपदेश । पैशे खाती।।१।।
गुणा म्हणे ऐसे। आसात गुरू-शिश्य।
तांचें तें विश। नको आम्हा।।२।।

उश्णाचे गुणाकडे वैर आसलें. उश्णोय आपले परीन एक संत. तोय अभंग रचतालो. गुण्यापरस गुण्याच्या पुताकडे ताचे चड वैर आसलें. गुणो प्रसंग पळोवन मौन धरतालो पूण ताचो पूत ओगी रावनासलो. उश्ण्यान हो राग एका अभंगान काडला तो अभंग असोः

नाही करी सायास। ना करी अभ्यास।
गुणाच्या पोरास। रीत नाही।

उशणाचो हाचेय परस प्रासादीक आनी गुणाच्या पोराक अदीक दोश दिवपी एक अभंग आसा तो असोः

गुणाचा पुत्र झालासे फाजील।
नित्य आम्हाशी किजील करितसे।
उशणो म्हणे जैसे असे बीज पोटी।
तैसें फळ अंती मिळतसे।।

उशण्याचे अभंग चड आवेशपूर्ण आनी गर्भित अर्थान भरलेले आसतात हें ह्या एका अभंगानूच समजूं येता.

कदंबांच्या ह्या आदल्या राजपाटणाच्या वाटारांत फाटले मुस्तींत जे संत, कवी बी जावन गेले तांतल्या ह्या दोगांचे देखीक थोडेशें दर्शन दिल्लें आसा.

ही कवींची परंपरा ह्या वाटारांत आजून चलत आसा. काव्याचे रचनेंत हांगा सगळ्यो भाशा भगिनी साथ दीत आसतात. पुर्तुगेज काळार क्वचीत पुर्तुगेज उतरां येताली पूण हालींसराक के.जी. पसूनूच इंग्लिशींत शिक्षण जाल्ल्यान इंग्लिश उतरां भोव प्रमाणांत भरशिल्लीं दिसून येतात. हालींच हांगच्या एका कवीन' मुलांना उपदेश' ह्या नांवान काव्य रचना केल्ली आसा. तांतलो एक अभंग देखीक दिंव येताः

मोर्निंगे उठोनी गोडाशीं भजावें।सराशीं म्हणावें गुड मॉर्निंग सर।।
नेमेची करा रे आपुला होमवर्क। तेणे बरे मार्क मेळतसे।।

हांगची ही काव्य परंपरा जशी व्हड आसा तितलीच हांगची भक्ती खर आसा. गुणाजीनूय आपल्या एका अभंगांत देवाकडें मागलां :

गुणा म्हणे देवा दी खरी भक्ती।
उशणी मदमस्ती नको आम्हा।।

।।तथास्तु।।

◆◆

तिकूची भाशावादांत भोंवडी

तिकू भाणस्तारचो नाल्लांचो नेगोसियांत. गोंय स्वतंत्र जाल्या उपरांत गोंयांत मराठीवाद आयलो. जायत्या जाणांक तो फायद्याक पडलो. पूण तिकूक ताचो फायदो जालो ना. ताच्या वांगडचे कांय पसरकार आनी बार्रकार पणजे मंत्र्याच्या कदेलाचेर बसून आयले. मराठीवादाच्या कुस्तार ते राजपथार पावले पूण तिकू मात नाल्लांनीं आनी सोण्णांनींच उरलो. सत्तेची गल्ली पसून ताणें पळेली ना.

तिकूचे मूळचे नांव त्रिविक्रम. पूण हें नांव उलो मारूंक लांब आनी कठीण जाता म्हूण गांवच्या लोकानीं आदी तें तिकम केलें आनी मागीर तिकू करून तिगयलें.

गोंयांत जेन्ना मराठीवाद आयलो तेन्ना नमनाक जे मराठीवादी आसले तांतूतलो त्रिविक्रम एक. जायते मराठीवादी मागीर महाराष्ट्रवादी जावन राज्य करूंक लागले. पूण त्रिविक्रम तसो पराक्रम करूंक पावलो ना. ह्या मराठीवाद्यांच्या पराक्रमाक कांय काळान हिन्दूवाद्यांनी आडखळ हाडली. पूण तरीय तोमेरेन जायत्या जाणांनीं आपलो सुवार्थ सादलो. तिकू मात आसा थंयच उरलो. तिकूचो अवगूण म्हळ्यार वादांत जी सुवार्थ सादचेली कला जाय ती ताचेकडे ना.

तिकू गांवच्या हेर जायत्या मराठीवाद्यां सारकोच मराठी तीन-चार यत्ता शिकिल्लो. मराठी भजनांनी वांटो घेतालो. देवाची पसून आवयभास मराठी असो ताका भास जाल्लो. गांवच्या मराठी इतिहासीक नाटकांनी ताणें ल्हान-सान कामां केल्लीं. अशा प्रसंगांतल्यान ताची मराठी-भक्ती वाडीक लागिल्ली. पूण फुडें जेन्ना मराठीवाद वाडलो तांतल्यान ताका सुवार्थ सादूंक कळ्ळो ना. प्रामाणीकपणाचो अवगूण ताका आड येतालो.

मराठीवाद जसोजसो वाडलो तशें ताचें सत्तेचें राजकारण करून जायत्या जाणांनीं सत्ता भोगली, माया जोडली. तिकू मात माय

मराठीचो गजर करीत उरलो

गांवचे रवळनाथाचे पालखेफुडें तिकू आर्दीं ज्ञानबा-तुकारामाचो गजर घालतालो. पूण राजकारण्यांनीं ज्ञानबाक पालखेंत बसयलो आनी तिकू सारक्या भक्तांक "तुटूं हें शरीर, फुटूं हें मस्तक" असले गजर घालूंक लायले. सत्तेच्या भक्तांक मात ही ज्ञानबाची पालखी नासून सोपानबाबाची पालखी हें अंतरदृष्टीन दिसतालें. सत्तेची सोपणां चडचेले हें साधन अशें मनांतल्या मनांत येवजून तांका तांतल्यान आपलो परजळीत फुडार झळकतालो. सोपान-सत्ताबायचो मनांतल्या मनांत जप करीत ते सत्तेचीं सोपणां चडूंक लागले.

तिकूचे वांगडचे जायते पालखी भक्त "बहुजन हिताय बहुजन सुखाय" चो जप करपी. हो जप करीत जायत्या जाणानीं स्वताचे मनोरथ पूर्ण केले. तिकू मात संवसाराचो गाडो ओडीत उरलो.

कांय जाण भाटकारशाही नश्ट करात म्हूण आड्ड्डुपी तेच नवे भाटकार जाले. आदल्या भाटकारांपरस गबर जाले. तिकूच्या नशिबांत मात नाल्लांचो आनी कट्ट्यांचो गोबोर आजून आसा. तिकूची ही परिस्थिती जावंक ताचे भक्तींत प्रामाणीकपणांचें प्रमाण चड. अप्रमाणीकपणाचें तातूंत माप नासलेल्यान संवसाराचे ताप ताका भोगचे पडटात.

तिकूचो नाल्लाचो नेगोस आतां तितलो चलना. नाल्लांक दर ना. आनी भाटांत नाल्ल ना. हें विश्वचि माझें घर हो न्याय बनियांनीं आपल्या सुवार्थाक जाय तसो घुंवडायल्ल्यान घराव्या वेव्हाराक आदर ना आनी आदार ना अशी दुःस्थिती जाल्या. नव्या बिल्डर-भाटकारांनीं माड आड घाले आनी थंय बिल्डींगांचे खांबे उबारले. आदल्या सरळ मार्गाच्या नाल्लांच्या उद्योगापरस रातयां आडसरां चोरून दिसा आडसरांचो लघु-उद्योग आनी कुटीर उद्योग करतल्यांक तरी मान आनी भाव आसा. हो भोवमान तिकू सारक्या आदल्या नेगोसियांतींक ना. धन-संस्कृतींत लघु-उद्योगूच न्हय खंयचोय व्हड उद्योग पसून रातयां काळखांत जांव दिसाचो आडसान करतात ताका बाजारभाव आसता.

तिकून आतां भाशा आनी धर्मवादांतल्यान स्वेच्छा निवृत्ती

घेतिल्लेवरी दिसता. ज्ञानबा आनी सोपानबाबा हांचेबदला आतां ताची निवृत्तीनाथाकडे ओड लागिल्ली दिसता. तुकाराम आनी श्रीरामापरस रवळनाथाकडे चड भक्ती लागिल्ली दिसता. आदले ज्ञानबा-तुकाराम पालखीवाले आनी उपरांतचे रामभक्त रथवाले देशभक्त आता मारूती मोटरींतल्यान काळे वक्ल लावन भोंवतना तांका तांचो आदलो तिकूराम वांगडी दिसना. माय मराठीचें ताणें जाता तितले रीण पावयलें पूण आनीक फुडें ह्या रथ-पालखीवाल्यांच्या मायाजाळांत घुस्पत जाल्यार आपल्या ल्हानशा धंद्याचेर पसून रीण काडचें पडटलें अशी तिकूची खात्री जाल्ली दिसता.

आतां तिकू सगळो वेळ नाल्लांच्या नेगोसांत लक्ष घालता. प्राप्ती थोडी जांव पूण सदच्या सदाचाराच्या धंद्यांतूच खरी सुखप्राप्ती आसा अशें ताका दिसूंक लागलां. चडांत चड धन कमोवच्या फाटल्यान लागिल्ल्यांक कितली मनशांती आनी सुखप्राप्ती जाता तें तांचे तांकाच खबर. पूण ते सुखप्राप्ती खातीर जगभर पालख्यो आनी रथ नाचोवप हांतूत तिकूक रस ना.

तिकू आतां परतो रवळनाथाचे पालखेफुडें तल्लीन जावन भजन करता. धनांत सुख आसूं पूण मनांतलें सूख हें निजसुख आसा. सुखाचो निजाचो जागो मनूच आसा. आपूण बरो आनी आपलो नेगोस बरो. धर्माच्या नांवार नागोवणेचो नेगोस करूंक तिकूची तयारी ना.

तिकूचे हे मनोवृत्तीक लागून ताका व्हड धनप्राप्ती जाली ना तरी सुखप्राप्ती जांव येतां. राजकी पालख्यानीं आनी रथानीं धनप्राप्ती जायत, सुखप्राप्ती जायतूच अशें ना. अधर्माचो नेगोसियांत जावचे परस तिकू नाल्लांचो नेगोसियांत आसा तोच बरो आसा. रथांच्या आनी पालख्यांच्या बनवाबनवीच्या धंद्यापरस आनी मेळत थंय लोकांक सांगचेल्या तत्वज्ञानाच्या तेफळांपरस तिकूचो श्रीफळांचोच धंदो बरो आसा.

◆◆

शांतो - मराठीचो प्रमुख वक्तो

साळगांवचो शांतो मराठीचो प्रमुख वक्तो म्हूण गोंयभर प्रसिद्ध आसा.

भुरगेपणांत शांतो एक फाजील भुरगो म्हूण गांवांत प्रसिद्ध आसलो. मराठी शाळेंत ताणें मास्तराक नाका-पुरो करून सोडिल्लो. शांत्यासंबंदान शांत्याच्या पिताश्रीकडे मास्तराच्यो जायत्यो कागाळी आसल्यो. पिताश्री इल्लो पितालो आनी घरा येवन शांत्याक मारतालो पूण शांतो कोणाक बदनासलो. मार खावन तो इल्लो निगरगट्टूच जाल्लो.

शांत्याचो एक दीश्ट लागपासारको गूण म्हळ्यार तो मराठीचो भक्त आसलो. शाळेंत कोंकणी कोणेच उलोंवक जायना, मराठीच उलोंवक जाय असो ताणे भुरग्यांक नेम घालून दिल्लो. कोणूय कोंकणी उलयत जाल्यार तो एका एका कोकणी उतरा फाटल्यान एक एक कूट मारतालो. मास्तरान बडी उबारली जाल्यार ताणे ताच्या कदेलार कांय वेळा खातकुतल्यो पसून घाल्यो. तो स्वताक मराठीचो सरदार समजतालो. मास्तरूय भियोवन ह्या छोटचा सरदाराचे वाटेक चड वचनासलो.

चवथी जाल्याउपरांत ताणें शाळा सोडली. तेन्नाच्यान ताणें मराठीचें वाचन करपाक नेटान सुरवात केली. त्या वयार अर्थ सारको समजना जाल्यार पसून ताणें मराठीचे व्हड व्हड ग्रंथ वाचपाक सुरवात केली. मात्सो वयान वाडटकूच तुकाराम, ज्ञानेश्वराचे ग्रंथ ताणे वाचूंक घेतले. तेच परी आगरकर, सावरकराचें साहित्यूय थोडे भोव प्रमाणान वाचलें. टिळकाच्या गीतारहस्यांतले रहस्य पसून सोदचो प्रयत्न केलो.शिकप थोडें आसलें तरी ताचे मराठीचें वाचप तरेकवार आसलें. फुडें मराठीचे चळवळींत आपूण वांटो घेतलो असो ताचो निर्धार आसलो. त्याखांतींर मराठींतलीं सगळी रहस्यां, तशोच मराठी भाशेफुडल्यो समस्या ताणें वय वाडटां-वाडटां समजून घेवचो प्रयत्न केलो. जितलीं

जड मराठी पुस्तकां वाचता तितली मराठीची विद्या आपले तकलेंत गच्च भरतली असो ताका विस्वास आसलो. मराठी खबरापत्रांय सुमाराभायर वाचलेल्यान ताची मराठी समृद्ध जाल्ली.

खंयच्याय व्हड मनशाचे चरित्र आसचें तशेंच रहस्यमय चरित्र शांत्याचें आसा. बापाय उपरांत मराठीच्या प्रस्नापरस पोटाचो प्रस्न गंभीर जालो. बिकट परिस्थितींत वाचपाची कटकट नाका म्हूण ताणें इल्लें इल्लें मराठीचे ग्रंथ बंद केले आनी संवसाराच्या लटाफटीनीं तो लक्ष घालूंक लागलो.

पिताश्रीचे संस्कार पदरांत आसलेल्यान उदरनिर्वाहाक तो एका सुसंस्कृत बार्रांत नोकरेक लागलो. पूण शांत्याचो गूण म्हळ्यार ताका सोऱ्याचें वेसन केन्नाच लागलें ना. फिरंगी काळार सोऱ्याच्या बार्रांत आसून पसून ताणे सोरो चाखलो ना. आनी स्वांतत्र्या उपरांत नवसागर मंथन करून काडिल्ल्या सोऱ्याच्या वासाक तो रावलो ना. फुडें फुडें ताका पैशांचे मात खूप वेसन लागलें आनी हें वेसनूच ताचें मुख्य वेसन जालें. मराठीचें वेसन पसून ह्या पैशांच्या वेसनाचे एक जोड वेसन म्हूण उरलें.

हें सोऱ्याचें बार्र मात शांत्याक आपलो फुडार पर्जळीत करपाक बऱ्याक पडलें. थंयच ताका फुडले प्रगतीची वाट सांपडली. गोंयचे हद्दीर काळो बाजार करतल्यांकडे ह्या बार्रार आसतनाच ताची वळख जाली. बार्र सोडून ताणें हद्दीवेल्यान माल हाड-व्हड करपाची सिर्व्हिस धरली. हद्दीर यो-वच करतना ताची येणावळ खूप वाडली. मागीर ताणें स्वतंत्रपणात हो धंदो सुरू केलो. केन्नाय खोट खाली जायत पूण जायते पावट ताणें ह्या धंद्यांत खोट मारून पैशे काडले.

मदीं ताका हद्दीर पुलिसांनी धरिल्लो. कांय काळ ताणे बंदीवासूय भोगलो. पूण आतां तो स्वातंत्र्याचे चळवळींत आपल्याक पुर्तुगेजांनी गजाआड केल्लो अशें सांगता. ताच्या त्या वेळच्या सगळ्या धंद्याचे सारके पुरावे मेळनात. पूण स्वातंत्र्यसैनिक म्हूण पुरावे मेळोवन तो आता स्वांतंत्र्यसैनिकाचें पेन्शन मात घेता.

ह्या हद्दीवेल्या धंद्यावेळार तो जायते पावट बेळगांवां रावलो.

संयुक्त महाराष्ट्राचे चळवळीन तेन्ना बेळगांवां नेट धरिल्लो. सुपें, कारवार, बेळगांव हे आनी अशेच सिमेवेले प्रदेश महाराष्टांत "घातलेच पाहिजे" अशी ही "झालाच पाहिजे" छाप चळवळ आसली. हे चळवळींत वेळा प्रसंगार शांत्यान वांटो घेतलो आनी गोंय स्वतंत्र जातकूच गोंयूय महाराष्ट्रांत घालूंक जाय ह्या प्रचारांत तो सहभागी जालो. थंयच ताका मराठीचो वक्तो जावपाची संद मेळ्ळी.

सुरवेक हे चळवळींत तो मराठीचो एक सादो शिपाय म्हूण भितर सरलो. मागीर मराठीचो मावळो जालो. मागीर वक्तो, मुख्य वक्तो, प्रमुख वक्तो अशी ताका बडटी मेळत गेली.

गोंय स्वतंत्र जातकूच शांतो गोंयांत थिरावलो. तो मेरेन ताणे बरोच पैसो जमयल्लो. हणजुणा वेळेर ताणें हिप्पींची सेवा करूंक एक हॉटेल घालें.

गोंयांत त्या वेळार गोंय महाराष्ट्रांत घालचेली आनी मराठी गोंयची राज्यभास करचेली चळवळ सुरू जाल्ली. फाटल्या भाशणांचो अणभव आसलेल्यान हे चळवळींत वांटो घेवन तो मराठीचो वक्तो म्हूण गांवां गांवांनी जाहीर सभांनीं भाशणां करूंक लागलो. हणजूणच्या हॉटेलाकडे मात ताणें दुर्लक्ष केलें ना. थंय ताची प्राप्ती दिसान दीस वाडत गेली.

गोंयांत जेन्ना मराठीची आनी महाराष्ट्राची चळवळ उग्र जाली तेन्ना शांत्यानूय तांतूत व्हड प्रमाणार वांटो घेंवक सुरवात केली. थंय ताचे व्हड व्हड लोकांकडे संबंद आयले. फुडें मंत्र्यांकडे संबंद आयले. हाका लागून ताचो समाजांत मान अदिकूच वाडलो. बेळगांवां राविल्ल्यान आनी मराठी उलयतल्यां मजगती वावुरलेल्यान ताची मराठी उलोवचेली पद्धत खूप आकर्शक आनी आक्रमक जाल्ली. "गोवा महाराष्ट्रांत विलीन झालाच पाहिजे, गोव्याची भाशा मराठीच आहे" ही बेळगांवच्या "झालाच पाहिजे"चीच फुडली भावृत्ती आसली.

साळगांव ते बेळगांव आनी परतून बेळगांव ते साळगांव हो शांतारामाचे जिणेचो पूर्वरंगाचो म्हत्वाचो अध्याय आसा. ह्या प्रवासांत बार्रार जें ताणें हॉल्त घेतलें तें चड म्हत्वाचें आसा. आतां तो आपल्या

मराठीवादी भाशणांनी कोंकणी ही बार्राची भाशा आहे आणि मराठी मंदिराची भाशा आहे अशें सोबीत सुंदर वाक्य उलोवन वता तेन्ना ताका तें आदलें बार्र येवजता आनी मनांतल्या मनांत खातकुतल्यो जातात. मराठी मंदिराची भाशा आहे अशें सोवळो जावन सांगतना हद्दीवेल्या प्रवासांत देव जेन्ना मंदिरांत मराठी कीर्तन आयकतालो तेन्ना देवळाच्या चौकार आश्रय घेवन आनी मागीर पोलिस चौकी चुकोवन आपणें व्यापारांत फुडली हद्द कशी गांठली ताचें ताका आदले वेळचें गोड स्मरण जाता. मराठीवादी भक्त जेन्ना ह्या वाक्याक ताळी दितात तेन्ना ह्या पूर्वस्मरणान ताचीय ब्रह्मानंदीं ताळी लागता.

शांतारामाचें शिक्षण अल्प आसलें तरी ताचे मराठीचें वाचन अगाध आशिल्ल्यान तें ज्ञान ताका मराठी चळवळींत आनी मराठी भाशणांनीं खूप उपकारा पडलें. सीमेवेल्या आतिक्रमणाचो आनी सीमेर केल्ल्या भ्रमणाचो अणभवूय ताका मराठी भाशणांनी आक्रमक भाशा उच्चारूंक स्फूर्त दिवपी थारलो.

शांत्यान बेळगांवां आसतना हद्दीवेलो धंदो साबांळून संयुक्तपणान संयुक्त महाराष्ट्राचे चळवळींत वांटो घेतलो तसोच गोंयांत येतकूच हणजुणचें हॉटेल तशेच तरातराचे धंदे सांबाळून विलिनीकरणाचे चळवळींत तो तल्लीन जालो.

विलिनीकरणाचे चळवळीच्या ऐन भरतीच्या वेळार शांतारामाच्या भाशणांक गर्दी जाताली. ताच्या मराठी भाशणानी "इंच इंच लढवूं"चो आवेश आसलो, ज्ञानबा-तुकारामाचो गजर आसलो, शिवाजीचो पराक्रम गाजतालो. हणजूणचे वादळ-वारें आसलें तर हद्दीवेली आर-पार लडाई आसली. मराठी सरस्पत जिबेर नाचताली तर आयती धनलक्ष्मी भाशणांक कैफ हाडटाली.

गोंयांत महाराष्ट्रवादी चळवळ जेन्ना ऐन रंगार आयली तेन्ना शांत्याक प्रमुख वक्तो म्हूण पेडणे ते काणकोण मेरेन सतत मागणी येताली. तेन्नाची ताचीं भाशणां खूप गाजल्यांत. काव्यात्मकूय जाल्यांत. तुकाराम, रामदास, ज्ञानेश्वर आदी संतांच्या साहित्याचें ताणे आदीं

केल्लें भरमसाट वाचन ताका ह्या भाशणांनी उपकारा पडलां. ताणे त्या त्या वेळार गरजेपुरती कांय स्वतंत्र काव्यरचना करून पसून तें काव्य भाशणांनी मांडून आपल्या भाशणांक खेरीत तेज हाडलां. सभेंत तो उलोवंक लागलो तसो मराठी ताच्या आंगांत संचार करून थयथय नाचूंक लागताली. शांत्यान मराठीची सिंहगर्जना केल्या बराबर सभा तटस्थ जाताली. तो केन्ना-केन्ना मराठीचो शींव जातालो तर केन्ना केन्ना वागाचें रूप धारण करतालो. माय मराठी खातीर हात-पाय बडयतालो तर कोंकणीचेर गाळींचो शिंवोर करून तिका माड्डिलेवरी नाचतालो तेच परी शांत्याच्या मराठी भाशणाची एक खासीयत म्हळ्यार तो आपल्या भाशणांनीं केन्ना-केन्ना स्वता रचिल्ल्यो काव्य पंगती रंगयतालो,

पेडणे ते काणकोणा असो गोंयांत मराठीचो प्रचार गोंयच्या कोनशा-कोनशांनीं, गांवां-गांवांनीं आनी शारा-शारांनीं करतना शांत्यान प्रचार सभांनीं केल्ल्यो कांय काव्य गर्जना तोखेवपा सारक्यो आसात. काणकोणा गांवदोंगरेर एके प्रचारसभेत ताणें मराठीच्या शत्रूंक आव्हान दिवचे भाशेंत विचारलें:

मराठिचिया पाईका वक्र पाहे
असा कोण ह्या काणकोणांत आहे

केप्यां तिळामळार शेतांतले एके प्रचंड प्रचारसभेंत झेतान शिवाजी शेतांत उबो अशा थाटान उबो रावन शांत्यान सभेक हुकूम केलो:

शिरपेंच सोबतसे गोमंतकांत हें केपें
फेकून द्या तें हेंगाडी कोंकणीचें चेपें

मठग्रामांत वतकूच शांतो मठाधीशाभशेन उलोवपी. थंय एका भवनांत केल्ल्या एका प्रवचनांत तो दिव्यदूश्टीन सांगून गेलो:

शांताराम पाहे दिव्यदृश्टी
गोमंतकाची भाशा मराठी

तिसवाडयेंत व्हडल्या गोंयां आदले कदंब राजधानी सामकार रेदोंदांत म्हळ्यार आदल्या कदंबांच्या राजांगणांत आंगांत वीरश्री

संचारलेल्यान शांत्यान कोंकणीक गळो दामून मारचेल्या आवेशांत म्हळें

तिसवाडी असे ही राजधानी थोर साची
आवळा हो नरडी त्या अडाणी कोंकणीची

सत्तरेंत राण्यांच्या गांवांत पावतकूच राण्यांच्या म्हान कार्याचो गौरव करून ताणें राण्यांच्या मराठीभक्तीबद्दल थोड्याच उतरांनी सांगलें तें अशें :

सत्तरीचा प्रतापी असे सिंह राणा
मराठी असे हो तयाचा बहाणा

खरें म्हळ्यार शांत्याक हांगा 'तयाचा बाणा' म्हणचें आसले. पूण ह्या काव्यांत "बहाणा" हें उतर सारकें ठाकठीक बसतालें. तरी ताच्या काव्य-पंगतींत हें चुकून वापरलेले उतर पसून मुदयेर थीक कशें सोबतालें. शांतो चुकत जाल्यार पसून ताचे ते चुकींत गर्भित अर्थ दिसूंक लागता. म्हान वक्त्याक कितेंय सोबता म्हणटात ते अशें.

गोंयांत मराठीची चळवळ जांव महाराष्ट्रवादाची चळवळ आतां तितली तीव्र ना. तरी आसतना वेळ प्रसंग येतकूच तिचो अवसर येता. चडशे वक्ते आदी तापताले ते बरेच निवळ्ळ्यात. शांतो तितलो निवळूंना जायत पूण सुखावला. कळंगुट-हणजूण वेळेर तसो तो संवसारांतल्या कितल्याशाच भाशांचे मिसळ संगीत आयकत आसता. थंय देशी-विदेशी तसोच हिप्पी जनसमुदायांत तो वावुरता. थंय ताणे अर्थप्राप्तीचे तरातराचे उत्के आनी गुपीत मार्ग सोदून काडून तांतूत तो बरोच रमला. एका स्टार हॉटेलाचोय तो म्हत्वाचो जोडीदार आसा, हेर जोडूय जायत आसता. तरी आसतना वेळा-प्रसंगार केन्नाय चळवळ उप्रासली, जांव खंय खंय मराठीची सम्मेलनां जालीं जाल्यार वेळेवेल्या धंद्यांतल्यान वेळ काडून तो मायमराठीचे सेवेक धांवून वता. ह्या सभांनी आनी सम्मेलनानी जेन्ना मराठी संबंदान थाराव मांडटात तेन्ना थंय शांतोय एक मराठीचो प्रमुख वक्तो म्हूण हाजीर आसता. धर्मिक कार्यानीं ज्ञानेश्वरीचेर प्रवचन करपाइतली ताची मराठीची तांक आतां वाडिल्ली आसा. देहानूय ताचो घेर आतां बरोच वाडिल्ल्यान मराठी भाशेच्या दिंडी-पालख्यांनीं सोबा-यात्रां वेळार मुंडाशें बांदून गजर करतना तो सगळ्यांमदें उठून

दिसता. ताच्या मुखावेल्या तेजाक पसून एके तरेचें प्रमुखपण आसा. पूण शांतो खरो सोबता तो ह्या मराठी सम्मेलनानीं तो प्रमुख वक्तो म्हूण उलयता आसतना.

साळगांवचो शांतो मराठीचो प्रमुख वक्तो म्हूण सदांकाळ सगळ्यांच्या स्मरणांत उरतलो हे विशीं संशय ना.

◆ ◆

मराठी येता घरा

राणू मराठीवादांतले एक सवंग आसा. धवंग मात न्हय. राणू प्रामाणीक मराठीवादी, धवंगी मराठीवादी न्हय.

मराठीवादाचेर राणून खूप चिंतन केलां. ह्या चिंतनातल्यान ताका एक सूत्र सांपडलां तें म्हळ्यार गोंयांत जर मराठीन आनी मराठीवादान मूळ धरूंक जाय तर मराठीच्या दरेक कुळान घरांत आनी घराभायर मराठीच उलोवंक जाय. हाची सुरवात ताणें स्वतापसून करचो प्रामाणीक प्रयत्न केला. लोका सांगे मराठी, आपण मात्र इंग्रजी अशें आपले बद्दल तरी घडूंक दिंवक ना.

राणूचें मराठी शिकप तात्पुरतें तरी ताणें मराठी पुस्तकां आनी चड करून मराठी वर्तमानपत्रां वाचून मराठी खुप कमयल्या. आपले मराठींत गडगंज उतरां घालीत जाल्यार ती शुद्ध मराठी आनी सादी सोपी कोकणी ही हेंगाडी बोली अशें त्रैराशीक ताणें मांडलां. प्रमाण मराठी उलोवपी कोकणी उलोवप्या परस प्रामाणीक अशें ताका दिसता. मराठी इतिहासाचोय तो व्हड अभिमानी. मराठी इतिहासीक नाटकांतलीं उतरांय तो आपल्या उलोवपांत वापरता.

राणूचे घरकान्नीचें नांव येसू. तिका आतां तो येसूबाई म्हणूंक लागला. पयल्याच दिसा राणून मराठी दिमाखान घरांत हाडली तेन्ना येसूक आपल्या घोवाक कितें घडलां तें कळ्ळेंना. तिचें तात्काळ मत ताका पिशें लागलां अशें जालें. राणू एकसारको घरांत मराठी उलोंवक लागलो तेन्ना मात राणूक मराठी माथ्याक मारल्या हें तिका कळून आयलें. "आज पासून सर्वांनींच मराठीच बोललें पाहिजे" असो ताणे हुकूम सोडलो.

मागीर राणून मूळ नांवां सुदारून मराठी केलीं. स्वताचें राणूचें राणोजी आनी येसूचें येसूबाई अशें नांवांचे शुद्धीकरण केलें. ताका एकूच पूत ताचें नांव रामनाथ. ताकाय केन्ना केन्ना रामराजे म्हणूंक लागलो.

इतलोय प्रयत्न करून राणोजीचे मराठीक कोंकणीचो वास आसा. कोंकणी स्वरान तो मराठी उलयता. मांडणी मराठी जाल्यार धाटणी कोंकणी. बात मराठी जाल्यार थाट कोंकणी. तरी आसतना तो आपलो आत्मस्वर मराठी म्हणटा. आत्मस्वर हें उतर ताणें मराठीवाद्यांचें सभेंत भाशणांनी वापरलेलें आयकलां आनी तें ताका बरें लागलां.

मराठी तासूंक लागिल्ल्याक कांय खास उतरां राणूचे आवडीचीं जाल्यांत आनी तीं मेळत थंय तो वापरीत आसता. ल्हान सान कसल्याय वादाक संघर्श म्हणटा. झगड्यांक तो खडाजंगी म्हणटा. कडाडून विरोध, तर्कदुश्ट विधान, घणाघाती हल्ला, असलीं उतरां ताच्या मराठी उलोवपांत खणखणाट करतात. राणू सहसा कोणाक हात लावपी न्हय पूण आतां जायते पावट तो 'त्याला खेचून काडला पायजे' म्हणटा. घरांत मात्सो आयदनांचो आवाज जाल्यार ताका आदळ-आपट म्हणटा. रामनाथाक "आवयक आपय" अशें सांगचे बदला "माऊलीला बोलव" म्हुण सांगता. राणून घराचे दार उगडल्या बराबर मराठी इतिहासीक नाटकाचो पडदो उगडल्याचो भास जाता.

राणू घरांत ही घणाघाती मराठी जितली उलयता तितली घराभायर उलोंवक वचना. घराभायर ताची मराठी भास इल्ली नरम पडटा. ती चड व्हांवत जाल्यार थट्टा जावचेलो संशय आसता. ताचे भाशेंत पालखी, दिंडी, यात्रा हीं उतरां आदीं चड आनी खंयंच्या खंयूंय येतालीं. पूण ताचे कांय तर्कदुश्ट इश्ट ताची फकाणां करूंक लागले. नुस्तें हाडूंक बाजारांत वतना "काय राणोजी, मासळी जात्रेला जातोस काय?" अशें पसून विचारूंक लागले. आतां राणू वेळ-प्रसंग फावसो आसल्यारूचं व्हडलीं मराठी उतरां वापरता. ताची भर मागीर घरांत येवन तो करता. घरांत ताची फकाणां करची कोणाची छाती ना. राणू मराठीकडे प्रामाणीक आसा म्हूण तिचेखातीर कितल्योय खस्ती काडूंक तयार आसता. तो मराठीची कास जांव मराठीचो ध्यास सोडचेलो ना.

राजकारणी आनी वरकरणी मराठीवादी वेळ-प्रसंग पळोवन, दिंडी-पालखी जांव यात्रेचो योग सादून मराठी माथ्यार घेवन नाचतात हे प्रसंग सोडले जाल्यार ओंठार मराठी हाडचो ते व्हडलोसो ध्यास घेवन

बसनात. राणू मात मराठीची नित्याची पूजा करीत मराठी नित्य उलोवचेले त्रास काडटा.

आपल्या पुतान शुद्ध मराठी व्हड प्रमाणार शिकची आनी माध्यमीक आनी ताचेय वेल्या स्तरार ताणें मराठी शिक्षण घेवचें अशी राणूची इत्सा आसली. पूण पुतान ताका बुद्द शिकयली. चवथी मेरेन मराठी शिक्षण घेतकूच रामनाथान बापायचे इत्से आड इंग्लीश स्कुलांत आपलें नांव घालें. माध्यमीक शिक्षण जावन आतां तो आय. टी. आय. शिकता. ताका मराठीचें व्हडलेशे पडलेलें ना. मराठीवादान आपल्या बापायची महादशा कितें घडल्या ती ताणें लागसून पळेल्या. मराठी परस इंग्लीशीक तो अदीक म्हत्व दिंवक लागला. ताणें एक सुणो पोसला ताका पसून ताणें के.जी. सावन इंग्लीश शिकयला. त्या सुण्याक मराठी समजना. तरी आसतना राणू ताका मराठी शिकोवचेलो प्रयत्न करता. "कम हियर" म्हणचे बदला "इथें ये" म्हणटा. सुण्याचो गैरसमज जाता ताका तीं उतरां "इट" म्हणिल्लें भाशेन दिसता आनी राणूच्या म्हऱ्यांत येवन ताच्या हातांत खावंक कांयच दिसना जातकूच ताचीं बोटांच चाबचेलो प्रयत्न करता. मराठीक तो ढुंकुनूय पळेना आनी भुंकुनूय पळेना. हें पळोवन राणूक वायट दिसता. मराठी कळना हो त्या सुण्याचो एकूच दुर्गुण पूण ताचे हेर गूण ताका मानवतात आनी ताची अपुर्बायूय तो करता. शीत-कडये बदला तो ताका श्रींखंड-पुरी पसून खावोवपी. सुण्याक केन्ना केन्नाय खास मराठी शिवराक खाद्य दिवचें राणूच्या मनांत येता. एक पावट राणून ताका म्हऱ्यांत ओडून "श्रीखंड पाहिजे काय?" म्हूण विचारलें. त्या बराबर सुण्यान आपलो दोको उबारून राणूच्या हातांत दिलो. ताका श्रीखंड हें ' शेक हँड' कशें दिसलें.

राणून मराठी कमयल्या पूण मराठीवादाच्या कुस्तार धन कमोवंक ना जांव सत्तेचें राजकारणूय ताका आफडूंक ना. एका मेळाव्यांत मराठी, दुसऱ्या मेळाव्यांत कोंकणी असलींय नाडेपेन्नां ताणें करूंक ना. मराठीवेले ताचे निष्ठेंत कसलीच भेसळ ना. ताका मराठीची खरी तळमळ लागल्या.

घरा लागसरूच राणूचो पसरो आसा. थंयचे कमायेचेरूच ताणे

आयजवेर आपलो चरितार्थ चलयला. हेर आलायतें उत्पन्न ताका ना. ताचो मराठीचो व्याप व्हड पूण हेर व्याप तसो ल्हानूच आसा. पसरो ताका चरितार्थाक आनी थोडो भोव चकाटांकूय उपकरता. ताचे कांय खास मराठीवादी इश्ट पसऱ्यार येतकूच तो तांचे वांगडा मराठी उलोवचेलो नेम पाळटा. पूण कोंकणींत जसो चकाटांक नेट येता तसो मराठींत येना. गोंयकारांची चकाटांची भास कोंकणी आनी तर्कटांची भास मराठी म्हूण अशें घडटा आसत. चकाटांक आडखळ येता तरी आसतना राणू मराठीक अंतर दिना. संद मेळत तशी पसऱ्यार मराठी कातरता.

राणूची घरांतली मराठी आनी पसऱ्यावेली मराठी हांतूंत अंतर पडटा. घरांत ताचे मराठीक वर्चस्व गाजोंवक मेळटा तितलें पसऱ्यार मेळना. "खबरदार, चूप" असलीं उतरां घरांत जशीं चलतात तशीं पसऱ्यार चलनात. घरांत बायलेचेर मराठी थापप सोपें, गिरायकांकडे वाद, मराठीवाद चड करूं नज. संद पळोवनूच मराठी पसऱ्यार मांडची पडटा. पसऱ्यार गिरायकूय तरातराचें. कोंकणे, क्रिस्तांव, कोंकण्यातूंय कोकणीवादी आनी मराठीवादी. थोड्यांच्या पोटांत मराठी, ओंठार कोंकणी. कांय जाणाच्या पोटांत कोंकणी, ओंठार मराठी कांय जाणांच्या तर काळजांत कोकणी, तकलेंत मराठी आनी ओंठार इंग्लीश. तेच परी पसऱ्यार गिरायकांमदें भायल्यान गोंयांत आयिल्लो कामगार वर्गूय आसा. तो वर्ग चडसो दक्षिण भारतांतलो. मराठीचो स्वर्ग तांचेपसून खूप पयस आसता. तांका एक वेळ कोंकणी येत पूण मराठी येना. गोंयांत येवन कोंकणी बदला ते इल्लीशी मराठी उलोवंक लागलेले जाल्यार कितलें बरें जातलें आसलें अशें राणूक दिसता. स्वर्गापसून ते बरेच दक्षिणेक उरतात हाचें ताका वायट दिसता.

राणूसारको निश्ठावान मराठीवादी गोंयचे मराठीक मेळ्ळा ही खरीच बऱ्याची गजाल. ताचो मराठीचो मोग नकली न्हय. मराठीचो ताका खरो मोग आनी मराठीच गोंयकारांचें बरें करतली असो ताका विस्वास आसा. कोंकणी हेंगाडी भास आनी ती जितली आमी लिपयत आनी मराठी आमची मातृभाशा म्हूण संवसारामुखार नाचयत तितलो आमका संवसारांत मान मेळटलो असो ताचो भावार्थ आसा.

राणू जितो आसासर तरी गोंयांत मराठीवाद तिगून उरूं आनी गोंयांत मराठीचें अंतीम जैत आसा ह्याच विस्वासान ताचे अखेरचे दीस सरूं अशें मागुया.

◆◆

फ्रेमकविता

प्रेम हो विशय सगळ्यांचे आवडीचो. तांतले तांतूंत कवीचो चड रूचीचो. खंयूय हय-न्हयशें प्रेम दिसल्याबराबर ताका स्फुरण चडटा. ताका तो प्रतिभा म्हणटा. ते प्रतिभेच्या भरार तो भराभर कविता रचता. तांतूत प्रेमाचें प्रमाण कितलें, अर्क कितलो आनी तर्क-कुतर्क कितलो तें कळूंक कठीण.

हालींसराक प्रेम हो जिनस तितलोचो शुद्ध मेळूंक कठीण. बाजारांत मेळटा पूण तांतूंत भेसळ खूप आसता. कवीकूय अस्सल प्रेमकविता रचूंक कठीण पडटा. ताच्यो प्रेमकविताय चडशो नकली जातात. आदलेवरीं लांब-रूंद आनी खोल प्रेमकविता बरोवप आयच्या वातावरणांत कठीण आसा. मागीर कवी ल्हानशोच चार-पांच, पांच-स ओळींच्यो कविता बरयता. त्यो तोखेता आनी आपले भितर मुरगुट्टा. स्वताक 'जिनियस' समजून आपणें तयार केल्लो जिनस असामान्य अशें समजून तांका आगळीं-वेगळीं नांवां दिता. कविता ल्हानूच आसलेल्यान तांका चारोळ्यो, आरोळ्यो, साळोऱ्यो असलीं नांवां दिता.

असलीं नाडेपेन्नां करचे परस कवीनीं जर आपलीं पेनां पिशोलावरीं वापरून फ्रेम कविता बरयल्यो जाल्यार त्यो आकर्शक आनी फ्रेमींत घालपासारक्यो जांव येतात.

प्रेमकवितेंत समस्या खूप आसतात तशो फ्रेमकवितेंत नासतात. एका हातान ताळी वाजना तशें एका काळजान प्रेम गाजना. प्रेम परावलंबी आसता. प्रेमपात्र जर लटकें जांव फुटकें आसत तर प्रेम बेसूर जाता आनी प्रेमकविता भेसूर जाता. प्रेमकवितेची आनीक एक समस्या म्हळ्यार जांचे प्रेम सफळ जालें ते प्रेमकविता बरोवप निर्फळ समजतात. जांच्या हातांक प्रेमाचें फळ लागलेंना तांचेच हात चडशे प्रेमकविता बरोवंक फुरफुरतात.

फ्रेमकवितेक खंयचोय विशय चलता. प्रेमूय चलता आनी प्रेम

नासल्यारूय चलता. फ्रेमकविता फ्रेमींत सोबूंक जाय. ल्हान तितली ती म्हान आसता. बुद्द सुमारूच आसल्यार चलता. बेसुमारुय आसल्यार चलता. जण एकल्याच्या "फ्रेम ऑफ माइंड" प्रमाण फ्रेमकविता जावपाची. फ्रेमकविता कवीसंमेलनांत वाचुंकूच जाय अशें ना. फ्रेमींच्या प्रदर्शनांत सोबल्यार पुरो.

फ्रेमकविता पुस्तकांनी सोबूं ना सोबूं. पांयजेलांनीं सोबूंक जाय. विणलेली वेल, भरलेलीं फुलां, तशी ही पांयजेलाचे फ्रेमीमदें चित्र कशी सोबपी फ्रेमकविता. ह्या कवितांचे चित्र दोळ्याफुडें येवंक कांय फ्रेमकविता देखीक दिंव येतात.

प्रजासत्ताक राज्याचो गौरव करपी फ्रेमकविता :

आयज आयलें राज्य तुमचें
आयलें तुमचें राज्य
प्रजेक लायली पेजेक तुमी
आयलें तुमचें राज्य

हेच कवितेंत इल्लो बदल करून रामराज्याचें वर्णन करूं येता :

आयज आयलें राज्य तुमचें
आयलें तुमचें राज्य
रामाक लायलो पुजेक तुमी
आयलें तुमचें राज्य

राजकर्त्यांक रामराज्य हाडूंक एके फ्रेमकवितेंत केल्लो हो दासबोध :

दंवार पिकोवचें, कुंड्यार शिजोवचें
पक्ष अमकोच धरचो न्हय
सादतासर सादयत रावचें
तत्व खंयचेंच धरचें न्हय

मतां दिवपाचें पवित्र कर्तव्य करूंक रांक लायिल्या नागरिकांचें अंतस्थ मत :

आतां दिवया मतां आमी
शिक्को मारूया धांपून दोळे

कोणूय येंव सत्तेर बावडो
घालूंक घराक भांगरा नळे

(टीप : जंय इलेक्ट्रोनिक मशिनां वापरतात थंय "मारुया शिक्को" बदला "दामुया बटण" अशी दुरूस्ती करूं येता. कडेक मशिनाचें नक्षीदार चित्र काडूं येता. पांयजेल अदीक बरें सोबतलें)

राजकारणाचेर जशें फ्रेमकाव्य फ्रेमींत बसोंव येता, तेच परी प्रेमप्रकरणांचेरूय फ्रेमकाव्य बरे तरेन फ्रेमींत सोबोंव येता. हें काव्य सामान्य जनतेच्या प्रेमाक लागीं आसल्यार अदीक आकर्शक जाता. व्हड कवींचो चडसो वेळ बेकारपणांत गेल्यान तांच्या प्रेमकाव्यांत चंद्रांचो, नखेत्रांचो, तसोच फुलांचो, फुलपाखरांचो असो निसर्गाचो चड उल्लेख येता. सामान्य जनांच्या प्रेमांत नित्याच्या वेव्हाराचो चड संबंद येता. वयर नदर लावन नखेत्रांकडे पळोवपाक तांका सवड नासता. दीस भर वावरून सांजचो मटको लायतल्याचें फ्रेमकाव्य देखीक घेंव येता:

फातराकूय पाझर फुटलो
तुज्या काळजाकूय पाझर फुट्टलो
जेन्ना तो फुट्टलो तेन्ना
मटक्याकूय पांच-झॅर फुट्टलो

स्त्री सशक्तिकरणाच्या जमान्यांतली स्त्री आदल्या जमान्यांतले स्त्रीपरस कणखर, बऱ्याक बरी, वायटाक वायट, वेळ पडल्यार अन्याय करतल्याक भाजून खावपी अशी आसूंक जाय. प्रेमकविता बरोवपी कांय नावास्त्या कवींचीं प्रेमपात्रां नाजूक म्हळ्यार अशक्त, पातळ पत्र्याचीं कशीं आसतात. फ्रेमकवितेंतली आतांची स्त्री तशी कमजोर नासता. वेळ पडल्यार शिरजोर जाता. अशीच एक फ्रेमकवितेंतली स्त्री एका फटकिऱ्याक शिटकायता:

मोग दाखोवन फटोंवक म्हाका
दिसलें तुका बरें
मात्सो लागूं दी मासो गरयेक
करता तुजें खारें

मोग एक म्होंवो जिनस. पूण कांय 'जिनियस' कवी तांतूंत

आपल्यो इतल्यो कल्पना कालयतात कीं तें कालवण कितें तेंच समजना. ताची समिक्षा केल्ली एक फ्रेमकविता :

काव्याची तुजी खोल बांय
कवितेक तुज्या बरीच खोलाय
अर्थ काडूंक राजू जाय
पडत कोणूय निसरून पांय

ह्यो कांय फ्रेमकविता देखीक दिल्ल्यो आसात. असल्यो कविता फ्रेम करून प्रदर्शनांत मांडू येता. असल्या कवितांनीं 'फ्रेम ऑफ माइंड' बरी उरता. हांतूंत आर्टूय आसा आनी हार्टूय आसा. कलाय आसा आनी कलाकुसरूय आसा. कळाय आसा आनी कळाशीय आसा. फ्रेमींत घाल्लीं हीं कवनां गोंयच्या नावारस्त्या भवनांनीं प्रदर्शनांक मांडू येतात. काव्य-वाचनाक लोकांक ओडून हाडचे पडटात तशें घडचेंना. एक्झिबिशनाक लोक जमतात तसो जमतलो. 'सेल' आसल्यार खप जातलो. पुस्तकाचे भरे परते व्हरचे पडटात तशें घडचें ना. ह्या प्रदर्शनाच्या समारंभावेळार जर उजवाड येवजण, ध्वनी येवजण, मुज्गा येवजण, आवेदन, निवेदन आनी सूत्रसंचालन हांचे बरें व्यवस्थापन आसत जाल्यार गर्दी जांव येता.

प्रेमकवितांची पायजणां एका वेळार वाजतालीं जायत. पूण हालींचीं कविता-वाचनां पळेल्यार पावलां सारकी तालार पडनात अशें दिसता. आतां फ्रेमकवितांच्या पांयजेलांचीं प्रदर्शनां मांडून पळोंवक जाय. तीं तरी कवितेक सोब हाडटली अशी आस धरुया.

◆◆

उतरांचो बरे वायट दीस

मनशाक बरे वायट दीस येतात तशे उतरांकूय येतात. **"श्री"** हें एक अक्षरी उतर. श्रेष्ठ आनी जेश्ठ. "श्री" ह्या एकाच अक्षरांत लक्ष्मी आसा, श्रीमंती आनी समृद्धी आसा. हें उतर देवाच्या माथ्यावेल्या मुगुटाभशेन सोबता. श्री राम, श्री कृष्ण, श्री शंकर अशें देवांच्या नावांआदीं सोबपी हें उतर. पूण कालांतरान मनशांनी हें उतर उबारलें आनी आपल्या माथ्यार घालें. आतां तें तोपी कशें कोणाच्याय माथ्यार सोबता. श्री. बाबुराव आनी श्री. बाजीराव. श्री. राणो आनी श्री उश्णो. कोणाच्याय नांवा आदीं हें उतर वापरची चाल पडल्या. फुडें फुडें "श्री" क कसले दीस येत सांगू नज. शिरशिरो भरिल्लेवरी काय जाणांनीं ह्या उतराचें 'शिरी' अशें पसून रुपांतर केल्लें आसा.

"जय" हें अशेंच देव-देवतांक जाय-जाय जाल्लें उतर. जय शिव-शंकर, जय अंबे, जय दुर्गे, ह्या जोड उतरांनीं देवांबद्दल एक आदर दिसता, पूण तें हाली मनशांकूच चड जाय जालां. सर्गावेल्यान धुकलून घालून तें धर्तरेर माया-जाळांत सांपडलां शें दिसता. अमुक बाबा की जय, तमुक बुवा की जय, कार्यकर्ता की जय, माता की जय, माया की जय, ममता की जय, ललिता की जय, वनिता की जय, नेता की जय, अशें हें उतर व्हरता थंय वचूंक लागलां. आदी तें फुडें आसलें आतां तें फाटल्यान दसयतात. एक्स्प्रेस गाडयेचें इंजिन काडून खटाऱ्या माल-गाडयेच्या फाटल्यान तेकोवचें तशें तें खंयच्याय मालूक मनशाच्या फाटल्यान पसून तेकोवची चाल पडल्या.

मनशान ठकपणान अशा जायत्या ठोक उतरांची वाट लायल्या आनी तांची दशा काडल्या.

दान हें अशेंच एक म्हान उतर. महारथी कर्णान ह्या उतराक उच्च स्थानार व्हेलें. पूण कांय नादान लोकांनी ताका खालत्या स्थानार हाडलें.

हालीं हालीं तर दानाक स्थानूच ना जालां. उरलां तें अनुदान.

कर्णाचें दान उदार अंतकर्णान दिल्लें आसतालें. हालींची चडशीं अनुदानां अनुदार अंतकर्णान आनी सुवार्थी बुद्दीन दिल्लीं आसतात.

विद्यादानाक आदल्या रूशीनीं एक पवित्र स्थान दिल्लें. हाली तें विचीत्र स्थानार पावलां. ट्युशन फी दिल्याबगर विद्यादान सारकें मेळप कठीण जालां. दान दिवपी आनी दान घेवपी ह्या दोगांयचींय लक्षणां बरीं नात. "ग्र्यांट" हो दानाचो प्रकार तर चडसो "अर्द तुका, अर्द म्हाका" ह्या सदरांत पडटा. ह्या असल्या वेव्हारांक लागून 'दान' ह्या उतराची दीन दशा जाल्ली आसा.

राम हें देवाचे नांव. राम ह्या उतराचो अर्थुच सोबीत आसा आनी उच्चारूंकूय तें सोपें आसा. पूण रथयात्री राजकारण्यांनीं आनी आखाड्यांतल्या संतांनीं हाली ह्या उतराच्यो भोयो-भोयो केल्ल्यो आसात. तळीराम, आयाराम अशा जोड नावांनी तर ह्या उतरांतली गोडीच नाशी करून उडयल्या.

रथ आनी पालखी: देवांनीं संचार करचेलीं हीं वाहनां आतां कोणूय कित्याकूय वापरतात. रथ राजकारण्यांनीं लांबयला तर पालखी साहित्यिकांनीं. राजकारणी लोक रथयात्रा काडटात तर पालखी, दिंडी, पार, हांचो उपयोग साहित्य, भाशा हांची सोबा-यात्रा काडूंक करतात.

मंत्री: ह्या उतराक आदलो मान ना आनी आदलो आदरूय ना. राजकारणाचेर भाशणां दीत असवडीं ताळतंत्र सोडून जाता तितलो आनी मेळत तसो धन-संग्रह करपी आशेखोर असो ह्या उतराच्या अर्थांत बदल जाल्लो आसा. राजकी तंत्रान पैसो लुटचो मंत्र सांपडलेली व्यक्ती अशी ह्या उतराची सर्वसादारण व्याख्या जाल्ली आसा.

दुडू आनी भांगर: अशीं कांय उतरां हेर वाटारांतले भाशेंतल्यान येवन गोंयांत स्थायीक जाल्यांत. स्थानीक उतरांपरस ह्या उतरांक चड मान आसा. धन मागीर तें कशेंय भाशेचें आसूं ताका मान आसता. हीं दोनूय कानडी उतरां पूण ह्या उतरांकडे इतली ओड कीं आपल्या उतरांपरस हीं चड आपलीं दिसतात.

बरोवप हेंय एक कानडी उतर. बरोवपाक आनी बरोवप्याक गोंयांत कितलो मान आसा तें कळूंक कठीण. मान आनी धन आसूं वा

नासूं मानधन सोदपी हें उतर आसा.

जाण्टो हें कोंकणी भाशेंतलें एक खास उतर. कोंकणी संस्कृतायेचें व्हांशेलेपण दाखोवपी उतर. "म्हातारा, बुढ्ढा" अशी उतरां हेर भासांनीं आसात, पूण जाण्टच्यांक हीं उतरां लावप आनी ह्या उतरांनीं तांका वळखप हें कोकणी उलोवपी मनशाक अवघडशें दिसता. हालीं हालीं आमच्या देशांत "जेश्ठ नागरीक" अशें 'सिनियर सिटिझन' वेल्यान घडयल्लें उतर तयार करून ताचो प्रयोग केला. पूण कोंकणींतल्या "जाण्टो" ह्या उतराची सर ताका येना. जाणा जाल्लो आनी संवसारांत चडांत चड काळ वावरून संवसाराचो अदीक अणभव घेतिल्लो तो जाण्टो असो कोंकणी भाशेंत ताचो मान राखला. पूण फुडें फुडें वृद्धाश्रमांक म्हत्व येतकूच जाण्टो ह्या उतराक घरांत आनी एकंदर समाजांत कितलो मान आसतलो हो एक प्रस्न आसा. जाण्टो हें उतर फाटीं पडून वृद्ध हें उतर फुडें सरत असो दुबाव येता. सद्या तरी जाण्टो हें उतर मान आनी अवमान हांचे मजगतीं खंय तरी वावुरता शें दिसता, जाण्टच्यांची जेन्ना अडचणशी दिसतली तेन्ना जाण्टो ह्या उतराचो मान बरोच देंवतलो.

देखीक हीं कांय उतरां दिल्लीं आसात. उतरांक बरे-वायट दीस कशे येतात हेंय दाखोवन दिल्लें आसा.

'**उतर**' हें उतर मात इतलें समर्थ आसा कीं परिस्थिती ताका बदलीना तर तेंच हेर उतरांचे जोडयेन सगळोच संदर्भ बदलता. देखीक, उतर करप, उतर मोडप, उतर आसप, उतर नासप, उतर दिवप, उतर घेवप, उतराक खरो, उतराक फट, आगळें उतर, उणें उतर, उतराक उतर दिवप.

आसूं उतरान उतर वाडटा.

◆ ◆

वाल्मिकी ग्रंथायन

बरोवपी पुस्तकां कित्याक बरयता? आपलीं पुस्तकां खपोंवक जाणात ते वाचप्यांक वाचपाखातीर बरयतात म्हूण सांगतात. जांका आपलीं पुस्तकां खपोवची करामत खबर ना ते स्वताच्या समाधानाखातीर बरयतात म्हूण सांगतात. दोगांयचेंय खरें आसा.

कोंकणी पुस्तकांचो तर फाव तो खप जायना. कोंकणी मनीस हेर जायत्यो भासो जाणा आनी हेर भासांतलीं पुस्तकां वाचतां वाचतां ताका कोंकणी पुस्तक वाचूंक उसरपत मेळना. कोंकणी पुस्तकांची पत तितलीशी ना अशेंय कांय जाण सांगतात. पूण तें तितलें खरें न्हय आनी खंयचोच कोंकणी बरोवपी तें मानूंक तयार जावचो ना. तो ना वाचतल्याकूच दुशण दितलो. पुस्तकां ना खपपाचें श्रय बरयतल्याक आनी वाचतल्याक दोगांयकूय दिवंक जाय. आपल्याक कोंकणी वाचूंक येना अशें स्वताक अतीशिक्षीत समजुपी कोंकणी मनीस अभिमानान सांगता तेन्ना सगळी चूक बरोवप्याची म्हणूं नज. कोकणीचें क्षेत्रूय ल्हान आसा. कोंकणीक अशे तरेन मित्र-बळूय ना आनी क्षेत्र-बळूय ना म्हूण चडशीं कोंकणी पुस्तकां खपनासतना उरतात.

कोंकणी बरोवपी आपल्या पुस्तकांक "डिमांड" ना हें जाणा जावन पसून एक "देमांद" म्हूण पुस्तकां बरयता आनी छापता. अर्थिक नदरेन ताचें नुकसान जाता पूण खरो देंमादिस्त आपलो फायदो पळेना. देमांदाची जशी जशी ताका रूच लागता तसो तसो तो कितलोय खर्च जालो तरी पर्वा करीना. स्वता अणभवल्याबगर हें कोणाक कळचेलें ना.

अपुर्बायेचीं एक दोन पुस्तकां जल्माक घालून जे बरोवपी ओगी बसतात तांका ह्या देमांदाची रूच कळना. पूण ताळ-तंत्र सोडून जे पुस्तकां बरयतात आनी छापतात तांका ह्या देमांदाचें तत्व आनी सत्व कळटा. तेम करपी आनी प्रेम करपी चडशे सारकेच आसतात.

पुस्तकां छापून तांचे भरे खपनासतना पडून उरले जाल्यार तांचे कितें करचें तें कळना. अशा वेळार वाळटी साह्याक धांवून येतात.

वाळटी इतलो पुस्तकांचो आस्वाद घेवपी दुसरो रसिक ना. सर्वसामान्य वाचप्यापरस वाळटींची अभिरूची उच्च दर्जाची आसता.

वाळटी नासलेल्यो जाल्यार पडून उरिल्ल्या पुस्तकांचे दाळ किते करचे हें बरोवप्याक समजुंचें नासलें. खपनासतना उरिल्ल्या पुस्तकांचे हाल ताच्यान पळोंव नज जावपाचे. आपणें बरयल्ल्या पुस्तकांची दखल संवसारांत कोणेच घेतलीना हाची खंत ताका जावपाची. आपणें जल्माक घाल्ल्या पुस्तकांचे भरे ताका व्हड भार जावपाचे. हातूंतल्यान मुक्ती दितात त्यो म्हळ्यार वाळटी.

वाळटींचें ग्रंथांकडे पूर्वापार पवित्र नातें आसा. संस्कृत भाशेंत वाळटींक वल्मीक म्हणटात तर रामायण बरोवपी रूशीय वाल्मीकूच आसा. वाळटी रामभक्त आसात तेच परी तांका शारदेचोय आशिर्वाद आसा. पुस्तकांची रूच घेवपी वाळटी इतलो दुसरो ना. वाळटी धव्यो फुल्ल श्वेतवर्णी आसतात. वाळटींच्या गोरेपणाक लागून गोरे इंग्लीश लोक तिका गोरी मूय म्हूण वळखतात. जंय गोरी मूंय जल्म घेता ती भूंय गौरव प्राप्त करता. पुस्तकांचो आस्वाद घेवन ही गोरी तृप्त आसता आनी बरोवप्याक तापत्रयांतल्यान मुक्त करता.

जगार पातकांचो भार अति जाता तेन्ना देव जल्म घेता आनी खंयच्याय जाग्यार पुस्तकांचे भरे चड जातात तेन्ना वाळटी जल्म घेतात. वाळटींचे पुस्तकांचे मायेंत ओलसाण आसता. जंय ओलसाण आसता थंय त्यो रोखडच्योच धांवून येतात. माया आसली तरीं संवसाराचो सार तीं विसरनात. संवसार इतलो सोबीत दिसलो तरी तो मिथ्या आसा तेचपरी पुस्तकां बरोवप्याचें बरोवप कितलेंय सोबीत दिसलें तरीं तें मिथ्या आसा हो बोध तीं आमका दितात.

वाळटी सुसंस्कृत, ग्रंथप्रेमी आसात तशोच त्यो उच्च अभिरूचीच्यो समिक्षकूय आसात. वाळटी पुस्तकांची समिक्षा निष्ठेन आनी कसलीच जायरात करीनासतना करतात. कांय समिक्षकांची समिक्षा आपलेच समिक्षेची जायरात करचेखातीर आसता. पुस्तकांत कितें आसा ताची उपेक्षा करून जड जड उतरांनी आपली समिक्षा रंगोवन आपले समिक्षेची जायरात करतात. तांतूंत पुस्तकाच्या अंतरंगाचें दर्शन

थोडें आनी समिक्षेचें प्रदर्शन चड आसता. वाळटी मात पुस्तकांचें समिक्षण अंतरंगांत वचून करतात. पुस्तकां उस्तून पळेल्या उपरांतूच वाळटीनीं भितरल्या भितर पुस्तकांची कितल्या विस्तारान आनी खोलायेन समिक्षा केल्या तें कळून येता. गोऱ्या-गोमटया वाळटींच्यो पुस्तकांची समिक्षा करूंक लागिल्ल्यो रांगो पळोवन अपुर्बाय दिसता. पुस्तकांचो रूचीन आस्वाद घेवन ताणीं केल्ली समिक्षा तोखणायेची दिसता. तेच परी पुस्तकांचो आस्वाद घेवपी तांची गती पळोवन अजाप दिसूंक लागता.

वाळटी पुस्तकांचो आस्वाद समुदायान घेतात. तांचो जीव ल्हान पूण संघशक्ती आकांताची आसता. मनशान एकठांय येवन खावपाची सहभोजनाची कल्पना तांचे वेल्यानूच घेतल्या जांवक जाय. मनशाची मूळ प्रवृत्ती एकल्या-दुकल्यान खावपाची. मुयो, वाळटी, कावळे असल्या सहकारी तत्वाचेर चलतल्यांकडल्यान ताणें सहकाराची आनी सहभोजनाची कल्पना घेतली. ताचे वेल्यानूच ताका सहकारी संस्थांचो साक्षात्कार जाला जातलो. सरकारी सस्थांनीय सहकारांतल्यान सहभोजनाची कल्पना वाळटी सारख्या ल्हान जिवांकडल्यान घेतल्या आसतली. सहकाराची येवजण म्हळ्यार "मेळून खावया" जांव "तुमीय खायात आनी आमकाय दियात" हे वाळटीवेल्यान सुचिल्ले कल्पनेचें मनशान केल्लें उदात्तीकरण म्हणूंक जाय.

धव्यो फुल्ल वाळटी साध्वी श्वेतांबरा सोबतात. तांचे ग्रंथप्रेम पराकोटीचें आसता. सती सारक्यो त्यो पुस्तकांवांगडा अग्नीप्रवेश करतात. सतीची प्रथा ही धर्माभिमानी लोकांक वाळटी लागिल्लीं पुस्तकाउज्यांत घालतना सुचली असो अदमास करूं येता. पुस्तकां वांगडा तीं उज्यांत घालून घेतात तेन्ना मन चर्र जाता. तरी तांचो अभिमान दिसूंक लागता. पुस्तकप्रेम आसचें जाल्यार अशें आसचें अशें दिसूंक लागता. वाळटींचे पुस्तकप्रेम पळोवन देवान तांका एकामेकाखातीर जल्माक घाल्यात अशें दिसूंक लागता.

◆ ◆

कृष्ण जन्मभूमी

धर्म जन्ना जेन्ना विट्टलो तेन्ना ताका परतें तेज हाडूंक आपूण युगा युगांत परतो जल्म घेतलो अशें हजारांनीं वर्सां पयलीं भगवान श्रीकृष्ण सांगून गेला.

सद्याच्या युगांत तो गोमंतक भुमींत खंय तरी जल्म घेता हाचे स्पश्ट संकेत मेळूंक लागल्यात.

कीट्ट काळोख पडल्या उपरांत धर्तरेर सुर्याचो उदय जावन उजवाड जाता तेच परी गोंयांत धर्मकृत्यांचो काळोख पडिल्लो तो आतां भजना, किर्तनां, पालखी, दिंडी, रथयात्रा, यज्ञ-याग हांचो सुकाळ जावन फांतोड जांवक लागल्या. गोमंतक भुमीक कृष्णजन्माचे दुवाळेच लागल्यात असो तर्क करूं येता.

अयोध्या, मथुरा ह्या पवित्र थळांनी परतो ह्या युगांत तरी देव जल्म घेतसो दिसना. थंय रामाच्या आदल्या जन्मभुमीचो प्रस्न सद्या न्यायालयांत आसा. आनी तो प्रस्न ह्या युगांत सुटत सो दिसना. दुसरे कारण म्हळ्यार देव परतो परतो एकाच जाग्यार जन्म घेना अशें धर्मग्रंथ, पुराण आनी इतिहास सांगता.

गोंय ही देवभूमी आसा अशें गोंयचे इतिहासकार सांगता. देव येवन हांगा पर्यटक कशे रावल्या जायत पूण देवान आदीं केन्ना हांगा जल्म घेतला हें मात खंयच्याच इतिहासकारान सिद्ध करूंक ना. कामाक्षी आसामच्यान, चामुंडा म्हैसुरांतल्यान, रामनाथ रामेश्वरमच्यान अशे देव वाऱ्याक येवन रावतात तशे हांगा येवन रावल्यात.

देवान आदीं हांगा जल्म घेवना म्हूण ह्या युगांत तरी गोमंतक पुण्यभुमींत जल्म घेवचो अशें देवाक दिसलें जाल्यार अजाप ना. देवस्पणाचें तशें वातावरण आनी पर्यावरण गोमंतकांत निर्माण जाल्लें आसा आनी होच वेळ देवाक हांगा जल्म घेवंक योग्य आसा.

बारदेस म्हळ्यार बाह्यदेश आनी अंत्रूज म्हळ्यार अंतर्देश अशें गोंयचे नावास्ते इतिहासकार सांगतात. कांदोळे, कळंगुटे, हणजुणा,

वागातर ह्या बाह्यदेशांत जगावेले साधुभेसांतले लोक येवन हरे राम, हरे कृष्णाचो गजर घालतात पूण कृष्ण आपल्या जल्माक बारदेसचो प्रदेश वेंचून काडीत सो दिसना, कित्याक ते सोवळें नेसले ना नेसले तरी ते विदेशी आसात आनी देवाक स्वदेशी सोवळे जाय तें अंतर्देशात म्हळ्यार अंत्रुजेतूंच जंय-थंय सांपडटा. साश्टी, तिसवाडयेचो प्रस्नूच येना कारण थंयचे देव आदींच थंयचो मुक्काम हालोवन अंत्रुजेंत संस्थानां स्थापन करून रावल्यात.

अंत्रूज ही गोंयची देवस्थान भूमी आनी संस्थान भूमी. वृंदावन भूमी,कुळागर भूमी. आश्रम भूमी आनी तपोभूमी. आराधना भूमी समरादना भूमी, पालखे भूमी आनी रथभूमी. ही विद्वानांची भूमी आनी पुरोयतांची भूमी. कलावानांची भूमी आनी किर्तनकारांची भूमी. हांगा देवस्पण, समाजकारण आनी राजकारण हांचो त्रिवेणी संगम आसा. हांगा कला किल्लता, साहित्य पाझरता आनी राजकारण मुंगरता. कृष्णलिलांक पसून ही भूमी फाव तशी आसा. कृष्ण आपल्या जल्माक हीच पुण्यभूमी निवडटलो हें त्रिवार सत्य आसा

अंत्रूजेच्या मानान गोंयची हेर कडली भूमी कृष्ण जल्माक तितली कसाक उतरना. तिसवाडयेंत जल्मल्ले चडशे अबर्गत जातात अशी आपली गत पळोवन थंयचेच विद्वान सांगतात. ह्या वाटाराक बरे गूण पसून दर्याच्या वाऱ्यान खारे जातात. हांगा अंत्रुजची कला ना. इंत्रूज चड. साश्ट हरशी कृष्ण जल्माक श्रेष्ठ. थंय कृष्ण बरो सोबपाचो. पूण थंयच्या लोकांकूच आपल्या रोदांत तो जाय काय कितें हो प्रस्न आसा. अंत्रूजेंत आयज आसात ते चडशे श्रीमंत देव आदले साश्टीचे. तांकाच ताणी पयस केले. कृष्णाक लागी करीतशे दिसनात. स्वामी लागीं आसतकूच कृष्णाक लागीं करचेली तांका गरजूच दिसना.

तशे अंत्रुजेचें न्हय. तांका स्वामी जाय, आमी जाय तुमी जाय. पूण पयली देव जाय. अंत्रुजेच्या वातावरणांत, पर्यावरणांत, वनांत आनी उपवनांत, सगळ्याक देवस्पण आसा. थंयच्या झाडा-पेडांनीं, फुला-फळांनीं देव-देवता वास करतात. बेल शिवपूजा करता, तुळशी

विश्णूची पूजा करता, नाल्ल गणेश पूजा करता. हांगा आपटच्यार कुबेर आसता आनी साळकांनी लक्ष्मी आसता. केळी पानार समरादना आसता आनी खावचे पानार दक्षणा आसता. सगळें देवमय आसता.

कांय काळ अत्रुंजेच्या देवळांनीं कितेंच घडनासलें मागीर देवळांनीं झगडीं घडोवन हाडचीं पडटालीं. अर्दी-मर्दी देवळांय बंद उरतालीं. देवांचो घुस्मटमार जातालो. धर्म विटलेलो. धर्माक ग्लानी आयिल्ली तेन्नाच कृष्ण जल्माक येवचो आसा असो दुबाव येवंक लागिल्लो. आतां कृष्ण जल्माक येता हाची इल्ली इल्ली खात्री जावंक लागल्या.

अंत्रुजेच्या देवळांनीं हालीं देवकृत्यां अकस्मात वाडल्यात ती कृष्णजन्माची नबतूच म्हणूंक जाय. कृष्णान बेगीन जल्म घेवचो आनी धर्माक तेज हाडचें म्हूण आदीं धर्मावेलो घयरांव झाडून पुसून उडोवचो वावर सुरू जाला. पूजा अर्चा, अनुष्ठान, प्राणप्रतिष्ठा, पुनःप्रतिष्ठा, शांती, वास्तुशांती, स्थळशांती, नवग्रहशांती, नवचंडी, सहस्त्रचंडी, श्री सुक्तां आनी पुरूषसुक्तां, सहस्त्रपाठ आनी सहस्त्र कलश अभिशेक, सहस्त्र हवनां आनी सुदर्शन हवनां अशी सहस्त्र-सहस्त्र धर्मकृत्यां हालीं ह्या देवळांनीं सतत जांवक लागल्यात.

साश्ट, बारदेश, तिसवाडी, केपे-काणकोण जांव पेडणे, सत्तरी, ह्या आनी गोंयच्या खंयच्याय प्रदेशांत कृष्णाचो जल्म जालो जाल्यार तो गोमंतक भुमींतूच जालो म्हणून जाय. अशे आसलें तरी अंत्रुजेच्या वाटाराचो थाट पळेल्यार कृष्ण जन्मभुमीचें भाग्य अंत्रुजेकूच आसा अशें म्हणचें पडटा आनी कृष्णाच्या नव्या-ताल्ल अवताराची जन्म-कुंडली अत्रुंज हेंच जन्मथळ धरून मांडची पडटा. कारण ही भुमीच तशी आसा. हांगच्या झऱ्यांक आनी व्हाळांक पसून तिर्थाचो मान आसा, थळांक थळ महिमा आसा. कुळांक कुळाभिमानान आसा, कुळागरांक माड-माडयांचो अभिमान आसा. हांगच्या कसल्याय कार्यकर्त्याच्या आंगांत धर्मतेज आसा आनी फुडाऱ्याच्या आंगांत धर्मगुरूचो झेत आसा.

गोंयच्या हेर म्हालांक कमी लेखचो उद्देश ना. पूण तरी आसतना अंत्रुजेचो थळ महिमा वाखाणपासारको आसा. गोंयांत खंयूय

आयजमेरेन जे व्हड व्हड मानव अवतार जावन गेले तांचो खंय ना खंय आनी केन्ना ना केन्ना अंत्रुजेकडे लागींचो संबंद आयिल्लो आसा. कोणाचें भुरगेपण अंत्रुजेच्या कुळागरानीं गेलां जांव कोणाचे ऐन तरणेपण थंय वचून आयलां. गोंयच्या चडशा नांवारूपाक आयिल्ल्या साहित्यिकांचे तर तें प्रेरणाथळ आसा. साहित्यीक पुरस्कारांचे बुकींग चडशें थंयच जालां. थंय मेळिल्ल्या पुरस्काराचें प्रमाण खेड्याक चार ते पांच तरी आसतलें. खेडें चड सुपीक आसत जाल्यार वांयगणें पीकूय येता. पक्षांतराच्या वेळार अभय मागपाक राजकारणी फुडारी थंयच देवाकडे जांव बाबा-भगतांकडे वतात. हेर गावांनी वाऱ्यार पडिल्ले फुडारी थंय वचून थाऱ्यार पडटात. चक्रन पसून थंय विक्रम करून येतात. थंयच्या तळयांच्या तिर्थांनींच तो गूण आसा. कलेची ती खण आसा. कवींचें मीन आसा.

अंत्रुजेच्यो कळा आनी लिळा कानार गेल्यार कृष्ण पसून थंय जल्म घेवंक तत्पर आसतलो आनी "यदा यदा ही धर्मस्य ग्लानिर्भवती भारत, तेन्ना तेन्ना आपलो जल्म धर्मक्षेत्रांत, अंत्रुजक्षेत्रांत जावचो" अशें म्हणटलो.

श्रीकृष्ण पुण्य भुमींत जल्म घेतलो आनी गोयांत जल्म घेतलो जाल्यार धर्मक्षेत्रांत, अंत्रुजक्षेत्रांत घेतलो हें आतां चडशें निश्चयान सांगू येता. पूण देव पक्को निर्णय घेतलो जाल्यार ताका गाराणे घालुंकूच जाय असो पुर्वापार नेम आसा. म्हूण देवाकडे पावसारक्या चडयल्ल्या आवाजान गाराणें घालची चाल पडल्या. गाराणें घालून घालून गाराणें घालप ही एक कलाच जाल्या. गोंयची कला अकादमी ही एक श्रेष्ठ कला मानता इतलेंच सांगल्यार पुरो जाता.

कलात्मक गाराणें घालपी पिळगी फुडाराक शिकून सवरून तयार जावची हे दुरदर्शी नदरेन हालींच गोंयचे कला अकादमीन "देवाला गाऱ्हाणें कशें घालावें?" ह्या विशयाचेर आपल्या कृष्ण-कक्षांत एके कार्यशाळेचें आयोजन केल्लें. गोंयांतल्या गाराणे घालपी जेश्ठ आनी श्रेष्ठ कलाकारांक आपोवन हाडून विद्यार्थ्यांक दीसभर गाराण्यांची तालीम दिली. तांतूत तालीम घेतिल्ल्या एका विद्यार्थ्याक गोंयांत,

अंत्रुजेंत कृष्णाक जल्म घेवंक गाराणें कशें घालचें अशें विचारतकूच ताणें गाराणें घालें तें अशें:

"आगा श्रीकृष्णा, अनंता, पुरूषोत्तमा, फाटल्या जल्मांतल्या देवकीच्या पुता, आगा समर्था, आमी गोंयचीं तुजीं लेकरां तुजेलागीं मागतां, काकुळटेन मागतां, तूं आतां बेगोबेग, हय-ना करीनासतना सडसडीत आमचे अत्रुजेचे देवभूमींत, आगापुरांत जल्म घे गा धनया...."

तो स्वता अंत्रुजेंतल्या आगापूर ह्या गांवचो आसलेल्यान ताणें गाराण्यांत आपल्या आगापुरचो वशिलो घालो हे मागीर कळून आयलें.

ताका विचारल्यार मात ताणें वेगळेंच सांगलें.

"अंत्रुजेंत आतां जल्म घेंवक तशे जागे खंय उरल्यात? आदल्या देवांनी चडशे आदींच ओकुपार केल्यात. उरलेले चडशे बिल्डरानीं विकते घेवन बिल्डिंगो बांदल्यात. तांतूंत कांय उरल्यात तांची कागदपत्रां सारकी नात, जन्मभूमीचो आनीक एक वाद कोर्टांत वचपाक नाका! त्या मानान आमच्या आगापुरांत जायते प्लॉट शिल्लक उरल्यात. कागद पत्रांय निवळ आसात. असल्या पवित्र जाग्यार कृष्ण जल्म घेवचो ना जाल्यार आनीक खंय घेतलो? कृष्णाचो जल्म अंत्रुजेंत आगापुरच्या पुण्यथळांतूच जावचो आसा ना! जाल्यार पळेयात. तशें हांवे गाराणेंय घाल्लें आसा."

आमी "हय सायबा" म्हळें.

◆◆

असत्यमेव जयते

संवसारांतल्या साबार कलांमदे असत्य एक सुरबूस कला आसा. सादारणशी फट मारप सोपें पूण अभिजात असत्य आत्मसात करप हें साधनेनूच शक्य आसता. सुरवेक असत्य उलोवप इल्लें जड पडटा. सट् करून सत्य भायर सरत हाचो हुस्को आसता. पूण साधनेन ही कला बरीच साध्य जाता.

प्रसंगा प्रमाण फट मारप हो हे साधनेचो पयलो पांवडो. उठ्ठां-बसतां फट मारप हो दुसरो पांवडो. न्हिदेंतपसून फट मारप हो ताचेफुडलो पांवडो. अशे साधनेचे पांवडे आसात.

असत्य आत्मसात करूंक जो अभ्यासक्रम आसता तांतलो पयलो क्रम म्हळ्यार आपूण फट मारता ती पेल्याक कळूंक जायना. फुडलो क्रम म्हळ्यार आपल्याकूच ती कळूंक जायना ताचे फुडलो क्रम आनीकूय कलात्मक आसता. संगिताची साधना केल्लो पट्टीचो गवय जसो चलता-भोंवतना सुरेल तान मारता आनी आपल्या मुखांतल्यान तशी तान आयिल्ल्याचें ताका भान पसून नासता तेच परी असत्याचो खर अभ्यास केल्लो अवलिया सहज सुरय फट मारता आनी ती मारिल्ल्याचें ताका भान पसून नासता. ताचेय फुडें गेल्लो असत्याचो साधक मंत्र मारता ते परीं फट मारता.

असत्य एक कला आसा तशेंच तें शास्त्र आसा. अस्सल फट कलात्मक आसता तितलीच ती शास्त्रोक्त आसता. फट खंय मारची, केन्ना मारची, कोणाकडे मारची, असत्यांत सत्य कितलें भरसुचें आनी तें रूचीक करचें, साद्या सरळ मनशाकडे कशी फट मारची, आपल्याभशेनूच दुसऱ्या फटींगाकडे कशी फट मारची, अशें हें फटशास्त्र बरेंच आकर्शक आसा.

कांय जाण असत्याक ईश्वर पसून मानपी आसात. जग मिथ्या आसा, फट आसा, तेन्ना तें जग रचपी कसो आसतलो अशें ते विचारतात.हे असत्याचे पुजारी आसतात.

असत्याच्या मळार हालीं कांय वाद उस्तून काडिल्ले आसात आनी ताचेर ह्या मळावेले विद्वान संशोधन करूंक लागल्यात. फटींगपण हें आनुवांशीक आसता काय कमयल्लें आसता, दादले चड फटींग काय बायलो चड फटींग, असत्या खातीर असत्य काय जीवना खातीर असत्य अशे तरेचे हे वाद आसात. जायते शिश्य शिश्यवृत्ती घेवन हाचेर अभ्यास करूंक लागल्यात. हें संशोधन बेगीन सोपचेलें न्हय. पूण आतांमेरेन कांय निश्कर्श काडल्यात ते थोड्याभितर अशे आसात:

फटींगपण हे पांच टक्के आनुवांशीक आनी पंचाण्णव टक्के कमयल्लें आसता.

बायलांपरस सर्व सादारणपणान दादले चड फटींग आसतात.

असत्याखातीर असत्य आसता. पूण मनीस जर चोर, फटींग, दरोडेखोर असो त्रिगुणात्मक आसत जाल्यार जीवनाखातीर असत्य आसता.

बापायकडल्यान पुताकडे फटींगपण वता तें खूप कमी हें ह्या संशोधनावेल्यान कळून येता. पूण आनीक एक संशोधन सांगता कीं बापायक दोग पूत आसल्यार एका पुताक धा टक्के आनी दुसऱ्याक 'मायनस' धा टक्के ह्या प्रमाणान तें वचूं येता.

बायलांपरस दादलो फटींग हें संशोधन मात बायलांचेर अन्याय करता अशें दिसता. सदर संशोधन संस्थेकडे चौकशी केल्यार ताणीं पुराण कालीन दाखलो दिवन आपल्या संशोधनाचें विवरण केलें तें अशें:

असत्य हें दादलेपणाचें लक्षण. दादल्यांक सत्ता सोबता जाल्यार बायलांक सत्य सोबता. संस्कृत भाशेंत "सत्यानृताच पुरूषः" अशें दादल्याचें वर्णन केल्लें आसा. अनृत म्हळ्यार फटींगपण. दादल्यांकडे सत्यापरस असत्य चड. तेच संस्कृत भाशेंत दुर्गा, सीता, द्रौपदी ह्या सगळ्यांक सत्या हें उपनांव दिल्लें आसा. व्यासाचे आवयचें नांव सत्याच आसा. कृष्णाचे बायलेचें नांव सत्यभामा आसा.

बायलांक खरें केन्नाच सांगचें न्हय अशें आतांचेंय दादले सांगतात हाचो अर्थ बायलो सत्य पसरावपी आनी असत्य आडावपी असो जाता.

अशें हें संशोधन आसलें तरी ताचेर कांय आडमतां आसात. सत्य युगांतले दाखले आतांच्या स्त्रीमुक्तीच्या काळार आनी तेजस्विनींच्या तेजामुखार फिके पडटात अशें कांय संशोधकांचें मत आसा.

ह्या संशोधना संबंदान आनीक एक तक्रार आसा ती अशी कीं दादले फट मारता ती कळटा, बायलो फट मारता ती कळना म्हूण हें संशोधन जायते पावट फटवता.

संशोधन, समीक्षण,, निरीक्षण कशेंय आसलें तरी सर्वसामान्य वेव्हारी मनीस खंयच्याच एका मताचेर तसो केन्नाच पातयेना आनी आपले निश्कर्श आपुणूच काडटा.

सर्वसामान्य मनशाचे नदरेक अशें दिसून येता कीं असत्य उलोवपी मनीस सत्य उलोवपी मनशापरस अदीक धाडशी आसता. शिश्ट मनशापरस तो अदीक धिरीश्ट आसता. सत्य उलोवपी मनशाच्या पदरांत अपेश चड आनी असत्य मनशाच्या पदरांत यश चड. सद्याचो वेव्हार हो असो आसा.

चडशे राजकारणी आसत्यान फटींग आसतात आनी ते उच्च पदार पाविल्ले आसतात. असत्यान न्हय जाल्यार ते थंय केन्नाच पावचे नासले. इतलेंय आसून ते भावार्थी आसतात. चडशे रामभक्त आसतात आनी उरलेले हेर देवांचे भक्त आसतात. ते देशभक्तूय आसतात. देश तांका निवडून हाडून ह्या उच्च पदार पावयता.

जायते व्यापारी सत्यनारायणाची पुजा करतात. पूण तांतूत दर्शना परस प्रदर्शन चड आसता. असत्याक अशें प्रदर्शन नाका. मनांतल्या मनांत असत्याचो जप केल्यार असत्य पावता.

आबाल-वृद्धांक असत्य तारता. कृष्ण पसून तोंडांत लोणी आसतनाच आपणें चोरून लोणी खावना म्हूण आवयक सांगता. मख्खन जांव मलय खातना दर एकल्यान "हम नहीं माखन खायो" अशेंच म्हणूक जाय.

तरणाट्यांनी सत्याची कास सोडून असत्याचो पदर पसून धरल्यार तो तांका ओडीत सुखाकडे व्हरता. सद्याचे परिस्थितींत तर

सत्यान गेल्यार फुडारांत अंधार दिसता. असत्यान गेल्यार फुडार पर्जळटा. बरे मार्क मेळटात. बरी नोकरी मेळटा. व्हड उद्योग सांपडटा. राजकी फुडारूय बरो आसता.

सत्य दुबळेपण दिता. असत्य बळगें दिता. संवसारांतली अति बळिश्ट राष्ट्रां अति फटींग आसात. लोकशाही पसून फटींग लोकांची आसत जाल्यार हेर लोकशाहींचेर ती वर्चस्व गाजयता.

सत्यवानाची जीण खडतर आसता. असत्यवानाची जीण मौज-मजेची आसता. सत्याच्या मार्गार कांटे तर असत्याच्या मार्गार मोव हरयाळी पातळ्ळेली आसता.

फट ही फटूच पूण संगितांत जशे रागाचे अनेक प्रकार आसतात तशेच असत्यांत फटींचे अनेक प्रकार आसतात. अव्वल फटी आनी निव्वळ फटी, अस्सल फटी आनी आसत्यान फटी, कास्ताद फटी आनी वस्ताद फटी, सुरय फटी आनी सुरबूस फटी, साजूक फटी आनी नाजूक फटी अशे फटींचे जायते प्रकार आसात. त्याशिवाय संगितांत जशे ओवी, श्लोक, अभंग अशे प्रकार आसतात तशेच असत्यांत तड्डकां, चिकानां, बंडलां अशे प्रकार आसतात.

असत्य कलात्मक आसता. सत्य सपक आसता. सत्य अपेशी आसता. असत्य यश दिता. सत्य बैरागी आसता तर असत्य रंगी-बेरंगी आसता. सत्य पनवती आसता तर असत्य समृद्धी दिता.

सत्य उलवप-बरोवप सोपें. असत्य कठीण. जांच्या आंगांत फटींची कला आसा ताणी अवश्य असत्य पंथ धरचो. जांका हिकमत ना, जांच्या आंगांत धीर-धाडस ना ताणीं ना सुटकेक सत्य पंथ धरचो.

सत्य जंय कोनशाक पडलां थंय आयज असत्य दिमाखान मिरयता.कोणाची पर्वा करीनासतना गर्वान म्हणूंक जाय "असत्यमेव जयते."

तथास्तु.

◆◆

सहस्त्रकाचें ताजें भ्रहमान

नव्या सहस्त्रकाचो आतां आरंभ जाल्लो आसा. ह्या नव्या सहस्त्रकाचो आरंभाचो शेंकडो सगळ्यांक भाग्याचो आंकडो घेवन येंव अशें मागुया.

मनीस प्राण्याचें जीवनमान सुदारतलें, मंत्रीगण आनी गणराज्यांतले हेर गण हांचेंय उत्पन्न गुणाकारान वाडटलें अशी अपेक्षा करूंया.

हो शेकडो कोणाचो आसतलो ह्या संबंदान विचारवंतामदें वाद आसा. अमेरिकेन तो आपलो आसतलो हें सगळ्यांत पयली जाहीर केल्लें आसा. भारतूय आपलो नंबर लागतलो अशें सांगता. चिनाक, जपानाक कितें दिसता आसत सांगू नज, कित्याक तर ते गरजेभायर उलयनात. जर्मनी, इटली, फ्रांस सारके युरोपांतले देश चडशे शिताफुडे मीठ खायनात. इंग्लड मात अमेरिकेच्या पदरा सकयल रावन आपलोय नंबर लागता काय पळेता. इराण, इराक आनी कोरिया ह्या देशांक तर अमेरिकेन पातकी त्रिकुटांत धुकलून उडयल्यात. पूण ते अमेरिकेच्या शेंकड्याआड केन्ना आनी कशे येत सांगूंक जायना.

तरी आसतना सगळ्यांच्योच इत्सा पूर्ण जावन सगळ्यांकूच नंबर लागूं अशी सदिच्छा करप हें सामान्य जनांचे कर्तव्य आसा.

अमेरिका स्वताक देवाचो देश मानता. आपल्या हातांत घातक अस्त्रां चलतात, देवचार देशांच्या हातांत तीं उरूंक फावनात म्हूण युद्धां पसून करता. पूण देवचारूय आतां देवाक व्हडलेशे पातयेनात. तेन्ना ह्या शतकांत तीं घातक अस्त्रां कायमची नश्ट करचेली बुद्ध देव-देवचारांक येंव अशें मागुंया.

कितल्याशाच सहस्त्रकां उपरांत ह्या सहस्त्रकाचे सुरवेकूच मंगळ पृथ्वीच्या चडांत चड लागसार येता. मंगळ हो ग्रह युद्धाचो कारक तेन्ना जायत्या जाणांचे हात युद्धाक शिवशिवतले अशे ज्योतिशी सांगतात. हें सांगूंक ज्योतिशांची खरी गरज ना. युद्धां सुरू जाल्लींच

आसात. तांचो तो युद्धाचो फुरफुरो देवूं अशी मागणी शुभग्रहांकडे करूंक जाय.

भारताचो ह्या शेंकड्यांत पयलो नंबर लागतलो अशे भारतांतले सनातनी आनी पुरातनी फुडारी पसून सांगतात. भारताक सुर्य-चंद्र बरे आसात पूण राहू-केतू पिडटात. शुक्र शुभ आसा पूण शनी आडायता. गुरू ग्रहाचो आराखडो जाय तसो आसा पूण भारताचो गुरू साधूंच्या आखाड्यांत सांपडला.

रामराज्य येतलें म्हणटात पूण सद्या तरी कैकयी आनी भरत हांची आघाडी सरकारांच राज्यां चलयतात. राम दक्षिणेक खंय तरी राज्यांचे सीमेचेर वनवास काडीत आसा. पूण हें सगळें सोंपतलें आनी नव्या शेंकड्यांत राम आपली जन्मभूमी सोदीत परतो येवन राज्यार बसतलो अशी आस्त बाळगुया.

गोंयचे राजकारण चंद्राचे छायेंत चलता म्हूण तें बरेंच चंचल आसा अशें कांय पारखी सांगतात. लक्ष्मीय चंचल आसा म्हूण ते लक्ष्मीचे कृपासत्रे सकयल चलता अशें कांय जाणांचें मत आसा. पक्ष बदलतना लक्ष्मी जाय ताचे परस चडूच उलाढाल करता असो अंदाज जायत्या जाणांनीं केल्लो आसा.

राजकारणाच्या बाजाराची उलाढाल आदीं चडशी फोंड्या, पणजे जांव मडगावां चलताली. तांतूंत आता म्हापशेच्या बाजाराची भर पडिल्ली आसा.

तरी तांतल्या तांतूत गोंयचें राज्य श्रेष्ठ असो अंदाज हालींच भारतांतल्या एका जेष्ठ साप्ताहिकान एका सर्व्हे उपरांत केल्लो आसा. हाचेवेल्यान हेर राज्यांचो राजकारणाचो बाजार खंय पावला हाचो अदमास काडूं येता.

नव्या शेंकड्याचे सुरवेकूच गोंयच्या कोंकणी साहित्यिकांक गुरू एकादशांत आयला अशें सांकेतीक अर्थान लोक म्हणूंक लागल्यात आनी तें खरें आसा. मराठी साहित्यिकांक ह्या नव्या शेकड्याच्या आरंभाकूच गुरू बारावो आयला. गोंयची मराठी ह्यां शेंकड्यांत आपल्या घरा महाराष्ट्रांत परती वतली आनी अदी मदी पर्वरे मराठी भवनांत येवन

वचून आसतली अशें भविश्य धा जाणांनीं केल्लें आसा.

नव्या सहस्त्रकाच्या नव्या शेंकड्यांत कोंकणी बरोवप्यांचो आंकडो खूप वाडटलो हांतूंत संशय ना. बरोवपाचे आशय आनी विशयूय खूप आसतले. गोंयांत सगळेकडे कोंकणीचे मळे आपआपले तरेन फुलतले आनी फळटले.

कोंकणीचे पीक जरी गोंयांत सगळेकडे आयलें तरी कोंकणीचें कुळार म्हळ्यार मडगांव आनी कुळागर अंत्रूज म्हाल. कोंकणीचें उच्च दर्जाचें साहित्य ह्या शेकड्यांत ह्याच वाटारांत चड प्रमाणात किल्लपाचें आसा. कोंकणी नाटक हांगाच रंगपाचें आसा. अंत्रुजेचे कोंकणी नाटक साता समुद्रा पेल्यान पावपाचें आसा. पावलेंय आसत. कोंकणी रंगभुमीचे हांगचे नायक आनी नायिका कोणाक आयकुपाच्यो नात. ह्या शेंकड्यांत कोकणीचे खंबीर खांबे आनी गंभीर विचार अंत्रुजेचेच आसतले.

कोंकणीचे तुकाराम आनी ज्ञानेश्वर मात बार्देसांत जावपाचे आसात. केप्यां-कोणकोणा कोण कोण जायत सांगूं नज.

कोंकणीक जे पुरस्कार मेळचेले आसात ते सांगल्यार तोंड वळटले. तांचे आंकडे आनी शेंकडे कोकणी अकादमीच्या वेबसायटचेर पळोंवक मेळटले.

ताज्या सहस्त्रकाच्या ताज्या संवत्सरांचे हें अदमास पंचांग भविष्य. केन्ना केन्नाय जायते टक्के खरें उतरता. केन्ना केन्नाय, खंय खंय, चुकता. हाचे एक कारण अशें आसा कीं हें भविष्य नवग्रहांचेर आदारीत आसा. उपरांत जायत्या ग्रहांचो सोद लागलेलो आसा. तांचो प्रभाव कितलो पडटा हाचें कोश्टक केल्लें ना. अमेरिकेक सद्दाम हुसेन ह्या ग्रहाचो सोद हालींच लागला. आदीं लागूंक ना. सुरवेक सोद लागलो तेन्ना तांचो तो मित्रग्रह आसलो. आतां शत्रू-ग्रह जाला. ओसामाचोय सोद तसो हालींचोच. रशियेक बुद्ध शिकोवच्या वेळार तो आमंत्रीत ग्रह आसलो आतां परतलो तेन्ना आतंक ग्रह जालो.

ग्रहांचे राजकारणूय आतां आदले भाशेन तितलें स्थिर ना. केन्ना पक्ष बदलीत आनी केन्ना राशी बदलीत सांगू नज.

पाकिस्तान भारताचो शत्रू ग्रह. पूण प्रसंग पळोवन मित्रग्रह

जाता इंग्लंड अमेरिकेचो सद्या उपग्रह आसा केन्ना उपद्रव ग्रह जायत सांगूं नज. इराकच्या गिऱ्याचेर इराकच्या गेर्रांत कोणाक कितले तेल सांपडटा ताचेर तें अवलंबून आसा. चीन भारताक सद्या वक्री ग्रह आसा. केन्ना मार्गी जायत हाचें कोश्टक मांडू नज. अमेरिका आनी रशिया पुर्वापार एकामेकाचे शत्रूग्रह. आतां खंयच्या ग्रहाचीं किरणां तांचेर पडल्यात आनी एकामेकाचे मित्रग्रह म्हूण प्रदर्शन करतात ताचें आकलन आजून ज्योतिशशास्त्राक जांवक ना. हाचो ताण भविष्यशास्त्राचेर पडटा. तरी भविष्याचें निदान चडशें खरे थारता. हिन्दुस्थानांत तर तें शास्त्र आतां अभ्यासक्रमांत पावित्लें आसा. ह्या खातीर नव्या सहस्त्रकांतले नवे पिळगेक तर तें सहस्त्र टक्के मान्य जांवकूच जाय.

नव्या सहस्त्राकाचें हें प्रगत भविष्याचेर आदारीत प्रागतीक अदमास पत्रक आसा. जण एकल्यान जितली गत आसा तितलें जण एकल्यान तें समजून घेवपाचें. उरलेलें सहस्त्राकाचेर सोडून दिवपाचें!

◆ ◆

भानू पै

संवसारांत कांय जाण शापीत गंधर्व जल्माक येतात. गुणेस्त आसले तरी वेव्हारी संवसारांत तांच्या गुणांची कदर जायना. समाजाचें बरें करूंक सोदतात तितलोच समाज तांका फाफडून उडयता. लागचे आसून पयशिल्ले जाल्लेवरी ते लोकांमजगती वावुरतात.

भानू पै तांतलोच. भानू पैक स्वताचो संवसार ना. ताका जगाचो संवसार लागता. पूण जगाक ताची पर्वा ना.

भासू आनी भानू अशे अनंत पैचे दोग पूत. भास्कर हें भासूचें मूळ नांव. दोगांयकूय नावां सुर्यावेल्यान दिल्यात. पूण तितलो उजवाड पडूंक ना. भासू लग्न जावन संवसार करता आनी एक पसरो चलयता. भानू लग्न जांवक ना. उरलो तो उरलो! दोगांयच्या नांवार एक भाटा कुडको आसा. पूण आता व्हडलेंशें उत्पन्न ना. बापूय नाल्लांचो नेगोसियांत आसलो पूण पुतांक व्हडलेंशें कांय दवरूंक पावलो ना. तेन्नाचे नेगोसूय तसलेच. तेन्ना मीनाक तेजी आसली आनी आसलीच जाल्यार थोडी ब्लेकाक आनी हद्दीवेल्या धंद्याक. चालंत नेगोसांक म्हणपासारकी प्राप्ती नासली.

भानू भावाकडेन रावता. भावासारको जोडिना पूण शिकला भावापरस अदीक. भासूचो पसरो सादारणसो चलता. भाटाचें उत्पन्नूय तितल्याक तितलें. संवसाराक जाय तसो पैसो आसा. पूण पैशांचो वखवख लागपासारको आडगत धंदो ना.

भानूय पैशांचो पूत न्हय. आसलो जाल्यार तोय पैसो करतलो आसलो. तितले ताका शिक्षण आसा. गावांत अशे जायते जाण आसात जे ताचे परस खूप कमी शिकल्यात पूण पैशे करूंक बरे शिकल्यात. भानू जेन्ना तरणाटो आसलो तेन्ना तत्वाक जांव त्यागाक खूप मान आसलो. ते दीस स्वातंत्र्य चळवळीचे. तेन्ना गांधीच्या रामाक मान आसलो. आता आयारामाक आनी गयारामाक मान आसा. ते स्वदेशीचे दीस आसले आनी गांधीच्या सत्याच्या प्रयोगांचे दीस आसले. आतां सत्य आनी

लोकशाय पसून श्रीमंत बळिश्ट देशांतल्यान आयात जाता.

भानू केन्नाय भावाक पसऱ्यार मदत करता. पूण तसो तो एक जीव सदाशीव आसलेल्यान ताका घरच्या पसऱ्यापरस जगाचो पसरो चड लागता.

गांवच्या समाजीक आनी शिक्षणीक वावरांत भानू पैन सुरवेक सावन वाटो घेतला. तेन्ना गांवचे शाळेंत कमी पगाराचे मास्तर आसताले. केन्ना मास्तर मेळयनासले. मास्तर ना तेन्ना भानून शाळेंत फुकट पसून शिकोवपाचे काम केलां. आजून त्यावेळचे भुरगे भानूक "पै मास्तर" म्हूण वळखतात. भानू तेन्नाचो तसो खरो ग्रामसेवक. आतांच्या पंचायतींतल्या ग्रामसेवकांभशेन न्हय. गांवाक अडीअडचणींत पावला.

जितले समाजकार्य भानून गांवाखातीर केलां तितलो मान मात ताका मेळूंक ना. कदाचित फुकट कार्य केलां म्हूण जायत जांव "अति परिचयात् अवज्ञा" ह्या न्यायान जायत. गांवांत ताची फकाणांच चड जाल्यांत. देवान गांवचे जायतें कार्य ताचे मार्फत करून घेतलां पूण तितलो मान जांव धन ताका दिंवक ना. हेंच कित्याक, देवान हेरांक कितल्याशाच अक्षरांची आडनावां दिल्यांत. पूण भानूक मात एकाक्षरी आडनांव दिवन थंय पसून काटकसर केल्या. हो आडन्याय म्हणूंक जाय. पै हें आडनांव भुरग्यांक पसून फकाणां करूंक सोपें पडटा.

'जय हिन्द'चे चळवळी वेळार गांवचे भुरगे भानू पैकूच "जय हिन्द पै" म्हणूंक लागले. हे चळवळीच्या काळार भानू पै गांवभर खबरांपत्र कसो भोंवला. हे चळवळीच्यो खबरो ल्हान-व्हडांक पावोवचें काम केलां. मुळांत भानू पैचो भेस सादो. पुडवे आनी धवें खोमीस. पूण हे चळवळीवेळारं तें खादी जाल्लें. गांधीचे खादीचो प्रचार भानू पैन गांवभर केल्लो. स्वता चरख्यार सूत काडलें. पत्रकां वाटपाचेंय काम केलें. गांवच्या चार-चौगांक घेवन मडगांवा सभेक वचून आयलो. त्या वेळार एक दोन पावट तो गुपचूप बेळगांवाय वचून आयिल्लो अशे तेन्नाचे ताचे सांगाती सांगतात.

गोंयाक स्वातंत्र्य मेळ्ळें तेन्नां तें पळोवक मेळ्ळें हें जल्माचें सार्थक जालें अशें समाधान ताका जालें. आतां गांवचे सात-आठ जाण स्वातंत्र्य

सैनिक म्हूण पेन्शन घेतात. भानू पै पेन्शन घेना कित्याक तशी बंदखणूय ताणें भोगूंक ना. तरी आसतना अर्ज करूंक ताका आग्रो जाल्लो. पूण ताणे तो मानलो ना. स्वातंत्र्य चळवळ हें ताचें पेन्शन नासलें. मिशन आसलें.

वाचप-बरप हो चडसो बुद्धीचो वेवसाय जाल्यार वाजोवप-गावप मनाचो वेवसाय. भानू पैक गायनाची आवड आसा. पेटयेर आनी रेबेकार तो स्वर काडूंक जाणा. चवथी वेळार आनी सप्ताहा वेळार तो गांवांत हेरांवांगडा भजनांनीं आनी आरतींनीं वाटो घेता. व्हडलो गायक नासत, पूण गायनांत ताका रस आसा. एकसुरे जिणेक तितलो तरी तो आसचो पडटा.

स्वातंत्र्या उपरांतच्या गोंयच्या राजकारणांत भानू पैचो व्हडलोसो वांटो ना. गांवच्या राजकारणांत तोय आता खूप फाटीं पडला. ताचे देशभक्तीची पावती म्हूण सुरवेक जेन्ना पंचायती जाल्यो तेन्ना गांवान ताका एकूच पावट सरपंच म्हूण वेंचून काडलो. पूण तेन्ना पंचायतीनीं खावपाची पद्धत सुरू जांवक नासली. ती पद्धत सुरू जाली तेन्ना भानूचो नंबर गेलो. आतां आतां तर गावांत जाती-धर्माचें राजकारण खुपूच वाडलां. आनी गांवान भानू पैक मुक्त केला.

भानूचें राजकारण आतां फाटीं पडलां. स्वातंत्र्य, स्वातंत्र्यचळवळ अशे कांयच ना. सगळ्यांक स्वराज्य मेळिल्ले आसा. जण एकलो आपलें स्वराज्य आपल्याक जाय तशें चलयता. आपलें राज्य आपणें करचें तेन्ना सगळे आपाआपलें राज्य करूंक लागल्यात. भानूची आतां तशी गरज ना. ताका शाळेंत कोण आपयना, पंचायतींत गेल्यार सरपंचूच न्हय ग्रामसेवक पसून ताका विचारिना. राजकारणांत तर ताची गरजूच ना. परती जाल्यार आडखळ जांव येता. आतांच्या राजकारणांत भानगड पैक तरी मान आसत. पूण भानू पैक ना.

चड वर्सांनी हालींच भानू पैची लोकांक याद जाली. गांवच्या गणेशोत्सव मंडळान जाण्टया समाज वावुरप्यांचो सत्कार करचो येवजिलो. आदीं वावर केला आनी आता कसलोच वावर ना असलो

आदलो मनीस सत्काराक जाय म्हूण सत्कारमुर्तीचे वळेरेंत भोवमानेस्त भानू अनंत पै, समाज वावुरपी, हाचे नांव घालें. शाल आनी नाल्ल दिवन ताचो सत्कार केलो. मंडळाच्या चडशा वांगड्यांच्यो स्वताच्यो मोटरी आसात पुण भानू पै सत्काराक पायांनी गेलो आनी पायांनी आयलो. गांधीचे चळवळी वेळचो मनीस म्हूण भानूक पदयात्रेचें म्हत्व आसा अशे रथ यात्रेकारांक दिसलां आसतलें.

आदींवरीच भानू भावाच्या पसऱ्यार येवन वचून आसता. भाटांतूय पासय मारून येता. अदीं-मदीं कोणाच्याय घरा हांगा थंय वचून येतालो ते आतां कमी केलां. खबरांचो आदलो नेट आतां उरूंक ना. आतां तो जाण्टो जाल्लो आसा. लोकांकूय आदले वरीं सत्य अहिंसेच्या खबरांनीं रूच ना. सत्यापरस सत्तेचे प्रयोग चड जाल्ले आसात.

धन-दौलत करची सोडून देशाच्यो खबरो गांवभर सांगीत भोंवता म्हूण लोक आदींच ताची थट्टा करूंक लागलेले. आतां तर कांय जाण ताका देवाक सोडला म्हणटात. भानू तसो देव-देवूय करिना आनी राम-रामूय करीत भोवना. पूण संवसाराचें राजकारण सांगीत भोंवतल्याक लोक मात देवाक सोडला अशे म्हणूंक लागतात.

भानू जाण्टो जाल्याक ताका भोंवपाची रूचूय तितली ना. आनी नेटूय ना. निमित्याक पसऱ्यार बसता ना तर टी.व्ही फुडें बसून संवसारार कितें घडटा तें पळेता. दिल्लीच्या पार्लमेटांत बाजार चलता तो पळेता ना तर अमेरिका, इंग्लड इराकांत गेर्र करतात तें पळेता. अमेरिका आनी हेर कांय लोकशाही देश लोकशाही निर्यात करता तें पळेता आनी पेट्रोल आयात करता तेंय पळेता. आमी गांधीचें सत्य सोडून इंग्लड, अमेरिकेंतल्यान सत्य आयात करतात तेंय पळेता. मंत्र्यांची रथयात्रा पळेता आनी बायल भुरग्याक घेवन ताणी केल्ली विदेश यात्राय पळेता. कारण भानूक संवसाराचें लागता आनी ताका देवाक सोडिल्लो आसा.

◆◆

घटनेक जाय घटपाण

भारताची घटना आतां खुप पोन्नी जाल्या. सद्याच्या राजकर्त्यांक जाय तशी ती आतां बदलूंक जाय.

विधानसभा जांव लोकसभा घडटकूच पांच वर्सा आदीं ती कशीच विसर्जन जावची ना हाची जतनाय घटनेन घेंवक जाय.

स्पिकराक हें नवें घटनेंत 'सायलेंसर' अशें नांव दिंवक जाय. आसनार बसून स्पिकर चडसो 'सायलेंस', 'सायलेंस' अशें म्हणीत आसता. म्हूण हें नांव ताका योग्य आसा.

लोकसभेंत कलकलाट चड आसता म्हूण लोकसभेचें नांव 'कल्लोळ सभा' अशें दवरचें.

गव्हर्नराक मात 'स्पिकर' हें नांव दिंव येता. ताका उलोवपाबगर आनी भाशणां दिवचे बगर हेर व्हडलेशें काम नासता.

लोकप्रतिनिधीक पक्षांतल्यान केन्नाय फुटपाचो अधिकार आसचो. फुटप हें पक्केपणाचें लक्षण. कापसाची बोंडां पिकतकूच आपशांच फुट्टात. फुटप हें निसर्गीक आसा आनी तें पक्केपणाचें लक्षण आसा.

राष्ट्रपती राजवट ही घटनेतल्यान कायमची काडून उडोवची. एका पक्षाचें भौमत नासलें जाल्यार आघाडी सरकार, आघाडीय उणी पडल्यार सगळ्या पक्षांचे संयुक्त सरकार आसचें.

खात्यांखातीर झगडीं जातात. दरवर्सा दरेक मंत्र्याचें खातें बदलचें, मुख्यमंत्री जांव प्रधानमंत्री सोर्त घालून थारावचो.

सद्या लोकप्रतिनिधींक न्यायालयांत योग्य आनी अयोग्य रितीन व्हरपाचे प्रकार घडटात. आपल्या पक्षांत आसासर बरो, दुसऱ्या पक्षांत गेल्याबराबर वायट असो न्याय जाला. तांकां आनी मंत्र्यांक न्यायालयापसून संरक्षण आसचें. मंत्र्याक न्यायालयांत व्हरूं नज असो कायदो आसचो. झुटयेर आसतना आनी झुटयेवेलो देवतकूच ताका

न्यायालयांपसून संरक्षण आसचें.तशेंच संरक्षण लोकप्रतिनिधींकूय आसचें.

एक पावट आमदार, खासदार जांव मंत्री जालो म्हणटकूच मागीर ताका परतो वेचणुकेक उबो रांवक मेळचो ना अशी घटनेंत तजवीज आसची. अशी तजवीज आसल्यार चडांत चड नागरीकांक मंत्री जावचो योग येतलो. देशांत खरी लोकशाय येतली.

नॉन रेजिडेंट इडीयनांक खंयूय रावन निवडणूक लडोवची मेकळीक आसची. रेजिडेंट इंडियनांमदें गोरी कात वगळून मातये कोराची कात, गोबरा कोराची कात, नळखुटे कोराची कात अशा सगळ्या कोराद कातींक निवडणूक लडोवचो हक्क आसचो.

राज्यसभेचें नांव निवृत्ती सभा अशें आसचें. निवडणुकेंत पडलेले आनी निवृत्त जाल्ले हे सभेचे खासदार आसचे.

ह्या भायर एक धर्मसभा आसची. भगवे नेशिल्ले साधू-संत हे सभेचे खासदार आसचे. होम-हवनां करपाक, मंदिरां बांदपाक, पुराणां आनी इतिहास नव्यान बरोवपाक हांच्यो कमिटी करच्यो.

आतांच्या परिस्थितीप्रमाण आतांची घटना आसूंक जाय. आतांचे राजकर्ते शूर कमी आनी क्रूर चड, बनवाबनवीचें राजकारण करून कोणूय सत्तेवेल्यान निखळ्ळ्याबराबर ताचेर बगलाटां घालपाची चाल पडल्या. ताच्या फाटल्यान पुलिसांक लावन दितात, ताचेर सी.बी.आय.क सोडटात. हें सगळें आळाबंदा येवंक जाय. हाचेपसून संरक्षण आसूंक जाय. आनी घटनेंत दुरूस्ती करून घटना घटमूट करूंक जाय.

तशें जाल्यार अशी घटपाण हाडिल्ली घटना विघटनेपसून, गोंदोळ-घोटाळ्यांपसून, खटल्या-बखेड्यांपसून सगळ्यांचें संरक्षण करतली. राजकारणाक योग्य दिशा दाखयतली अशी आस धरूंया.

◆◆

खाय थंय लोकशाय

आमचे लोकशायेंत 'खावप' ह्या उतराक आतां बरीच प्रतिष्ठा आयल्या.

चोरप, नाडप, लुटप ह्या अर्थान आदीं 'खावप' हें उतर वापरताले. पूण हालींच्या काळार 'खावप' सर्रास जाल्ल्यान लोक 'खावपाक' आदले वरी दुशप्प दिनात.

लोकशायेंत मंत्री खावपाक वेल्या नंबराचेर आसात असो समज जाल्ल्यान लोकूय आतां खांवक बरेच तरबेज जाल्यात.

सगळेंच खातात. आपणें कित्याक खावचें न्हय असो विचार करून खावपाक फाटीं रावतलेपसून आतां इल्ले इल्ले फुडें सरूंक लागल्यात.

"पगार कितलो रे तुका? सांबाळून खर्च कर. फुडाराक दवर" असो सल्लो आदल्या काळार जाण्टेले नेण्टयांक दिताले. आतांच्या काळार जाण्टेले पासून "पगार कितलो रे तुका? त्या भायर सुट्टा मरे बरें?" अशें विचारूंक लागल्यात.

'सोडोवप' हो खावपाचो सर्वसामान्य प्रकार, 'वजन ठेवा' हो आनीक एक प्रकार, हप्तो हो एक खर प्रकार. पुलिसेंत, एरादारी खात्यांत ह्या हप्त्याचे एर्दैर खूप सांपडटात. हेर खातींय खावपाक फाटीं रावनात. खाता तें खातें अशीय एक व्याख्या जाल्ली आसा.

शिक्षण हें आदीं एक 'मिशन' आसलें पूण थंय पसून खावपाचें शिक्षण वाडलां अशें म्हणटात. एडमिशन, कॅपिटेशन, ट्यूशन असलें शासन थंय चलता.

आदल्या काळार त्यागाक मान आसलो. पूण आतां लोक त्यागाक मानिनात. सुटके झुजाऱ्यांनीं त्याग केल्लो आसत जांव लोकशाय हाडूंक कश्ट भोगले आसत पूण आतांच्या काळार "लडनेको बडा भाई खानेको हम" म्हूण मेळत तो खावपाचे स्पर्धेंत सामील जाता.

खावपाचो पंथ आतां जायत्या जाणांनी धरला. कोण खाता,

कोण खायना कळूंक कठीण. खाता तो शाणो थारता.

खातल्यांक मंत्र्यांबदल खूप आदर आनी आपलेपण आसता. म्हूण सत्तेवेल्या मंत्र्यांक ते भाऊ, भाई, ताई, मामा, मामी ह्या घरगुती नांवांनी पाचारतात. सत्तेवेले देंवतकूच मात तांका कोण पाचारिनात.

मदी "पंत सरकारां" सत्तेर आयलीं. संत म्हूण मिरयत खावप हांकांय बरें कळटा. हे चडशे दामाजी पंत आसतात. दाम करी काम हें तांचे तत्व आसता.

लोकशायेंत पत्रकारूय लापीट जाल्ले आसात. सत्ताधिशांचेर ते टीका करतात पूण हातचें राखून. सुवार्थ सादपाक तेय फाटी रावनात. सत्ताधिशांचे आनी पत्रकारांचे संबंद दोणो-पत्रावळी भशेन आसता. वेगळे कशे दाखयतात पूण तितलेंच लागसारपणूय आसता.

लायट, उदक, पंचायतींतलें काम, ॲडमिशन, शिक्षण, रिझर्व्हेशन, सरकारी काम जांव सोसायटीचे काम, सगळ्या कामांनी दाम बरें काम करता. दाम ना जाल्यार सगळीं कामां दामून उरतात.

जाणट्यांक पसून आतां भुरगीं खावपी उतरचीं अशें दिसूंक लागलां. "पुत्र जावचो असो खावपी । खातां खातां मंत्रीपदाक पावपी ।" अशेंय कांय जाण आंवडेतात.

मोगांत पसून दामाजीक आतां खूप म्हत्व आयलां अशें कांय अणभवी प्रेमवीर सांगतात.

"पगार कितें ते सांगूं नाका. सोडयता कितलें तें सांग. ना जाल्यार सोड म्हाका" अशें खंय मोगांत ओडपी प्रेमकुमारांक आतांच्यो प्रेमकुमारी सांगूंक लागल्यात.

लोकशायेंत खावपाचे लोकशिक्षण व्हड प्रमाणार मेळिल्ल्यान लोकांनी खावपाच्यो तरा आनी पद्धती सोदून काडल्यात. मंत्री चड खाता आसत पूण लोकूय आता लोकशायी पद्धतीन खंय खांवक मेळटा थंय खायत आसात.

कोणाक दुशण ना. लोकशायी पद्धतीन खाल्यार जिरवण बरी जाता. ◆◆

भाशेचो संवसार

संवसारांत मनीस प्राण्याकूच उलोवपाचो गूण दिल्लो आसा. हें उलोवप गोड, कडू, तीख, आंबट अशें आसूं येता.

उलोवपाचे स्वर आनी आलापूय तरातरांचे आसूं येतात.

उलोवपाची घनतायूय वेगळी वेगळी आसूं येता. थोडेजाण पुटपुटलेले भाशेन उलयतात, थोडे घुस्मटलेले भाशेन उलयतात. कांय जाण दुसऱ्याक आयकूंक येता, पूण तिसऱ्याक आयकूंक येना इतल्या आवाजांत उलयतात. थोडे आड्डून उलयतात.

उलोवपाप्रमाण मनीस एक हांसपीय प्राणी. थोड्यांक चड हासूंक येना. स्मित करपाइतलेंच तांचे हांसप आसता. तर कांय जाण एक मजली, दोन मजली, तीन मजली अशे हांसतात.

उलोवपावेल्यान मनशाचें काळीज कळटाच अशें ना. गोड उलोवपी मनशांचें काळीज काराथें कशें कोडू आसूं येता. तर तीख उलोवपी मनशाचें काळीज गोडा कुडक्याभशेन आसूं येता. कांय जाणांचें काळीज गोडूय न्हय, कोडूय न्हय तर पावा कुडक्याभशेन आसता अशें सांगतात.

मनशाच्या उलोवपापसून भासो निर्माण जाल्यो. आवयकडल्यान जी भास शिकतात ती आवय भास आसता. गोंयकारांची आवयभास कोंकणी अशें मानतात पूण कोंकणी आवयभास आसून पसून सगळ्योच आवयो आपल्या भुरग्याकडे कोंकणी उलयताच अशें ना. कांय इंग्लीश उलोवचो प्रयत्न करतात. जमना थंय कोंकणी उतरां घालतात.देखीक :

चवथ is coming. I am making नेवऱ्यो for elephant god.

हे भाशेक कॉंग्लीश भास अशेंय म्हणटा.

गोंयकारांची आवय भास कोंकणी आनी ते दीस-रात कोंकणी उलयतात. तरी गोंयकारामदें जे मराठीवादी आसात तांका आपली

आवयभास मराठी अशें सांगूंक अभिमान दिसता. शिवाजी राजामुखार एक सुंदर बायलमनीस पकडून हाडून उबी केली तेन्ना शिवाजी राजान म्हळें खंय "इतली सुंदर म्हजी आवय आसता जाल्यार हांवूय कितलो सुंदर दिसपाचो!" अशी भावना मराठीवाद्यांची मराठी बद्दल आसा.

कांय जाणांक दोन आवयभासो आसतात. हे समन्वयवादी आसतात. एका आवयभाशेपरस दोन आसलेल्यो बऱ्यो. एकली पाळण्यांत घालता. दुसरी हाण्डीर घेता.

खरें उलोवप आनी फट उलोवप अशे दोन प्रकार आसात. त्याभायर भास घुंवडावप असो आनीक एक प्रकार आसा. ताका इंग्लीशींत 'स्पिनींग' म्हणटात. प्रगत राष्ट्रांनीं प्रगत भास उलोवप्यांक आपूण फट मारता अशें सांगूंक लज दिसता. भास 'स्पिन' केल्या अशें सांगून तें स्वताचें समाधान करून घेतात.

कांय जाण थोडे उलोवपी आसतात तर काय जाण कामापरस उलोवप चड करतात. हांका भाशणाची गोडी चड आसता. तांका वक्ते अशेंय म्हणटात.

भाशेचे अलंकार जायते आसात. गजाली, खबरो, चकाटां, फकाणां अशेय प्रकार आसात. गद्य आसा काव्य आसा. भास कशी सजोवची हे मनशाच्या ओंठाचे आनी हाताच्या बोटांचे काम आसा. भाशेचो संवसार हो ताका लागता. हेर प्राण्यांक लागना. भास आसा म्हूण मनीस प्राणी सुखी आसा. भास ना म्हूण हेर प्राणी सुखी आसात.

◆ ◆

बरोवप्याचें आत्मचरित्र

आमच्या गोंयच्या बरोवप्यांनी हेर जायतें बरयलां जायत पूण आत्मचरित्रां बरोंवक नात. आदल्या काळार एक-दोन बरोवप्यांनी बरयल्यांत पूण तीं आदल्या काळावेलीं. आतां काळ बदल्ला. आतां आपूण तुस्त करीना जाल्यार दुसरो करचो ना म्हूण बरोवप्यान आत्मचरित्र बरोंवक घेतलें जाॅल्यार तांतूंत आत्म-तुस्त चड आसूंक जाय.

गीतेंत ही तुस्त कशी आसची हें सांगिल्लें आसा. गीता बरोवन काडटल्यान श्रीकृष्णाच्या तोंडांत हीं उतरां घाल्यांत.

"ह्या जगांत म्हजेपरस श्रेष्ठ कोण ना. बुदवंतांची बुद्द हांव आसां, पराक्रमी लोकांतलो पराक्रम म्हजेकडे आसा. म्हजें व्हडपण मानिनात ते मूर्ख आसात. ज्योतींत हांव सूर्य, नक्षत्रांत चंद्र, देवांत इंद्र, रूद्रांत शीव, रूखांत पिपळ, पर्वतांत मेरू, देवर्शींत नारद, गंधर्वांत चित्ररथ, नागांत शेष, हतयांमदे ऐरावत, रानांत रावतल्यामदें शींव, आकाशांत उडटल्यामदें गरूड, असो हांव सर्वश्रेष्ठ आसां."

बरोवप्यान आत्मचरित्रांत अशी बडाय मारूंक जाय. युद्धाच्या ऐन प्रसंगार श्रीकृष्णाक अशीं बातां मारचेली सवड नासली पूण गीता बरयतल्यान आपली अक्कल वापरून आत्मतुस्तीचो नमुनो गीतेंत आमच्या मार्गदर्शनाखातीर घाला आसूं येता.

तांकीचे बरोवपी आत्मचरित्र कशो कायलोळ्यो करून बरयत हें सांगू नज. तरी आसतना आत्मचरित्रांलें पयलें प्रकरण बरोवप्याच्या बालपणाचेर आसतलें अशे धरूं येता.

बरोवप्याचें बालपण कठीण गेलें ना तरी आत्मचरित्रांत तें कठीण वचूंक जाय. कोणाकडल्यान तरी पीडा-पीड जाल्ली आसूंक जाय आनी समाजीक अन्याय घडिल्लो आसूंक जाय. आत्मचरित्राचें अशें मुळावण घाल्यार "भोंगू बावड्याचे" अशें म्हणपासारकी सहानुभुती बरोवप्याबद्दल वाचप्याच्या मनांत उप्रासता. पिडपी चड तितले आत्मचरित्र

काळजाक भिडपी चड.

चडशा बरोवप्यांचो सभाव कोल्ली आसता. ताका लागून ते आपल्या आंगार अरिश्टां ओडून घेतात. पूण आत्मचरित्रांत कोल्याचे बुद्दीन हें कोल्लीपण धापून वेल्यान हेरांक दुशण दीत रांवक जाय.

बरोवप्यान आपलीं प्रेमप्रकरणां जशाचीं तशीं सांगूंक फावना. दाखय-लिपय करीत आनी निव्वळ वासनेचें पसून पवित्र प्रेमांत रुपांतर करीत आपल्या प्रेमप्रकरणांचें उदात्तीकरण करूंक जाय.

प्रचंड प्रतिभेचे बरोवपी केन्ना केन्नाय व्हड लफडीं करतात. आत्मचरित्रांत तांका निव्वळ प्रेमाचें रूप दिवंक जाय. शृंगार रसान ती सोबोंवक जाय. स्वैर वागप ही साहित्यीक गरज आसता अशें दाखोवन विकृतीक पसून उच्च संस्कृतीचें रूपडें घालूंक जाय.

बरोवपी बरयता तसो प्रत्यक्ष वेव्हारांत आसूंक जाय अशें ना. गाढ पंडीतावरी बरोवपी वेव्हारांत नाड आसूं येता. गोड गोड बरोवपी सभावान तीख आसूं येता, देखदिणीं नाटकां आनी भावनाप्रधान कथा बरोवपी खाजगी जिणेंत मस्तो आनी आडांगी आसूं येता. साहस कथा बरोवपी चार-चौगांत वावुरतना अबर्गत आसूं येता. बरोवप्याचे बरोवपाचे गूण म्हत्वाचे आसतात. ताजी खाजगी जीण न्हय. अशा वेळार बरोवप्यान खाजगी जिणेकडे आड नदर करून आपल्या बरोवपांतले बऱ्यांतले बरे गूण वाचप्यांचे नदरेक हाडून दिवंक जाय.

आत्मचरित्रांतलो एक सबंद च्याप्टर बक्षिसांचेर आनी पुरस्कारांचेर आसूंक जाय. खटपट करून पुरस्कार मेळोंवक जाय आनी तांचे भरपूर वर्णन आत्मचरित्रांत आसूंक जाय. बरोवप कमी करून बरोवप्यान पुरस्कांराच्या खटपटीक लागूंक जाय. पुरस्कार ना जाल्यार नमस्कार ना हें दरेक बरोवप्यान मतींत दवरूंक जाय. पुरस्कार मेळप कठीण न्हय पूण खटपट केल्ली आसूंक जाय. आत्मचरित्रांत मात आपल्याक सहज पुरस्कार कशे मेळ्ळे, त्या पुरस्कारा मानान आपलें बरप कशें सरस हाचें वर्णन आसूंक जाय.

आत्मचरित्र चडशें जिणेचे सांजेच्या वेळार बरयतात. पूण भुरगेपणांतूच पुरस्कार मेळोवन प्रख्यात जाल्लो बरोवपी आसत जाल्यार

तें सकाळच्या वेळार जांव दनपारच्या कडार बरोंव येता.

आमचे भाशेंत म्हणपा सारकी आत्मचरित्रां नात. तेन्ना कोणे तरी बरोवप्यान बेगीन आत्मचरित्र बरोवन तें उजवाडाक हाडूंक जाय. आत्मचरित्रांत तेफळां आसत जाल्यार तें अदीक रूचीक जाता हें मतींत धरून बरयल्लें बरेशें आत्मचरित्र बेगीन उजवाडाक येतलें अशी आस्त धरूया.

◆◆

मटको

क्रिकेट हो आमचो राष्ट्रीय खेळ मानपाची एका वेळार परिस्थिती आसली. पूण आतां क्रिकेटींत जायरातबाजी चड जाल्ल्यान आनी मॅच-फिक्सिंगचो दाग लागिल्ल्यान ह्या खेळाची पत खुपूच उणी जाल्या.

आयचे आमचे क्रिकेटचे खेळगडे जायरातींत जितलें जोडटात तितलें खेळांत जोडिनात. जायरातींनी जीं नाडेपेन्नां करून दाखयतात तीं जर खेळांत करून दाखयल्लीं जाल्यार इतलो मार पडचो प्रसंग येवचो नासलो. तसो तो परकी खेळ आमचे संस्कृतायेंत बसना. तो सांघीक असो खेळ न्हय. फुटबॉलाफाटल्यान तरी सगळेच एका बराबर धांवतात पूण क्रिकेटींत एकलो पिडो कशी बॅट घेवन रावता आनी हेर जाण बॉल पळेत रावतात. हांतूंत संघभावना उणीच आसता. हो इंग्लीश लोकांचो खेळ. पूण एका नावारूत्या इंग्लीश बरोवप्यानूच अशे म्हळां की हो पिशांचो खेळ आनी पळेतलेय पिशेच! दीसभर जांव पांच पांच दीस एक सारकी क्रिकेट मॅच पळेत रावप हांतूंत रिकामेपण आनी निकामेपण दिसून येता.

खरें म्हळ्यार, आमचो राष्ट्रीय खेळ म्हळ्यार मटको. मटको खेळपी आमच्या देशाक जें चैतन्य दिता तें आनीक कोणूच दिता सो दिसना.

मटको खेळतल्यांचो आंकडो आमच्या देशांत बरोच व्हड आसा. ल्हान-व्हड, शिकिल्ले ना शिकिल्ले, दादले-बायलो, मटको खेळटात. मटको हो खेळूय आसून धंदोय आसा. तसोच तो एक मनभुलवणो उद्योग आसा.

मटको खेळप हो गुन्याव आसा असो मटक्याचे दुस्वासी दुस्मान प्रचार करतात पूण ताका लोक मानूय दिनात आनी मतूय दिनात

सरकारूय केन्ना केन्ना मटको खेळप गुन्याव म्हणटा पूण मटको चलूंक दिता.

सत्तेर येवपाक आनी सत्ता राखपाक सरकार जे जुगार खेळटा तांका लागून सरकाराकूय दुसऱ्याक बोध करचेलो अधिकार उरना.

मटक्याक सरकाराची भितरल्यान अनुमती आसाशी दिसता. जंय प्राप्ती थंय सहमती जांवक वेळ लागना. वयर पसून सकयलमेरेन हप्त्यांची प्राप्ती जायत आसत जाल्यार जप्तेचें राजकारण कित्याक अशें सरकाराचें शाणेपणाचें धोरण आसूंक जाय. अदीं मदीं सरकार मटको बंद करूंक कडक उपाय घेता काय दिसता पूण हप्ते वाडोवन मेळटकूच सगळें आदलेभशेन सय-सलामत चलता.

मटक्याक एक आदर्श आचारसंहिता आसा. हो धंदो पुराय विश्वासाचेर चलता. इतलो की हेर धंद्यानी आदर्श मानपासारको! सय केल्लो बँकेचो चेक एकवेळार फाल्स जायत पूण सय नाशिल्ली पसून मटक्याची स्लीप पुराय विश्वासाची! स्लिप मेळ्ळी म्हणटकूच मागीर लीप हुस्को ना. इतलेंच कित्याक फोनार पसून मटको लायलो जाल्यार कसलोच भंय ना. असो नेक धंदो हो एकूच आसतलो.

मटको जेन्ना गोंयाक नवखो आसलो तेन्ना तो 'चोरी चोरी छिपके छिपके' चलतालो. पूण मागीर भीड चेपली तसो तो बरोच धीट जालो.

सुरवेक मटको जरी थोडो-भोव गुपीतपणान वावुरतालो तरी तो आतां बरोच उक्तेपणान चलता. देखीक, मटक्याचो नंबर बावन आयलो जाल्यार, पांच मेले, दोन जखमी अशे सांकेतीक भाशेंत आदी मटक्या नंबराची खबर दिताले. आता "बावन आयलो, चोपन लायिल्लो, दोन नंबरांक चुकलो" अशें व्हडान भर बाजारांत सांगतना आयकूंक येता. आदीं मटको लावपी कांय गणीत तज्ञ आनी कांय थोडे गुणेस्त आसले. आता हें शिक्षण सर्रास जालां. रेंदेर आनी पदेर, गाडेकार आनी पाडेकार, शेतकार आनी नुस्तेकार, उलोवपी आनी बरोवपी, पसरकार आनी पत्रकार, भेद-भाव सोडून सगळे मटको लायतात आनी मटक्या नंबराची चार-चौगांत चर्चा करतात. दुकानानीं तसो गाड्या-गाड्यांनी,

खोपीनीं तसो लॉजानीं, पाट्यार तसो तिट्यार, बार्रार आनी सगळ्या तेर्रार मटको चलता. मटक्यान सगळ्यांचीं काळजां काबीज केल्यांत. गरीब-गिरेस्त होय भेद मटक्याक लागना. वयर-सकयल, मुळाक आनी तळागाळाक मटको पावला. जांचो बुडकुलो भरला तेय मटको लायतात आनी सांजेक कितें असो विचार पडलेलेय सांजेक मटको कितें येत ह्याचो विचार करतात. आतां तर दनपरा आनी रातीकडे अशो मटक्याच्यो दोन आवृत्ती भायर सरतात.

आदी कांय वर्तमान पत्रांनी मटक्याचीं मोघम अदमासपत्रकां छापून येताली. आतां मटक्याचीं खेरीत दैनिकां आनी साप्ताहिकां छापून येतात. मटक्याचें मौलीक 'लिटरेचर' वाडत आसा.

मटक्याक समाजीक लागणूक आसा. गरिबांकूय तो लागता, मध्यमवर्गाकूय लागता. वेल्या-पेल्या सगळ्या वर्गाक तो लागता.

सट्टो, सोर्ती, शेअर हे त्या त्या वर्गाचे थेर, काझिनो तर ताचेय फुडलो नमुनो. सर्वसामान्यांक थंय कसलोच मान ना. त्या मानान मटको सर्व वर्ग समभाव राखपी. सगळ्यांचो मान राखपी. गरीब दुबळ्यांचे पसून मन आनी मान राखपी. मटक्याक ल्हान व्हड, बायल दादलो असो भेदभाव ना. नुस्तेकार जे रूचीन मटको लायतात ताचे परस अदीक रूचीन नुस्तेकारां मटको लायतात. मन रमपाचें साधन म्हणुनूय मटक्याकडे पळोवंक जाय.

दीसभर उतळताप काडटात तांचे मटको हें सर्वमान्य विसवस्थान आसा. जांका मोगी मनशांचो विरह जाला तांचे तें विसरस्थान आसा. अविश्वासी लोकांमदें सांपडलेल्यांक तें एक विश्वासस्थान आसा. संवसारतापांत जळपल्ल्यांचें तें थंडाय स्थान आसा. सपनाळ्यांचें तें सपनस्थान आसा. वेवसायांत फटको बशिल्ल्यांक मटको हें एक आदारस्थान आसा, रोजगार नाशिल्ल्यांक तें एक स्वयंरोजगार स्थान आसा. मटक्यान अशांत जिवांक शांती दिल्या आनी गांवांत क्रांती घडोवन हाडल्या.

इश्टांचे अनिश्ट वागणुकेन मन निरशेल्लें आसत, हितशत्रूंच्या करण्यांनी मन वैतागलेलें आसत, पाड मनीस जर पिडटात आसत,

फटींग जर फटयतात आसत, अविश्वासी लोकांचो जर गराडो पडिल्लो आसत जाल्यार तांतल्यान वाट काडून मनाची शांती मेळोवंक आनी जिणेक उर्बा हाडूंक मन लावन मटक्याचे नंबर लावपाइतलो दुसरो बरो मार्ग ना.

◆◆

नवें गोंय

पणजे येवन पणजेचो मोग केलो ना अशा मनशाक मनीसपण ना म्हणचें पडटलें.

पणजेचें आदलें नांव "पायणींत."पुर्तुगेज उच्चाराक लागून तें "पांयजीं" जालें, इंग्लिशींत तें "पंजीम" जालें. आतांच्या सरकाराक "पणजी" हें नांव अदीक सुसंस्कृत अशें दिशिल्ल्यान सरकारान "पणजी" हें नांव अधिकृतपणान मानून घेतलें.

पाणंद जांव पाणंदी म्हळ्यार खेड्यांतल्यान जांव शेतांमदल्यान काडलेली वाट. आदल्या काळार पणजे गांव वसलेलो नासलो. हेर गावांक वच्ची थंय वाट जांव पायण आसली.

पायणींतलो मोग कसो आसता हें जांका कळटा तांका पणजेचो मोग कसो आसत तें कळटा.

आमचो गांव म्हळ्यार व्हडले गोंय जांव पोन्ने गोंय. गोंयची पोन्नी राजधानी. पणजेक पुर्तुगेज नवी राजधानी म्हूण नवें गोंय म्हणटाले. तेंच नांव पणजेक योग्य कशें दिसता

खुद्द पणजेंतूच रावतल्याक पणजेचो कितलो मोग आसत तें कळना, पूण आमचो गाव पणजेच्यान धा-इकरा किलोमिटरांचेर आसा. तितलें अंतर मोगांत पडपाक पुरो शें आसता.

नोकरे निमतान पणजेंत विशेक वर्सां येवन वचून राविल्ल्यान पणजेचो म्हजो मोग वाडलो तो आजून विसरपा इतलो सुटूंना. कसलें तरी निमित्य काडून पणजे वचून येवचो पडटा.

पणजेच्या वेगळ्या वेगळ्या वाटारांचीं नांवां आदीं निसर्गीक आसलीं. मळ्यांत, भाटल्यांत, कोर्तींत, मानशेर, आल्तिन, कांपाल, चिंचेकडे, सावरीकडे, झरीकडे, पाटयार, चार खांब्यांनीं अशें तरेचीं तीं नावां सोबसारखी आसलीं. आतां रस्त्यांची नांवां चड जाल्यात. थोड्या रस्त्यांक तारखांची जाल्यार थोड्या रस्त्यांक मनशांची नांवां पडल्यात. तीय नांवां संबंद उच्चारूंक कोणाक उसर्पत ना.डी.बी मार्ग, ए.बी मार्ग

अशें म्हणूंक लागल्यात.

पणजेच्या रस्त्यांनीं आदीं आतांचे इतली एरादारी नासली. तेन्ना सायकलीन पणजेभर भोंवक मेळटालें. आतां सायकलीक वाट मेळना.

व्हडल्या शारांसारके पणजेचे रस्ते चड रूंद न्हय. तांतूंत उबे आनी आडवे रस्ते चडंशे सारकेच. पूण पायांनी आनी सायकलीन भोंविल्ल्यान ते लागचे कशे दिसताले. तांचेबद्दल आपलेपण आसलें. रस्त्यांतल्या माणकुल्या फोंडकुलांबद्दल पसून अपुर्बाय दिसताली. तांका वाटोवन सायकल चलोवंक मजा येताली.

तांतल्या तांतूंत पणजेचो कांपाला कडलो रस्तो प्रशस्त. रस्त्याच्या दोनूय कडांनी वाडिल्लीं झाडां माथ्यार पालोव धरतात काय दिसतात. तांच्या तेंगशांच्या माथ्यार मागो काडिल्लेवरी वळ जाल्ली आसता. रस्त्यार पडलेलें फोंडकूल पसून पोल्यार पडलेले खळगे सारकें दिसता. दोनाय अर्दांक फॉरेस्टाच्यो बागो बऱ्यो सोबतात. एका अर्दांक स्पोर्टस कॉम्प्लेक्स आनी कला कॉम्प्लेक्स जाल्यार दुसऱ्या अर्दांक मुलकी आनी मिलिटरी कॉप्लेक्स रस्त्याक राखतात काय दिसतात. मिरामारची वेळ वेळ-काळ विसरूंक लायता. मांडवीच्या वेल्याकांठार रेयस-मागचो कोट आनी पर्वरचो पर्वत छत्र धरतात काय दिसता.

मांडवीचे मांडयेर पणजी वसल्या आनी सुशेगाद बसल्या काय दिसता. मांडवीच्या पात्रांत बार्जी संथपणान भोवतना जांव शृंगारून पर्यटकांक भोंवडायतना दिसतात. अर्दी-मर्दी फेरीबोटी फेरयो मारतात. मांडवीवेले दोन पूल पणजेक अपुर्बायेन वेंगांत घेंवक सोदतात काय दिसतात. आदिलशाहाची पलास आनी नाव्हेगासांव आदल्यो यादी जागयतात.

रायबंदरचो पाटो एके रातीन आनी एके वातीन बांदलेलो, तेन्ना कसलो उत्सव आसलो कोण जाणा! टेंडर पांडवांनीं घेतिल्लें म्हणटात. पणजेचें काळीजूच 'टेंडर' आसलेल्यान हांगा कोण कोण टेंडर घालीत सांगू नज.

पणजेंत खुद्द पणजेकार त्या मानान कमी. पासय मारून वचपी चड. शेनवारा आनी आयतारा पणजेच्या पासयांक कसलोच वेवसाय

नासता.

मांडवीचे देगेर आदिलशाहाचें पलाशेंत आदीं विधानसभा आसली. थंय मोटरींची आनी मंत्र्यांची आडखळ खूपूच जाताली. आतां ही सभा पर्वरे हालयल्ल्यान हांगा आदली थंडाय आनी सवस्तकाय आयल्या.

आल्तीन वाटार पणजेक उंचाय दिता. हो आल्त लोकांचो वाटार. मंत्र्यांचे निवस, भिस्माची पलास, पुलीस आनी लश्करी आवास, हांका लागून ह्या वाटाराक बरीच प्रतिष्ठा आसा. त्या भायर आतां थंय तंत्रशास्त्र आनी वास्तूशास्त्र हांची विद्यालयांय आसात. आकाशवाणी हांगा आदी राणी कशी सोबताली. पूण तिचें चडशें राज्य आतां लागींच आसलेल्या दूरदर्शनान जिकून घेतलां. जायते कलाकार आनी साहित्यीक ह्या संस्थांक लागून हांगा पावतात. इतलें सगळें ठाक-ठीक आसून पसून हांगा हालींमेरेन मंत्र्यांच्या निवासस्थाना लागींच मानसोपचाराचें "मानीकॉम" आसलें. आतां मंत्रीय चड जाल्ल्याक आनी सगळ्यांक आल्तिनार जागो नाशिल्ल्यान ते जळीं-मळीं शिंपडल्यात. मानीकॉमूय बांबोळे हालोवची तजवीज जाल्या.

हांगा मारूती गडार मारूतीचें देवूळ आसा तर दुसऱ्या अर्दान देंवतेर महालक्ष्मीचें देवूळ आसा. फुडें मशीद लागता आनी ताचेफुडें भव्य इगर्ज दिसता. पणजेक भक्तीभाव आसा तसोच सर्वधर्मसमभाव आसा.

व्हड शारांसारको पणजेंत चकचक-झगझग नासूं, जांव मळबाकडे लाग करूंक सोदपी इमारतीय नासूं, पणजेक शालीनता आसा.

ओंठाक हय न्हय सो रंग लावन, आंगार चेर शिपडून, माथ्यांक फुलां माळून, केन्ना साडी केन्ना स्कर्ट नेसून, चड सुटलेली न्हय चड बारीक न्हय, भिडेस्त पूण मान सकयल घाल्ली न्हय, हांसपी, खेळपी पूण नाचरी न्हय अशी ही नगर-सुंदरी आसा.

तिच्या पोल्यार काश्मीरचो गुलाब नासत, मुखामळार दिल्लीचो रूबाब आनी भपको नासत. मुंबंय सारक्या शारांचे शरिरार रंग नासत, दक्षिणेचो तीव्र गंध नासत जांव उत्तरेचे ढंग नासत आमका ती जाय

कशी आनी जाय तशी आसा.

सुण्यांचो गुणधर्म

सुण्यांची जात प्रामाणीक आसता अशें मनीस जात सांगता. आपलें जातीकडे तुळा करून मनीस जात अशें सांगता आसूंये.

सुणें प्रामाणीक खरें. पूण तें कोणाचें हाकाय म्हत्व आसता. तें व्हड फुडाऱ्याचें आसूं येता, गिरेस्ताचें आसूं येता, गरिबाचें आसू येता, कवीचें आसूं येता, कसायाचें आसू येता, ए.सी.रूमांत न्हिदतल्याचें आसूं येता, जांव फुटपाथार न्हिदतल्याचें आसूं येता.

रामदास स्वामीन म्हळां "समर्थाचिया घरचें श्वान। त्यासी कोण न देती मान।"

समर्थ म्हळ्यार मनान समर्थ, तनान समर्थ काय धनान समर्थ असो प्रस्न पडूं येता. पूण अणभवान अशें दिसता की मनान समर्थ ताच्याच सुण्याक मान दिवचो पडटा. काश्टेन भोंवतल्यां रामदासाक लोक समर्थ रामदास स्वामी म्हणूंक पावले हाचेवेल्यान कोण समर्थ तें कळटा.

म्हज्या एका कफल्लक कवी मित्राकडे काली नांवाचें, काळ्या रंगाचें एक सुणें आसलें. रंगान काळें किट्ट सुणे केन्ना केन्नाय गोरे पिठ्ठ बायले सारकें सुंदर दिसता. जात, कात कितेंय आसूं, मन सुंदर थंय सोबितकाय आसता.

हो म्हजी कवी मित्र कफल्लक जायत पूण मनान गिरेस्त आसलो. आंकवार आसलेल्यान जांव गुणेस्त आसल्ल्यान तो एकोडो पडलेलो म्हूण देवानूच कालीक ताचो सांगात करूंक धाडिल्लें म्हणूं येता हें सुणें ताका खंय तरी वाट चुकून मेळिल्लें. हो म्हजो कवी इश्ट जेन्ना मरणाचे धडेक पावलो तेन्ना ताणें म्हाका म्हळें "हांव वतकूच कालीचें कितें जायत कळना. ताका तुजेकडे व्हर. मागीर म्हजो एक सोयरो पेडण्या रावता ताचेकडे व्हरून ताका दवर."

तो गेलो आनी काली आमगेर आयलें. ताका वर्स-देड वर्स हांवें

म्हज्या घरा दवरलें. आमच्या खेडेगांवांत सुण्यांक वाऱ्यार भोंवपाची मेळकीक आशिल्ल्यान ताका दोन-तीन पोरांय जाली. तीं सोबीत दिसतालीं म्हूण आमच्या गांवच्या कांय गिरेस्तांनीं ताका मागणी घाली. हांवें तांका तांच्या घरांनी दिलीं. पूण सुखी दिसलीं ना. अर्द पोटी, उपाशी किडकिडकीत दिसूंक लागलीं तेन्ना जीवाची तळमळ जाली. सगळेच गिरेस्त मनान समर्थ आसतात अशें ना. दुसऱ्याक दिवपाक तांका कळना आनी सुण्यांक पोसपाक तांका समजना.

मागीर कालीक हांवें पेडण्या म्हज्या इश्टाच्या सोयऱ्यागेर पावयलें. तो थोडो भोव शिकारी दिसलो. तागेर आनीकूय सुणीं आसलीं. तो तांका शिकारेक वतना व्हरतालो. ताका सुणीं पोसूंक कळटालीं. ताचीं सुणीं पसून समर्थ दिसतालीं. कालीं तांचेमदें सोबतालें. देहान तें व्हड आसलें आनी मनान प्रामाणीक आसलें.

दोन वर्सां उपरांत हांव कालीचे खबरेक गेलों. तेन्ना तीं शिकारी सुणीं भोंकत म्हज्या आंगार आयलीं. तांच्या मालकान समजायतकूच तीं ओगी रावलीं. हांव जेन्ना ताच्या घरांत वचून कदेलाचेर बसलों तेन्ना म्हाका "काली खंय?" म्हूण विचारचें पडलेंना. काली धांवत येवन म्हजे मांडयेर बसलें. ताचो देह व्हड आनी जड आसलो. पूण म्हजे मांडयेर तें भुरग्याभशेन बसलें. सुण्यांची जात ही अशी आसता. मनशांची जात मनशांकूच कितें ती समजूं येता.

आमगेर रुपो म्हूण एक सुणो आसलो. ताची आवयूय आमगेरूच आसली. तिणे रुप्याक आमचे घरचे बागेंत जल्म दिल्लो. रुप्याची आवय रस्त्यावेल्या एका अपघातान मेली. रूपान सुंदर म्हूण हांवे ताका 'रुपो' हें नांव दवरलेलें. आवय मरतकूच दोन वर्सांनीं आवय मेल्ले तिथिकूच तो मेलो. मरचे पयलीं कांयच खायना जालो. कितें घडलां तें कळनासलें.

मरतना ताची नदर म्हजे नदरेक लागली तेन्ना तो म्हजी काकुळट करता काय हांव ताची काकुळट करतां तें कळना जालें. ते काकुळटेक वाट दिवपाक आनी मनाचें दुख विसरपाक हांवें एक विमुक्ती गीत बरोवन ताका निरोप दिलो. तो असो:

आतां ना रावचें घुस्पून फाटीं हांगा ।
फुडें सुटके सुर्या पळेता पळे ।।

सोड ही मठी । तोड ह्यो गांठी ।
सुर्याच्याय पेल्यान राज्य तुजें ।।

मायेबंधनाच्यो तोडून ह्यो सरपळ्यो ।
मुक्तदार आतां आसा गांठचें ।।

रुपाक स्वरूप जालें अनावर ।
कुडीची बंदखण सरली आतां ।।

◆◆

चोरयेची विद्या

चोरांचे प्रकार जायते आसात. तामस, राजस आनी सात्वीक अशी तांची सर्वसादारण वर्गवारी करूं येता.

चोरयेची चटक और आसता.

प्रेम चोरून केल्यार अदीक रूचीक जाता अशें जाणकारांचें मत आसा. प्रेमवीरांचे चोरयेचो एक प्रकार तर प्रेमभंग जाल्ल्यांचे चोरयेचोय एक वेगळो प्रकार आसता.

प्रेमांत फटवल्ल्या एका प्रेमवीरान आपले प्रेयसीचीच पर्स चोरली ताचें कथानक ह्या संदर्भान सांगू येता. ही प्रेयसी बदल म्हूण एक पावट दुसऱ्याकडे प्रेम करूंक गेल्ली. ही खबर तिच्या आदल्या प्रेमविराक कळ्ळी. परती जेन्ना ती आपल्या आदल्या प्रियकराकडे मोग करूंक आयली तेन्ना तिका बुद्द शिकोंवक तिका वेंगांत घेतनाच ताणें तिची पर्स फारायली. तीय कमी नासली. दुसऱ्या दिसा ती आपल्या बदली प्रेमवीराक घेवन आयली आनी ताचेकडल्यान ह्या आपल्या आदल्या दादल्याक धोडावन तिणें ती पर्स परती मेळयली. ताका पर्स चोरून तिका बुद्द शिकयली म्हूण समाधान तर हिका ताका बडोवन बदलो घेतलो म्हूण समाधान.

चोरी-मारी मनाक समाधान दिता.

कांय चोर घरफोडे आसतात. हे साहसी आनी धाडशी आसतात. कांय चोर घरावे आसतात. हे आळशी आसतात. घरच्या मनशांचीच खुटयाळ्याक लायिल्लीं कल्सावां सासपून ते आपली गरज भागयतात. सरळ मार्गान मेळयल्ले मेळकती परस चोरून मेळयल्ले मेळकतीचेर चड प्रेम जडटा. तांतूंत आलायतें मेळयल्याचें आत्मीक समाधान आसता.

कांय ज्योतिशांच्या मतान जांचे कुंडलेंत रवी बरो आसता ते राजकारभारांत चोरी करून नशिबवान जातात. शनी बरो आसता ते दरोडे घालून वयर सरतात. गुरू बरो आसता ते चोरून साव जातात

आनी मंगळ बरो आसता ते मंगळसुत्रां चोरतात.

मंगळसुत्रां चोरतल्यांचें वाहन मोटार-सायकल आसता. वाटेन वतल्या मंगळागौरींच्या मंगळसुत्रांचेर तांची नदर आसता. फाटले दिशेंतल्यान येवन ते अचळय मंगळसुत्रांचेर संक्रांत हाडटात. हाचेर उपाय म्हूण नकली मंगळसुत्रां वापरची हालीं प्रथा पडल्या. तरी पसून पती-प्रेम नकली जायत ह्या भंयान आजून जायतीं जाणां असली मंगळसुत्रांच वापरतात. मंगळसुत्रां चोरपीय इतले हुशार जाल्यात कीं कोण असली आनी कोण नकली हें तांका पळेल्या बराबर कळूंक लागता.

दरेक देशांत आनी दरेक समाजांत चोरांची एक खेरीज राजवट आसता. हुकुमशाय आसूं ना तर लोकशाय आसूं थंय चोरांची सासाय आसता. हुकुमशायेंत उघड चोरी आसता पूण लोकशायेंत छुपी चोरी चड आसता. लोकशायेंत चोर आसून साव म्हूण दाखोवची चड गरज लागता. लोकशायेंत वेल्यांची देख घेवन सकयल मेरेन सगळ्यांक चोरपाची बरी सुविधा आसता. लोकशायेंत उच्चार स्वातंत्र्य आसलेल्यान पाशाण पसून हेरांक ब्रह्मज्ञान सांगीत आसता. लोकशायेंत चोरांक साधू जावन भोवचेली सवलत आसता.

आमच्या गांवांत फाटीं एक पावट एक साधू येवन गेलो. खांकेक झोळी, पायांत खडावो, गळ्यांत रूद्राक्षांची माळ, भेस भगवो, वाडयल्लें खाड आनी कपलाक तिळो, म्हूण तो पयशिल्ल्यान पसून साधू म्हूण वळखूं येतालो. तोंडान देवांच्या नावांची रवंथ चलिल्ल्यान तो गायेभशेन गरीब दिसतालो.

तसो तो आस्तीक आसलो. गांवचे कांय बेकार समाजसेवक ताचे प्रचारक जाल्ले. तांका तो फूल ना फुलाची पाकळी प्रसाद म्हूण वांट्टालो. ताचेकडल्यान उपदेश घेतिल्ल्यांक तो फळफळावळ वांट्टालो आनी केन्नाय हातातल्यान बिबूत काडून दितालो. सुरवेक ताणें आपली वसती महालक्ष्मीच्या देवळाच्या प्राकारांत केल्ली. तो एक देवदूत आसा आनी ताका देवदत्त प्रसन्न आसा अशी ताचे प्रचारक कीर्त गायताले. महालक्ष्मीच्या देवळांत ताणें एक-दोन किर्तनांय केल्लीं.

साधूची प्रसिद्धी करतां करतां बरीच वाडली. ताच्या आंगांत सिद्धी आसा, रोगजर्जर मनशाक तो रोगमुक्त करता, पिशांचे तो पिशें काडटा, लक्ष्मीक तो भरभरीत ओडून घरांत हाडटा, घरांत प्राप्ती आनी शांती हाडटा, भुरगीं नाशिल्ल्याक भुरगें दिता, अशी ताची तरेकवार जायरात जांवक लागली.

एका गिरेस्ताच्या घरांत प्राप्ती आसली पूण शांती नासली. त्या गिरेस्तान ताका घरांत शांती हाडूंक घरांतूच आसरो दिलो. तो थंय प्रवचनां करूंक लागलो. भजनांक रंग चंडूक लागलो. जायत्यो शांती ताणें केल्यो. हातांतल्यान शिवलिंग काडून दाखयलें. थंयच तें पुजेक लायलें. घरचीं सगळीं हेर देवांक विसरून ह्या शिवलिंगाक भजूंक लागलीं.

एक दीस मुंबैच्यान आपल्या दर्शनाक एक पुलीस पथक येता अशी विघ्नाची वार्ता ह्या साधूक कळ्ळी. तेच रातीं घरांतले भांगर, वस्ती आनी रोख रक्कम घेवन ताणें आपली बिटकी कवळ्ळी. साधू अदृश्य जाल्ल्याची वार्ता सगळ्याक पातळ्ळी. त्या साधूचें परतून आनीक दर्शन जालें ना.

त्या घरांत आतां शांतीच न्हय, विरक्ती आयिल्ली दिसता.

चोरांचो सभाव एक सारको नासता. तामसी सभावाचे चोर डाके-दरोडे घालतात. राजस चोर राजकारभारांत चोरतात. सात्वीक सभावाचे चोर बाबा-साधू जातात. चोरयेचो मंत्र सांपडलेले महाभाग मंत्री जातात.

खरे जातिवंत चोर स्थितप्रज्ञ आसतात. सगळो संवसार जेन्ना न्हिदता तेन्ना खांपे चोर जागृत आसतात. ल्हान-सान चालंत चोरयांत दीस-रातीचें बंधन नासता. गडगंज चोरयांक मात रातचे म्हूर्त बरे आसतात.

चौर्य विद्या ही एक आद्य विद्या आसा. आदल्या काळार महर्शी शर्वीलकान हे विद्येचें खोलायेन आनी विस्तारान संशोधन केल्लें. अजापाचीं प्रात्यक्षिकांय करून दाखयल्लीं. आतां चोरी खूप प्रगत जाल्ली आसा. प्रगतीशील समाजांत ती सर्रास चलता. अशें आसून पसून हे

विद्येचें जाय तितलें संशोधन जायना.

चोरयेचे विद्येक बरीच कळाशी लागता. अभ्यासान ती आत्मसात करूं येता.

विद्यापिठांनीं आनी ज्ञानपिठांनीं विशेश गुरूपिठां स्थापन करून संशोधन करपासारको हो चोरयेचो विशय आसा. अभ्यासक्रमांत हो विशय आस्पावल्यार शिकतल्यांची बुद्द तल्लख जांव येता. फुडाराक ती बऱ्याक पडूं येता. समाजीक आनी संस्कृतीक संस्थांनी ह्या विशयाचेर कार्यशाळा घडोवन हाडूं येतात. शाळा-बिळांनीं ह्या विशयाचो अभ्यास जांवक जाय. तेच परी अकादमीनीं हेर अवांतर कामां कमी करून ह्या विशयांचें प्रात्यक्षिकांसैत संशोधन करूंक जाय. शर्विलकावरी प्रात्यक्षिकां घडोवन हाडूं येतात. ह्या विशयांत डॉक्टरेट मेळयल्ल्यांची समाजाक सद्या खूप गरज आसा.

◆◆

कंडक्टर

गोंयाक स्वराज्य मेळचे आर्दी शोफेर आनी किलिंडर हांचें राज्य आसलें. आतां ड्रायव्हर आनी कंडक्टर हांचे राज्य चलता. कंडक्टर हो एक बिलिंडर प्राणी आसता.

कंडक्टरांचो कॅरेक्टर सादारणसो सारकोच आसलो तरी तांतूंत वेगळे वेगळे नमुने आसात. एस. टी. कंडक्टर, कदंबा कंडक्टर, इंटर स्टेट कंडक्टर, गोंय राज्य कंडक्टर, टुरिस्ट बस कंडक्टर आनी सगळ्यांत आकर्शक मोडेल म्हळ्यार मिनी-बस कंडक्टर. गोंयचे प्रगतीशील बस स्टँड ह्याच मिनी-बस कंडक्टरांक लागून "शायनिंग बस-स्टँड" जाल्यात.

बस स्टँडाक बस-स्टँड कित्याक म्हणटात तें कळना. "स्टँड" हे अवस्थेंत हांगा कितेंच नासता. सगळी धांवाधांव पेसेंजरांची धांवाधांव आसताच पूण बसी पसून हांगा मोन्यानीं उब्यो रावलेल्यो चडशो दिसनात. एकसारक्यो गुरगुरत फाटी फुडें जायत आसतात. "स्टँडिंग" अवस्थेंत आसतात ते चडशे बसींतले स्टँडिंग पेसेंजर. स्टँडिंग पेसेंजर कितले आसचे ताचो मर्यादेचो आंकडो जरी बशींत एका पत्र्या तक्ट्यार बरयल्लो आसलो तरी मर्यादेच्यो यादी आता फाटी पडल्यात. कंडक्टर जितले पेसेंजर उबे करता आनी जशे उबे करता तितले पेसेंजर स्टँडिंग अवस्थेंत बसींत गच्च भरलेले आसतात. "फाटी सर फुडें सर" "बारीक जा","लायन कर", "कडेक सर", "तेकून राव," "हे वाटेन राव", "ते वाटेन राव"अशें करीत करीत पेसेंजरांक पातळ करून कंडक्टर तांका बसींत भरीत आसता. त्या मानान एस. टी.क आनी कदंबाक कांय मर्यादा पाळच्यो लागतात. खाजगीकरणाच्या कोशांत मर्यादा हें उतरूच नासता.

कंडक्टरांमदें कमींत कमी "कंडक्ट"चें काम करपी कोण म्हळ्यार एस.टी.चो कंडक्टर आनी ताच्या फाटोफाट कदंबाचो

कंडक्टर. खाजगी बसींचे कंडक्टर मात बसी भितर आनी बसी भायरूय कंडक्टराचें काम करतात. पॅसेंजरांक आपले बसीकडे आपोवन जांव वेळ पडल्यार ओडून व्हरपाचें काम हे खाजगी बसींचे कंडक्टर आनी तांतल्या तांतूंत मिनी-बसीचे कंडक्टर बेस बरे करतात.

एस. टी. आनी कदंबाच्या कंडक्टरांक तिकेटी दिवचें तरी बंधन आसा. खाजगी बसींच्या आनी मिनी बसींच्या कंडक्टरांनीं हें कागदी बंधन केन्ना काडून भायर मारलां. पॅसेंजराकडे तांचो थेट सबंद. सगळें उतरार चलता.

एस. टी.चे कंड़क्टर आनी कदंबाचे कंडक्टर हांचें उलोवप कमी. कदंबाचे कंडक्टर तरी पेसेंजराकडे थोडें भोव उलयतात आनी पळेतात पूण एस.टी.चे कंडक्टर चडशे मोन्यानीं आपलें कर्तव्य करतात. हांच्या हातांत तिकेट पंच करचे कसले तरी उपकन्न आसता तें जायत्या कामाक उपकरता. तिकेटी पंच करूक हाचो उपेग जाता तेच परी वाद्यासारको ताचो उपेग पॅसेजरांक जागोंवक आनी तिकेट काडल्या काय म्हूण विचारूंक कंडक्टर करतात तें पळोवन हांचे तोंड वाजना पूण हात वाजतात काय दिसता. कदंब कंडक्टराचें पंचवाद्य त्या मानान कमीच वाजता. अर्दी-मर्दी ते थोडें तोंडूय वाजयतात. बसींत बशिल्ले आनी खेटून उबे आशिल्ले रसीक ताका दाद दितात. एस.टी. बसींचे कंडक्टर थोडे भोव म्युझिक कंडक्टर कशे सोबतात.

कंडक्टर हे सगळे कंडक्टरूच पूण तांतूत तरा आसात. एस.टी.चे कंडक्टर मुमखे जाल्यार टुरिस्ट बसीचे कंडक्टर बोलके. कदंबाचे कंडक्टर कदंब काळ आनी आधुनीक काळ हांचे मजगतले कशे दिसतात. खरे आधुनीक काळचे कंडक्टर म्हळ्यार खाजगी बसींचे आनी मिनी-बसींचे कंडक्टर. एस.टी. आनी कदंबा हीं सरकारी आस्थापनां आसलेल्यान गल्लो सरकाराक आनी बोवाळ आपणाक कित्याक अशें चिंतून हे सरकारी कंडक्टर बोवाळ घालूंक वचनात. खरो बोवाळ आसता तो खाजगी बसींचो आनी मिनी-बसींचो. तांकाच लागून गोंयच्या प्रमुख प्रासांक नित्य जात्रेचें रूप येता. प्रास प्रासादीक दिसूंक लागतात ह्या प्रासांनीं पेसेंजरांक त्रास जांव पूण कंडक्टरांचो ग्रास

बरो आसता. सरकारी आस्थापनांचो ग्रास नळाच्या उदकाभशेन आसता. वयर लोट बरो आसता पूण कंडक्टरांमेरेन पावसर उदक पिची-पिची करून येवचें तसो ग्रास भागत वता.

आदल्या काळचे शोफेर आनी किलींडर श्रमजिवी आसले. कामिंजावाफुडें तांका बरोच वेळ हॅंडल घुंवडावचें पडटालें. हॅंडल घुंवडावप, टायर बदलप, आनी हेर यांत्रीक कामां करचीं पडटालीं. त्यामानान प्राप्ती कमी आसली. आतांचे ड्रायव्हर आनी कंडक्टर धड श्रमजिवीय न्हय आनी बुद्धीजिवीय न्हय. मदल्या मदले लाब जिवी आनी लोभ जिवी कशे दिसतात.

पणजेच्या प्रासाक कदंबा बस टर्मिनस म्हणटात पूण ह्या प्रासार कदंबाचें राज्य चडशें टर्मिनेट केल्लें दिसता. राज्य चडशें चलता तें हेर बसींचे आनी मिनी-बसींचें. तांतल्या तांतूंत ह्या स्टॅंडावेलो मिनी-बसींचो. प्राकार म्हळ्यार जात्रेचो एक सोबीत प्रकार कसो दिसता. हांचे ड्रायव्हर चक्रधर आनी कंडक्टर लीलाधर कशे सोबतात.

मिनी-बसींचो प्रकार म्हळ्यार शायनिंगचोच एक प्रकार. हांगा तरा-तराच्या रंगाच्यो आनी तरातराच्या नांवाच्यो मिनी-बसी प्राकार सोबयतात. तशें मिनी कितेंय आसत जाल्यार अदीक सोबता. गोंयची मिनी-स्टेट म्हूण तिचो पयलो नंबर लागता. णव वारींतले नारी परस मिनी-स्कर्टांतली सुंदरी अदीक "शायनिंग" दिसता.

ह्या प्राकारांत पेसेंजरांची गर्दी सदाकाळ आसता. तरी गर्देची कांय "पीक" वरां आसतात. जेन्ना अशी गर्दी पिकता तेन्ना कंडक्टरांची पंढरी पिकता. पयशिल्ल्या गांवातल्या बसींचो खडतर लांब प्रवास करून पणजेच्या प्रासार आयिल्ले प्रवासी पिकून गळटाशे जाले तरी हांगा पावतकूच ते पणजेच्या प्रवेशदारारूच पाविल्ले आसतात. खुद्द पणजेंत भितर सरूंक तांका मिनी-बसींचो प्रवास भोगचोच पडटा.

तिकेट समान आसली तरी पेसेंजरांचे दोन दर्जे आसतात. बसकेर बशील्ले पेसेंजर आनी उबे केल्ले पेसेंजर. त्या भायर खास दर्जाचे अर्द तिकिटाचे पेसेंजर आसतात. ते विद्यार्थीय आसूं येतात. खास श्रेणींतलेय आसूं येतात, सिनियर आसूं येतात जांव अर्दकुटेय आसूं

येतात. पूण तांचो संबंद अर्द तिकिटा पुरतोच आसता. बसपा-उठपाकडे ह्या दर्जाचो कांयच संबद नासता. खरे दोन दर्जे आनी ते म्हळ्यार बसयलेले पेसेंजर आनी लांबयलेले पेसेंजर.

बसींत बशिल्ले पेंसेजर हे पूर्वपुण्यायेन बशिल्ले आसतात तर उबे आशिल्ले पेसेंजर हे दळडिरे रेशेसकयले कशे दिसतात. फाटीं सर, फुडें सर, तेकून राव, हेवटेन हाल, तेवटेन हाल अशे करून तांचे हाल जे केल्ले आसतात ते दळडिऱ्यांक पसून फावनात.

आदीं लाग करून आपोवप आनी बसींत भरल्या उपरांत प्रवाशांक तापोवप हो मिनी-बस कंडक्टरांचो वाखाणपासारको गूण आसता.

मार्केट, मिरामार, दोना पावल हांच्या नांवान आड्डयो मारीत हे कंडक्टर प्रवाशांक आप-आपले मिनी-बसींकडे धुंवडावंक लागतात. आपोवनूच ते ओगी रावनात वेळ पडल्यार भुजांक धरून जांव हाताक धरून ओडटात.

ह्या मिनी-बसींच्या प्रासार सदाकाळ गर्दी आसली तरी गर्दी पिकपाची खास वरां आसात. सरकारी ऑफिसां सुरू जावचेल्या वेळार खाशेले पीक वर आसता. शाळा कॉलेजां सुरू जातात आनी सुट्टात तेन्ना अमुरपिकीं वरां आसतात.

गोंयांत इश्कोलाच्या आनी कॉलेजीच्या भुरग्यांक अर्दी तिकीट आसलेल्यान कंडक्टर तांका हालोवन, धोलोवन, दामून, चेपून बसींत डबल तिबल भरता.

बसीनीं उबे रावन प्रवास करतल्यांक हेर आनी कसलोच व्यायाम करचो पडना. बांबोळे मेडीकल कॉलेजाकडे बसींत चडून उब्यानीं प्रवास केल्ले दुयेंत पसून पणजे पावसर सरळ आनी तंदुरूस्त जातात अशें म्हणटात. बसीनीं उबें रावन प्रवास करप म्हळ्यार तन दुरूस्त करप आनी मन नादुरूस्त करप.

सगळ्या कंडक्टरांमदें मिनी-बसींच्या कंडक्टराचो केरेक्टर अदीक आकर्शक आसता.

ह्या कंडक्टरांच्या रगतांत समता मुरलेली आसता. बस भरतना हो हेड-क्लार्क, तो प्यून असो भेदभाव ते करीना. ऑफिसांत हैड-क्लार्काफुडें उबो रावतल्या प्युनाक बेगीन आयल्यार कंडक्टर बसींत बसयता आनी उसरां आयिल्ल्या हेड-क्लार्काक उबो दवरता. वेळ पडल्यार "सारको उबो रांवक जायना?" अशें विचारून ताका तापयता. वर्गांत उबो केल्ल्या आडांगी विद्यार्थ्याक तो बसींत बसयता जाल्यार ताच्या टिचराक उबो करता आनी 'मात्सो उबो रांवक कितें पांय वळटा? कित्याक बडबड करता?' म्हूण ताका तापयता. बशिल्ल्या विद्यार्थ्याक आपल्या गुरूकूय वस्ताद कोण तरी सांपडलो म्हूण कंडक्टराबद्दल आदर दिसूंक लागता.

स्त्री आनी पुरूश हांचेमदेंय तो फरक करीना. "युनिव्हर्सिटीक वता न्हय तूं? यो, यो, बस सुट्टा" अशें म्हणून युनिव्हर्सिटीचे विद्यार्थिनीक आपले मिनी-बसीकडे तो घुंवडायता.

संवकळीन कंडक्टर चडशे प्रवासी वळखता आनी तांका आपले मिनीबसींत सुखाचो प्रवास करूंक आपयता.

चलतना मात्सो हात लागल्यार प्रतिष्ठित मनशाचो अपमान जाता आनी विनयशील बायलेचो विनयभंग जाता. पूण आपले मिनी-बसीकडे पेसेंजराक घुंवडायतना कंडक्टराचे हात मायेन इतले थपथपलेले आसतात की ताचो कोणूच मात्सो पसून पात्सो धरीना.

पेसेंजरांक बसींत भरतकूच मात ताचे हात शिवशिवूंक लागतात.

बस भरूंक लागतकूच कंडक्टर बसींत चडून प्रवाशांक शिस्त लायता. असो राव, तसो राव, तेकून राव, हेवटेन हाल, ते वटेन हाल, फुडे सर, फाटीं सर असें करून तो प्रवाशांक हालोवन हालोवन भरता. खंय खांची उरल्यार त्योय भरून काडटा. प्रवासी हालल्यारूय तापता, हालना जाल्यारूय तापता.

गोंयच्या कंडक्टरांक एक वेगळोच स्टँडर्ड आसा. त्या भायर तांचो एक डबल स्टँडर्ड आसा.

प्रासार बस सोडटना तो खूप वेळ काडटा. एक सारकी पिल्लूक वाजयता पूण बस सोडिना. पेसेंजरांक भुलोंवक तो पिल्लूक वाजयता.

बस सोडूंक न्हय. पिल्लूक वाजोवन वाजोवन तो पेसंजराक भुलोवन बसींत भरता, दारार उबे करता. दारार हुमकळायता आनी निमाणे बसीच्या दारार आपूण हाता पायांचे आडामे करून उबो रावता आनी त्या आडाम्या भितर आनीकूय पेसेंजर भरता. कंडक्टराचें पिल्लुकेचें संगीत म्हळ्यार थोडेशें नादब्रह्म आनी चडसो नादभ्रम आसता. खंयच्याय स्टॉपार पेसेंजरांक देवयतना मात तो "बेगीन देव, बेगीन देव" म्हूण आड्डत आसता. ताकतिकेन तांका देवयता. मोटच्या देहाचे दादले जांव बायलो पसून आसल्यार तो तांच्यो पोटल्यो ओडून काडून देवयता. मोटच्या देहांच्या पेसेंजराबद्दल ताच्या मनांत दडलेलो राग आसता.

असो हो बसींचो कंडक्टर म्हळ्यार गोंयच्या मिमिस्टरांपरस पावरफुल कसो दिसता, दोगांयकूय धनाचो लोभ आसा पूण मिनिस्टरांक कंडक्टरा इतली दुसऱ्याक ओडून भितर भरपाची आनी ओडून भायर काडपाची पावर ना.

शिकपांत फाटीं पडिल्ल्या विद्यार्थ्यांनी फुडें पावन गोंयचो मिनिस्टर जावचें ध्येय नदरेमुखार दवरचें आनी शिकपांत कांय अर्थ ना अशें येवजितल्या विद्यार्थ्यांनीं फुडें पावन कंडक्टर जावचें ध्येय नदरेमुखार दवरचें हांतूंतूच तांचे हीत आसा.

◆ ◆

जयू

एक काळ असो आसलो की जायत्या भुरग्यांचे ध्येय बरो शिकून इंजिनियर, डॉक्टर बी जावपाचें आसतालें, आतां कंप्युटर युगांत कांय जाणांक त्या क्षेत्रांतूय नांव कमयनशें दिसता. चड शिकूंक कठीण जाता ते भुरगें आदी वाळेस उरतालें पूण आतां समाजकार्यांत वांटो घेतना दिसता. कांय जाण पक्षांचे कार्यकर्ते जातात. ह्या क्षेत्रांत आता बरो फुडार आसा. संद सांपडल्यार कांय जाण, आमदार, खासदार, मंत्री पसून जातात. पुस्तकांतले शिकप घेतलेच आर्दी चडशें नांव जोडटाले. पूण तशी परिस्थिती आतां उरूंक ना. राजकी क्षेत्रांत तर जितलें शिकप सामान्य तितली ताका असामान्य कीर्त मेळूं येता.

राजकारणांत शिकप म्हळ्यार सगळें न्हय. जाय तितलेंच शिकप आसूंक जाय. हिसपाभायर न्हय. दिसपाइतलीच सभ्यताय आसूंक जाय.अती न्हय. म्हणून जे भुरगे फुडें पावन समाजकार्यकर्ते, राज्यकर्ते अशें कोण तरी कर्ते जावंक सोदतात ते आपल्या शिक्षणांत मदींच खंय तरी खंड घालतात आनी कर्तेपणाच्या वावराक लागतात. ते नोकऱ्यां-फाटल्यान चडशे लागनात. राजकारणांत जांका धंदे थाटपाचे आसतात तांची रूच शिकपांतूय नासता आनी नोकऱ्यांनीय नासता. देशाचे सेवेच्या धंद्यांचीच तांकां गोडी आसता.

कुडका गांवचो जयवंत हो असोच एक कर्तो मनीस. ताका लोक जयू ह्याच नांवान वळखतात. गांवाचें नांव जरी कुडका तरी बांबोळे मेडिकल कॉलेजच्या लागसारचो हो गांव भांगराचो कुडको कसो चकचकता. तसोच जयू भांगराचो मनीस कसो लकलकता.

जयूच्या बापायची नावशें गावांत एक भंगसाळ आसली. आदीं बरी चलताली जायत पूण हालीं आदल्या नांवारूच चलताली. जयू शाळेंतलो अभ्यास करतकूच थंय फावट मारून वेळ सारतालो. रातचो घरा येतकूच ताचें अभ्यासाचेर चडशें मन लागनासलें. हीं कर्तेपणाचींच

चिन्नां आसलीं.

एस. एस. सी. कडेन पावतां पावतां जयून परिक्षेची धास्ती घेतली आनी इश्कॉल सोडून नावशेंच चडशी वसती केली. बापायक जयून इश्कॉल सोडलें तांचे आर्दी वायट दिसलें. पूण थंय तरी तो कितें मेळयतलो आसलो हें येवजून आनी शाळा ना जाल्यार भंगसाळेच्या मदेराचेर तरी ताची आतां बरी नदर आसा हें पळोवन ताणें समादान मानून घेतलें.

कर्तबगार मनशाक शाळेच्यो वण्टी आड येतात. जयूची नदर आतां मदेरारूच नासली, ती खूब व्यापक जाल्ली. नावशेचे वेळेची देग मीरा-मार ते शिरधन मेरेन लांबच्या लांब आसा. थंय पूर्वापार नुस्तें मारपाचो धंदो चलतालो. पूण एदे व्हडले वेळेक इतल्यान समाधान नासलें. बार्जी, नुस्त्या बोटी, होडी, नावो हांचेवरवीं हेर मोलादीक मालूय येतालो. निस्तो नुस्त्याधंदो नासलो. नुस्त्याधंद्याक हो आगळो वेगळो धंदो नवरंगत आनी मेळकत हाडटालो. जयूचे लक्ष अभ्यासाचेर जें लागनासलें तें ह्या धंद्याचेर बरेंच लागूंक लागलें. करतां करतां तो ह्या धंद्यांनी व्हड प्रमाणार भागीदार जालो. कर्तबगार मनशाक संदी कशी आनी खंयच्यान येवन आदळत ते सांगू नज. जयूची मेळकत कल्पनेभायर वाडली. भंगसाळेंतूच ताणे ऑफीस थाटलें. भंगसाळ आता टांकसाळ कशी सोबूंक लागली.

जयूचो बापूय आदले मोदीचो. ताका पुताचें सगळेंच कर्तुप मानवतालें अशें ना. पूण पूत जोडटालो, वगडायनासलो, इतलें तरी समाधान. सरळ मागोन उतळताप सोसून थकिल्ल्या भागिल्ल्या मनशाक धन आयल्यार पुरो. तें खंयच्या मार्गान आयलें ताचे पुरावे सोदूंक आनी ताचेर हुज्जत घालूंक इत्सा उरना. तातूंत मेळत थंय आडवे मार्ग. सरळ मार्गार चलतलो आडावता.

भंगसाळेचीय आवतिकाय बदल्ली. किनळ,नाणो हांचो भरणो आसलो थंय शिसो, सायलो आयलो. व्यापाराक तेजी आयली. जयूक आतां समाजकार्य, धर्मकार्य आनी हेर कार्यां करूंक अर्थीक स्थैर्य आयलें.

समाज कार्यकर्तो म्हूण मान मेळूंक लागलो. माया केल्ल्यान आता कोण कोण जयूक जयूभाऊ, जयूभाई अशेंय म्हणूंक लागले. भाऊ, भाई हीं उतरां मनशाक समाजकार्याच्या आनी फुडें पावन राजकारणाच्या मोगांत पडूंक लायतात. मोगांत 'डार्लींग' उतराक जें म्हत्त्व आसा तें राजकारणांत भाऊ आनी भाई ह्या उतरांक आसा. पुर्विल्ले मुस्तींत एकाद्रें पयसो नासतना राजकारण खेळूंक मेळटालें. आतां पयशांचो पोटलो दाखयलेबगर खेळूंक· बसुंकूच मेळना. जयूची राजकारण खेळपाची बसका आतां साग्र- संगीत तयार जाल्ली.

पंचायतीच्या राजकारणापासून जयून आपली राजकी बैठक तयार केल्या. देशसेवा करचे आदीं अणभव म्हूण खेड्याची सेवा केल्यार फुडाराक राज्याची जांव राष्टाची सेवा करूंक बऱ्याक पडटा. जशी पंचायत तसो देश काय जसो देश तशी पंचायत हें सांगूंक कठीण. पूण जें पिंडी तें ब्रह्मांडीं ह्या न्यायान पंचायतीच्या अणभवावेल्यान देशाच्या राजकारणाचो अणभव थोडो भोव तरी येता. पंचायतींत अविस्वास आसा तसो पार्लमेंटातूय आसा. हांगा अविश्वासाचे ठराव येतात तशें थंयूय येतात. हांगा पंचखाद्य वांट्टात तशी थंयूय वांट्टात. हांगा ग्रामसभा तशी थंय लोकसभा. हांगा नुस्त्या-बाजार तसो थंयूय तेच धर्तेर बाजार भरता. रस्त्यांचे आनी बांदावळीचे कॉन्ट्रेक्ट हांगा ल्हान प्रमाणार आसात पूण प्राथमीक शिक्षण मेळटा. कितें केल्यार कामां जातात आनी बरीं कामां पसून कित्याखातीर अडटात तें पंचायतींत समजून घेवं येता.

जयूच्या उलोवपांत आदलीच गोडी आसा. पूण पंचायतीचे वेंचणुकेक उबो रावतकूच तांतली गोडी अदीकूच कळूंक लागली. तो भाशणां थाटान करूंक लागलो. भावांनो आनी भयणीनो असो साद घालपाची साथ ताकाय लागली. वाड्या वाड्यांनी वचून ताणें भाशणां केली. दान धर्म केलो. धर्मकार्याक आनी समाजकार्याक हातभार लायलो. प्रचाराक कार्यकर्ते तयार केले. मोटारींनी भरून भरून मतदार केंद्राचेर पावयले. दाबून पयसो खर्च केलो आनी तो सहज वेंचून आयलो. पडिल्लो जाल्यार पयसो खर्च केल्लो वेर्थ वचपाचो. पूण जयू पडपी न्हय. तो बऱ्याच मतांनी वेचूंन आयलो आनी केल्लो खर्च दुपेटीन तिपेटीन

भरून आयलो. चार- पांच वर्सा ताणे पंचायतींत काडलीं तेन्ना चार-पांच पटीन फायदोय जालो.

जेन्ना पयलीच पंचायती राज्याची कल्पना मांडली तेन्ना जयूसारके हुशार मनीस पंचायतींत पावतले अशी एकाद्रे कल्पना नासली जावये. ते दीस खादीचे आसले. खा आनी दी चे नासले. आतां देशान भेसूच बदल्ला. हे असलेच हुशार मनीस थंय पावतात.

जयू आतां विधानसभेचे वेंचणुकेचे तयारेक लागला. विधानसभेची मुजत सोंपपाक तसो वेळ आसा. पूण आतांच्यो विधानसभा केन्नाय भंग जावं येता. म्हूण तो आतांपसून तयारेक लागला. जयूचे धंदे बरे चल्ल्यात. भंगसाळूय बरी चलता. भंगसाळ म्हळी तरी विधानसभेसारकी ती अदी मर्दी भंगना. खरें म्हळ्यार, विधानसभेकूच भंगसाळ म्हणची पडटा.

जयू सध्या पक्ष सोदता. तशे येवन वचून सगळे पक्ष सारकेच. केन्ना पक्षांतर करचें लागत तें कळना. पूण ज्या पक्षाकडेन वेचणूक निधी चड त्या पक्षामार्फत वेचणुकेक उबो रावप हिताचें अशें तो मानता आनी ते नदरेन ताचे प्रयत्न चलतात.

खंयच्याय पक्षामार्फत जयू वेंचणुकेक उबो रावूं तो पडपाचो ना. जिखून येतलोच अशी ताकां शंबर टक्के खात्री आसा. पंचायतींत आसतनाच ताणे बुन्याद घट घाल्ली आसा. पक्षापरस लोक व्यक्तीक मत दितले. व्यक्ती म्हूण जयू जयवंतूच आसा. नांवानूय न्हय तर करण्यांनीय.

जंय जयू आसा थंय जय आसा आनी जंय जय आसा थंय जयू आसा.

◆◆

हिम्मतवान कांता

जोडप आनी मोडप हे संवसारांत सर्रास चलिल्लें आसा. "हाडली पड, खाल्ली पड " असोय एक वर्ग आसा आनी "हाडली पायली आनी खाल्ली पड" असोय एक वर्ग आसा. कांय जाण जोडपा मोडपा कडे ताळमेळ घालीत आसतात.

पूण हातूंत आकर्शक वर्ग दोन आसात. भोगी आनी फोल्गी आनी दुसरो वर्ग म्हळ्यार हिमटे आनी चामटे. हिमट्या चामट्यांचो वर्ग म्हळ्यार तांतल्या तांतूंत सगळ्यांत आकर्शक.

कांता हो असोच आमच्या गांवच्या फिरंग्यावाड्यावेलो हिम्मतवान हिमटो. मुळांत ताचें नांव लक्ष्मीकांत. पूण गावांत ताका कांता म्हूण वळखतात. गावांत आनीक एक कांता आसा. ताचें मूळ नांव कमलाकांत. पूण हिमटो कांता म्हळ्यार फिरंग्यावाड्यावेलो कांता हें कळटा.

आतां फिरंग्यावाड्याक फिरंग्यावाडो कित्याक म्हणटात तें कळना. ह्या वाड्याकडे केन्ना फिरंग्यांचो संबंद आयिल्लो अशें काय आयकिवांत ना आनी गांवच्या इतिहासाकूय ते खबर ना. स्वातंत्र्या उपरांत तरी त्या वाड्याचे नांव तिरंग्या वाडो अशें बदलचेलें. पूण तेदे तिरंग्याचे भक्त आमच्या गावांत जाले नात. नांव बदलपाची साथूय आजून तरी आमच्या गावांत पावंक ना.

फिरंग्या वाड्यार परंपरेन चडशे फोल्गी. चडशे तारवटी. मेळत तशें मोडपी. पूण त्याच वाड्यार कांता सारको मेळत तें किरवटीक लावपी हिम्मतबहाद्दूर जल्मलो हो चमत्कार. संवसारांतल्यान बिटकी कवळटना कांताच्या बापायन कांताक फाटल्यान बरीच व्हडली गंगाजळी दवरलेली. गंगाजळी म्हणचेपरस तिका जुवारेजळी म्हणूं येत. कारण जुवारे न्हयतल्यान कोठव्यातल्यान येवपी मालापासून ही कांताच्या बापायची प्राप्ती आसली. ती कशीय येंव पूण ती सांबाळून दवरची अतोनात हिम्मत कांताच्या आंगात आसा. वंशपरंपरेपरस कांताची ही हिम्मत चडशी ताची स्वताची आसा.

कांतान ह्या पोटल्यांतलो चडसो वांटो वेगळ्या वेगळ्या बँकानीं फिक्स केलो. थोडो भोव घरांत दवरलेलो तो कांता अनवाळो मानतालो. केन्नाय सोवळ्यान मात्सो हात लावन तो परततालो. कमीत कमी खर्च करप हें कांताचें जिणेचें मुखेल ध्येय आसा. कांताक देवान 'दिवपाचो' गुण दिलोच ना म्हळ्यार जाता. 'घेवपाचो' गुण दिलो. बऱ्याक गेल्यार बिरमत फुट्टा हे सांगणे प्रमाण ताणे केन्ना दुसऱ्याचें बरें करचें चिंतलें ना, स्वताचें बरें करूंक सोदता ताचें देव बरें करता ह्या ध्येयान ताणें स्वताचेंच बरें करचें येवजिलें. आनी ताचें बरें जालें.

घरचें इतलें आसूनूय कांताक धडपड करची आवड आसा. एस. एस. सी. मेरेन ताणें शिकप घेतलें. शिकून घरा बसचे परस ल्हान सान नोकरी आसली तरी ती धरची अशें येवजून सुरवेक ताणे एक सेल्समनाची नोकरी धरली. एके कंपनीन आपली नवी च्या बाजारांत हाडिल्ली. ते कंपनींत कांता सेल्समन म्हूण रावलो. एका वर्सान ते च्याक व्हडलोसो खप ना हें पळोवन ती च्या कंपनीन बाजारांतल्यान काडली. कंपनीचें खंयूंय पावूं, पूण कांताक वर्सभर पगार मेळिल्लो. त्या भायार कमिशनूय मेळिल्लें. कांताची तकली सुपीक. थोडीं च्याची पाकिटां ताच्या घरांत उरिल्लीं. तातूंत दुसरी च्या मिक्स करून ती ताणे 'स्पेशल मेडिको मिक्स' च्या ह्या नांवांन विकली. ती आरोग्याक बरी पडटा असो ताणे प्रचार केलो. च्या बरी खपली आनी नफोय बरो जालो. थोडे भोव आनिक पैशे कांतान बँकेंत फिक्स केले. ही ताची स्वताची कमाई आसली. मिक्स च्याचे पैशे फिक्स करतना ताका खूप खोस भोगली.

पृथ्वीर प्रवासाक धाडटना जायत्या गरजवंतांक गरजेची सामुग्री पसून दिवंक देव हिमटेपण करता. पूण हिमटऱ्यांक मात तो प्रसन्न वदनान आनी सदळ हातान दान दिता. दान दिलें जाल्यार देव दानार दक्षणाय दिता. कांता रावता तें घर पसून देवान दुसऱ्याचें मेळोवन दिलां.

वाड्यावेल्या एका तारवटऱ्यान तारवार वतना आपलें घर सांबाळूंक विश्वासान कांताच्या बापायचे सुवादीन केल्लें. जायती वर्सां हो

तारवटी परतून आयलो ना. कांय तेपान तो मुंबै फ्लॅट घेवन रावता अशी खबर पावली. उपरांत कांय वर्सांनीं तो जेन्ना गोयांत आयलो तेन्ना आपलो घरावेलो हक्क गेलो हें ताका कळून आयलें. कायदोय तशेंच कितेंशें सांगतालो. कांताचो बापूय त्या घरांत रावंक लागून बीस वर्सां वयर जाल्लीं. आतां तर दोन विसो जायत आयल्यात. कांताक त्या घरांतल्यान कोणाच्या बापायच्यान हालोंव नज.

कांताचें उलोवप ठोक. शिकप एस. एस. सी. तरी, फिलोजोफी पी.एच.डी.ची. उलोवप स्पश्ट, सडेतोड. तोंड व्हडलें. भास अलंकारीक.

घर आपलें आसलें तरी तें दुसऱ्यांचे आनी दुसऱ्याचें आसलें तरी तें आपलें अशी घरासंबंदान ताची फिलोजोफी. तो घराखातीर कसलोच खर्च करिना. शिंवीना, रंगयना, सोबयना. "कांता, घराक चुनो तरी काड रे" अशें कोणेय सांगल्यार "दुसऱ्याचे बायलेक कापड कित्याक नेसोंव?" अशें तो विचारता. तेन्ना ती दुसऱ्याची बायल जाता.

च्या उपरांत कांतान एक नोकरी धरली ती कोल्ड ड्रिंकाची. शीत पेयाची ही एक नवीच फॅक्टरी आसली. थंय देखरेक करूंक कांताक नोकरी मेळ्ळी. पगार थारावीक. कोल्ड ड्रिंक फुकट पियेंव येताले. फुकट मेळटा म्हूण कांता इतलें शीतपेय पोटांत रकयतालो की पळेतल्यांचें पसून आंग शिरशिरताले. कांताचें नाक व्हावंक लागतालें.

वर्स जावचे आदींच प्रकृती अस्वास्थ्याच्या कारणाक लागून कांतान नोकरी सोडली. नोकरी अर्द्यार सोडली तरी पगाराचे अर्द्यावयर पैशे ताणें ब्यांकेंत कळांतराक दवरले. नोकरी कित्याक सोडली अशें कोणेय विचारल्यार आपल्याक कोल्ड ड्रिंकाची ॲलर्जी आसा अशें कांता सांगतालो.

कांता लग्नाचो जातकूच ताका सोयरिको येवंक लागल्यो. कांता हिमटो तरी मात्सो गोमटोय आसलो. तातूंत हुंडो आकर्शीत करूंक ताणे भेसूय बदल्लेलो. गळ्यांत भांगराची सरपळी, आनी हाताचे घड्याळीक भांगराचो पटो घाल्लो. त्या भांगराची कांतूय कांताच्या आंगार आयिल्ली, प्रदर्शन करूंक हांगा थंय पासयोय मारून येतालो. एक्झिबिशन - कम - सोयरीकेचो हो थाट आसलो. येसायो बऱ्यो जाल्ल्यो.निम्माणें पावणी सा

जाली.

व्हकल पयशिल्ल्या नात्यांतलीच आसली कुळागरांतल्या घरांत राविल्ल्यान आदीं कोणाचे नदरेंत आयली ना. तरी व्हकल पकदस्त आनी हुंडो मस्त आसलो. नांव शांतू पूण पैशांकडे पावन कडक. कांताक नक्षत्राक जुळपासारकी. लग्न कुळागरांतूच माटोव घालून निसर्गिक थाटान जालें.

शांताबाय घरांत येतनाच घराची सोब वाडली. कांतान पयलेच फावट घराक रंग काडिल्लो. कांतान मागीर गळ्यांतली सरपळी, हाताचो भांगरापटो आनी हुंड्यांतलो भांगराचो वांटो ब्यांकेत सेफ डेपोझिटांत दवरलो. भांगराचो दर वाडूंक लागिल्लो.

शांताबाय घरांत आयिल्ल्याक घरांत कुळागराची थंडाय आनी शांतताय आयल्या. शांताबाय बरी सुगरण आसा. पैसो सुगुरूय करूंक जाणा. आदली ती तितली हिमटी नासत पूण कांताच्या सहवासान बरीच हिमटी जाल्या. शांता-कांताचो जोडो बरो सोबता. आतां हो जोडो बरो जोडुंकूय लागला.

ह्या जोडप्यान आता जोडयेन खाण उद्योग सुरू केला. शेव, चिवडो, लोणचें, पापड, शंकरपाळी, खारेगाठी अशे रूचीक पदार्थ शांताबाय करता. कांता मागीर ते व्हरून शारांतल्या महिला खाण उद्योग मंडळांनी विकूंक दवरता. खप बरो जाता. तांतल्या तातूंत 'कांता पापड' आनी 'लक्ष्मीकांत शंकरपाळी' खूप फामाद जाल्यात. कांताक मेडिको च्या पाकिटांचो आदलो अणभव आसलेल्यान कांतान आता खास 'फिरंगी मसाला' पाकिटां बाजारांत हाडल्यात. तांचेर उडयो पडल्यात.

'शांता शुद्ध दूद पेढे' आनी 'कांता चुरमुरीत चुरम्या'चीं नवी दोन उत्पादनां हालींच ताणे सुरू केल्ली आसात. ही उद्योग धंद्याची उठाठेव करीत पसून कांताची ब्यांकेतली ठेव बरीच वाडल्या. पूण भायल्यान कांयच ठाव लागना. एदे धंदे करून पसून कांता आदीं आसलो तसोच आसा. रावप पळेत जाल्यार तपस्व्यासारके. म्हणुनूच तो यशस्वी जाला. जोडप कितलेंय आसूं मोडप हात राखून. भेस पळेत

जाल्यार तो पादिशेर कसो दिसता. तातूंतूच ताच्या व्हडपणाची मेख आसा. कोणेय देख घेवची अशी ताजी जीण आसा.

हिमटो ही हिम्मत बहाद्दर सारकीच मानाची पदवी. आदल्या काळार मितव्ययी म्हणून ताचो सन्मान जातालो. मितव्ययी म्हळ्यार सांबाळून खर्च करपी. केदेय व्हड धंदे केले तरी काटकसर करचें ध्येय कांतान सोडूंक ना. नसत्या खर्चाची काटछाट करप आनी जाय त्या खर्चांत पसून कसरत करप हें तत्व ताणें सांबाळ्ळां. तें तो दिसपट्ट्या वेव्हारांत आचरणांत हाडटा.

घरांतले दिसपट्टे गरजेचे सामान कांता म्हैन्या कोंतार हाडटा. म्हैन्याचें गरजेचे सामान स म्हैन्यांच्या कोंतार हाडटा. अशें ठोक भावान हाडल्यार तें सवाय पडटा. तांदूळ, गंव, साकर, कड्डण तो पोतयां कोतार हाडटा.

आदलो आयुर्वेद आरोग्याक सवाय पडटा. कांता आजून एण्ड्यान दांत घासता, खाडाक फडकी लायता. आंगाक रिठो घासताय जाल्यार कोण जाणा ! चडसो तो कपड्याच्या साबणान आंग घासता. तातूंत आंग घवें फुल्ल जाता असो अणभव ताणें घेतला. तात्पर्य, परंपरागत आयुर्वेदाचो कांताक अभिमान आसा. आयुर्वेद दोतोरांकडे मात तो वचना. कारण हालीं ते म्हारग जायत चल्ल्यात. थंडी-बारकूण बी जायत जाल्यार घरचे घरा कसाय करता.

नेसणां चडशीं " सेलां "नी सवाय मेळटात. आदीं वर्सासनाक सेल पडटाले आतां दिसपट्टे आसतात. शांताबायक केन्नाय कापड घेवचें आसत जाल्यार चाळीस - पन्नास टक्के सूट आसल्या बगर कापड घेना. आनी कांता पन्नास - साठ टक्के सूट आसल्या बगर शर्ट घेना. सांबाळून उमळटात. हीं वस्त्रां सांबाळून उमळ्ळ्यार पिंजनात.

सगळे धंदे सांबाळून आनी एकामेकाक सांबाळून शांता आनी कांताचो संवसार सुखी जाल्लो आसा. सभावांत समभाव आसत तर संवसार सुसंगीत आनी वेवस्थीत जाता. व्यय कमी आनी आय चड आसत जाल्यार पैसो सतत जमता. सामान्य मनशाक तें जमना. ताचेकडे पैसो जमना. जिणेंत कमोवचें आसत जाल्यार कांताचो आदर्श

घेवचो.

कांताचे हिमटेपणाचे प्रताप सांगपासारके खूप आसात. दीश्ट लागत म्हूण सांगूंक जायनात. तरी जे सांगल्यात ताचेवेल्यान जीण समृध्द कशी करची ताचें थोडे भोव मार्गदर्शन जांव येता.

◆◆

सदू

गरिबांची सेवा करचे परस श्रीमंताची सेवा करपांत हीत आसा अशें सदूचें एक मत आसा.सदू हो रंगनाथबाब भाटकाराचो एक फामाद मुकदम. मुकदम म्हळ्यार कितें हें आता मुद्दम सांगचे पडटा. हे नमुने आतां व्हडलेशे दिसनात. पूण आदल्या काळचे हे किर्तीवंत नमुने. स्वप्रकाशान न्हय जाल्यार श्रीमंतांच्या प्रकाशान ते तेजवंत दिसताले. भाटकारांच्या भाटांचेर देखरेख दवरपापासून भाटकाराच्या खाजगी कामांची वेवस्था दवरपामेरेन तांचें कार्यक्षेत्र आसतालें. खबरी सांगून मन रमना जाल्यार बातां, बंडलां मारून पसून भाटकाराक कसो खूश दवरचो ही तजवीज तांका करची पडटाली.

रंगनाथबाबाचीं भाटां अफाट. रंगनाथबाब ऐदी आनी फोल्गी. ताचो फायदो सदूच्या वांट्याक येतालो. रंगनाथबाब एक सुखवस्त. आकार वांटकुळो. प्रकार दुदीरमण. आंग-पांग दुदळी, सुखां भोगून हे रंग-ढंग रंगनाथबाबाक प्राप्त जाल्ले. आंगांत रंगेलपणूय बरेंच आसलें.

सदूक भाटकाराच्या घरांत मान तितल्याक तितलो. पूण भाटाबेंसानी मान तोखेवपासारको आसलो. गडबड, गडगड खूब घाली. मुंडकारूय मान दिताले आनी आदर करताले. सदू मुंडकारांक केन्ना-केन्नाय आदार करी. बातां बंडलां मारून सगल्यांक खूश दवरचो ताचो एक तोखणाय करी सारको गूण आसलो.

रंगनाथबाब भाटकर भाटांनी पासय मारूंक लागले बराबर सगळेकडेन सासाय आयिल्ल्याचो प्रत्यय येतालो. तो काळूच तसो आसलो. माड पासून मान बागयतात काय दिस. जितले मुंडकार चड तितलो भाटकाराचो मान वाडटालो.

भाटांतल्या पाड्यापासून घरांतल्या गड्यां मेरेन सदूचो वचक आसलो. रंगनाथबाबाक खोचक गजाली सांगून ताका खूश दवरप होय ताचेकडेन सद्‌गुण आसलो. ताच्या खबरांक रंग आसलो आनी तातूंत बातां- बंडलांय पचतालीं. "जाणा मुं ओ रंगूबाब"- रंगूबाब हें

रंगनाथबाबाचें घरगुती आनी खाजगी नांव. ते घरच्यांक, लागच्यांक आनी हेर थोड्याच महाभागांक वापरची मेकळीक आसली. सलगेक लागून सदुकूय तो हक्क प्राप्त जाल्लो.

"जाणा मुं ओ रंगूबाब, दादीचे धुंवेची सोयरीक जमून आयली आं." दादी भाटकार रंगनाथबाबाच्या नात्यांतलो. ताचे धुवेची सोयरीक कशीच जुळनासली. सोयरीको जमता जमता मोडटाल्यो. कोणाचे गूण उणे पडटाले, कोणाचें घराणें उणें पडटालें. रंगनाथबाबाक खूश दवरूंक सदूक दादीचे धुवेची सोयरीक जाल्ल्याची बातमी परती परती दिवची पडटाली. बातां आसलीं तरी कानांक बातमी गोड लागताली. सोयरीक कशी जाली, कोणे केली, स्त्री धन, वस्ती बिस्ती कितें कितें थारल्यो तें सोदून उस्तून रंगनाथबाबाक सांगची कामगिरी सदू बरी करतालो. चार पांच फावटी तरी सदून दादीचे धुवेची सोयरीक अशी जमयल्ली. पूण दादीची धूव मात लग्न जायनासतना धृव कशी अढळ उरिल्ली.

रंगनाथबाबाचो रंग पळोवन त्या त्या प्रसंगार सदू तशो तशो खबरी रंगयतालो. वेळ सारपाक रंगनाथबाबाक ह्यो खबरी जाय पडटाल्यो. "वैकुंठबाबाचो व्हडलो पूत अमेरीकेक वता आं, रंगूबाब." वैकुंठबाब होय रंगनाथबाबाचो लागचो सोयरो. ताचो तो व्हडलो पूत चड लत्तुबाय जाल्ल्यान इल्लो तवनास उतरलेलो. कसलोय धंदो करता थंय पयसो वगडायतालो. वेसनांय सांगपासारकी न्हय. हेच खातीर सदून ताचो अमेरिकेक वच्चो बेत आखिल्लो. आदीं एक फावट इंग्लंडाक वचपाचीय सदून माण्णी सांग, सांग सांगिल्ली. पूण मागीर कितें तरी घडलें आनी घडून आयली ना. पडून उरली.

"थंय वचून कितें करतलो रे तो, सदू ? हांगा कांय सादना. बापायन घालून दिल्लो धंदो जमना. अमेरिकेक वचून कितें करतलो तो?" ह्या रंगनाथबाबाच्या सवालाचेर सदू कडेन पटोवपासारके जबाब आसले. हांगा जे अपेशी थारतात तांकां अमेरिकेक पावून यश कशें मेळटा, तवनाशी पसून थंय सुखवासी कशे जातात, गलगलाक आयिल्ले थंय मिलिओनेर कशे जातात, अरवळपसून थंय कशे शाणे थारतात, ह्यो

काणयो तो पदरचें जायतें भरसून सांगीत रावतालो. ह्यो कथा तो अशो रंगयतालो की पिशांक खंयच्याय एका पिशांच्या हॉस्पिटलांत घालचे परस युनायटेड स्टेटसचे खंयचेय एके स्टेटींत घाल्यार बरें अशें आयकतल्यांक दिस.

रंगनाथबाबाचे ऐन जवानीचे रंग आतां फाटीं पडल्यात. पूण त्या काळार रंगनाथबाबान रंगमंच गाजयला. तेन्ना गावांत मोटारी चडशो दिसनासल्यो. खंयूय दिसताल्यो त्यो पेटारे कशो. तांतल्या तातूंत रंगनाथ भाटकाराची मोटार मात पेटूल कशी सोब. शोफेरूय सोबपासारको आसलो.

सदू आनी हो शोफेर रंगमंचाचे सूत्रधार तशेच राखणदार. थळ-काळ पळोवन त्या त्या काल्याक रंगनाथबाबाक व्हरून हाडपाचें काम ताणी जबाबदारेन केलें. रंगनाथबाबांची तीर्थस्थानां सोदून दवरचें कामूय तांणी हिकमतीन केलें. वेळेर वाऱ्याक वता थंयूय रंगनाथबाबाचीं एक दोन कायमचीं ठिकाणां आसलीं.चड कितेंय वाऱ्यार पडचें न्हय ही सदूची जबाबदारी आसली.

त्या मानान रंगनाथबाबाचीं हेर वेसनां कमीच. सांगपासारकी न्हय. केन्नाय 'कीक' येवपासारकें उंची प्राशन करी. लिपोवन हाडपाचें काम सदू करी. सोवळ्याच्या वेळार रंगनाथबाबाक सोवळेंय खूब आसलें. देव धर्म आसलो. तो चड वाडोवन सांगचें, दाखोवचेंय काम सदूचेंच आसलें. पयशांचे खेळूय थोडे भोव लागताले. पूण ते श्रीमंतीक कांय न्हय अशे. मेळ जमोवपापुरते.

रंगनाथबाबाचे पूत व्हडले जातकूच, सोबना जावन आनी गोंदळ जायत म्हूण रंगनाथबाबाक आपलीं कांय रंगेलपणाचीं ठिकाणां सोडचीं पडलीं. तें एरांस मागीर थोडें-भोव पुतांक गेलें.

गोयचे सुटके उपरांत एक महादशा सोंपली आनी दुसरी सुरू जाली. हे महादशेंत आपली दशा कितें हाचो सोद सदूक घेवचो पडलो. मुंडकार कायदो आयलो. मुंडकार चड तितलो भाटकार व्हड ही कल्पना फाटीं पडलीं. मुंडकार चड तितलीं लचांडां चड अशें सदूक दिसूंक लागलें.

रंगनाथबाबाचे पूत आतां व्हडले जाल्ले. भाटा - बेसांनीं आतां लक्ष्मी आदलेवरी बेसांव घालीना हें पळोवन तांणी हेर वेगळे वेगळे धंदे थाटिल्ले. आनीक भाटांय मेळयल्लीं. पूण मुंडकार नात अशीं! आदलीं भाटां सदू मार्फत रंगनाथबाबूच पळेतालो. पूण पयलींचो मान पळोवंक मेळनासलो.

मुंडकारूय आतां आदले नासले. थोडे तारवार, थोडे गल्फाक अशे पयशे करून आयिल्ले, कांय जाण फायव्ह स्टार हॉटेलानी काम करताले. सदूचे 'स्टार' डीम पडिल्ले. जमीन काबीज करपासारको पयसो जायत्या मुंडकारांकडेन आसलो. रातयां खोंपी, ताचेर चुडटां, मागीर नळे, मागीर सगळें! अशे प्रकार सदूक पळोवचे पडटाले. भाटकार-भक्तीक लागून सदून ह्यो तक्रारी सुरवेक तरी भाटकाराकडेन व्हेल्यो. कांय केशी मामलेदार कोर्टांतूय गेल्यो. पूण मागीर मार पडचेले चार पांच प्रसंग येतकूच सदूची भाटकार-भक्ती म्हारग पडटाशी जाली. सदूक सदूबाब म्हणटाले ते कांय मुंडकार ताका 'सदगो' म्हणूंकूय फाटी रावनासले. भाटकारान ते आपल्याक कितें म्हणटात तें आयकुपाचो प्रसंग नाका म्हूण भाटांत येवपाचेंच बंद केल्लें. नव्या काबिजादींक लागून पोन्र्या काबिजादींचो मान देविंल्लो.

मामलेदार कोर्टांतल्यो केशी मामलेदाराक फावना जावन, जांव कोण कोण पावना जावन वर्सांच्या वर्सां रखडत उरिल्ल्यो. वकील 'डेटी' घेवन प्राप्ती करताले. सदूक फुकटचे उतळताप गरजेभायर पावटीय पडटाल्यो. भाटकारूय उबगता, मुंडकारूय उबगता आनी कायदो मात उबता तसो उबता असो हो मुडकार कायदो सदूक चडमुड कायदो कसो दिसूंक लागलो.

भाटकाराच्या पुतांक तर आदल्या मुकदमांची गरज नासली. तांका नव्या रूपांतले नवे खुशमस्करी बहुरूपी मेळिल्ले. ते सदूपरस खुशमस्करी करूंक चड शिकिल्ले- सवरिल्ले आसले. सदूचें तांचे फुडे कांय चलनासलें. भाटकार आद्य श्रीमंत आनी मुंडकार नवश्रीमंत. तातूंत आपूण मात उबंत पडटा हाची इल्ली इल्ली जाणीव सदूक जावंक लागली.

श्रीमंतांचे सेवेचे सांजेवेळार तरी आपल्या पुतांचें कल्याण कशें करचें हाची येवजण तो करूंक लागलो. सदून नव्या जमान्याचो नवो रंग पळोवन आतां आपली भुमिका बदल्ली. ताणे भाटकार आनी मुंडकार हांचे मदल्या मध्यस्थाची भुमिका घेतली. हें एक नवनाट्य कशें आसलें आनी तातूंत सदूची भुमिका बरीच प्रभावी जाली. भाटकाराकूय भाटांत नाटकां कितेंय जावं आपले तकलेक त्रास नाका अशें धोरण धरचें पडलें.

भाटकाराक दोन पूत तशे सदुकूय दोन पूत. भाटकाराचे पूत लक्ष्मीचे लाडके जाल्यार आपल्या पुतांनीं कितें वांकडे केलां हें येवजून सदू आपल्या पुतांच्या बऱ्याक वावरूंक लागलो. आपलीय परिस्थिती सुदारचेले मार्ग ताका सुचूंक लागले. मुंडकारांनी सदूकडेन आनी सदून मुंडकाऱ्यांकडेन बरेपण जोडलें. "भाटकाराक कितें दिता तें दी, म्हाका कितें दिता तें दी, जाय तसो जागो घे. खोपी बांदून खेपो मारूंक लावंक नाका. घर बांद, ना तर बिल्डींग बांद." अशी ही सदूची नवी भुमिका आसली.

कोर्टांतल्या केशींक लागून खेपो घालतना वकिलांक कशी कशी प्राप्ती आसता हें सदून लागच्यान पळेल्लें. ताणें आपल्या व्हडल्या पुताक लॉ कॉलेजां[illegible] केलो. हो शिकतालो आनी तितलीच तवनासपणांय करतालो. लचांडाय हाडटालो. तीं ताका स्वताक ना तर सदूक निभावचीं पडटालीं. हो सदू आनी भाटकार ऐन रंगार आसतना जल्माक आयिल्लो जावंक जाय!. लॉ कॉलेजांत पडटकूच ह्या पुताक आवडीचे विशय मेळिल्ल्यान तो बरोच जाग्यार पडलो. फुडें वकील म्हूण ताका बरो फुडार आसा.

धाकलो पूत त्या मानान शिस्तीचो. हो रंग देवतकूच जल्माक आयिल्लो जावंक जाय. ताका कॉमर्साक घालो. पूण चड शिकून गोयांत व्हडलोसो च्यान्स ना असें सदूक दिस. एक मुंडकार गल्फाक बरो जोडटालो. कोणाक नकळत ताका घर बांदपाक बरोचसो आलायतो जागो सोडून त्या बदला ताचे वळखीन सदून गल्फाक आपल्या पुताक बरी नोकरी मेळोवन घेतली. आतां तो बरो जोडटा आनी घराय धाडटा.

सदूक आतां आदलो मान नासत पूण पयसो बरोच आसा. पयसो आसल्यार सगळें! मानापमानाचे दीस केन्ना फाटीं पडले. आतां जाय पयसो. सदूकडे तो कमी ना आनी फुडली जीण सुखांत सारचेली हमी आसा. लक्ष्मीच्या अपुर्बायेच्या पुतांची सेवा करीत जाल्यार लक्ष्मी खंयच्यान तरी पावता हें सदूचें चरित्र पळेल्यार दिसून येता.

◆ ◆

उपी आनी गोपी

आपत्ती पसून जो संपत्तींत बदलता तो एक म्हापुरूस वळखुंचो. उपी तांतलोच एक म्हापुरूस. उपीचो प्रताप सद्या मेर्शे कालापुर गांवांनी चलता, पूण उपी मुळाक दुर्भाटचो. ताका मेर्शे हाडलो गोपीन ताच्या मामान. गोपी मेर्शे -कालापुरचो आद्य भाटकार. ताची चार भाटां ह्या गांवांनी आसलीं. आतां तीनूच आसा अशें म्हणचें पडटा. आदल्या काळार एक सज्जन भाटकार म्हूण गोपीची नाम्ना आसली. आतां ताचे व्हडलेशें नांव ना.

उपी दुर्भाटा जल्माक आयलो तेन्ना दुर्दैवान ताचेर एक आपत्ती कोसळ्ळी. ताचो बापूय कसल्या तरी दुयेंसान हांतुणार पडलो तो तांतल्यान उठलो ना. उपी सात-आठ वर्सांचो जाता म्हणसर तो भायर पडलो. उपीचो एक बापोलयो आसलो. उपीच्या बापायकडे ह्या बापोलयाचे वितुश्ट आसलें. दोगूय जाण एकामेकाक दुश्ट समजताले. कोण दुश्ट हें सारके कळनासलें. उपी बापायपरस खर उतरतलो असो ह्या बापोलयाचो ग्रह जाल्लो. ताणें पुंतणयाची खबर सोडली. इल्लोय संबंद दवरलो ना.

उपीक दुर्भाटांत अधांतरी सोडप हें ताच्या मामाक तरी सोबना. ताणें तरी उपीक मेर्शे हाडून ताचो व्हड जायसर सांबाळ करचो अशें गोपीच्या नात्यांतल्या लोकांक आनी शेजारच्या लोकांक दिसूंक लागलें. सगळ्यांचो आग्रो जालो तेन्ना गोपीन उपीक मेर्शे हाडून ताचो जाता ते परीन सांबाळ केलो. उपीक शिकपाक घालो तरी एक एक वर्स वता तसो उपी शिकपांत फाटीं पडूंक लागलो. आडांगीपणां करपांत मात तो फुडें आसलो. शाळेंत शिक्षणांत लक्ष घालचेपरस गावांत धुमशेणां घालपांत उपीक आवड आसली. कांय वर्सां शाळेत वगडायतकूच उपीन शाळा सोडली. शाळेभायरूच आपलो फुडार बरो जातलो अशें उपीक दिसूंक लागिल्लें. शाळेंत ' ढ ' आसलो तरी शाळेभायल्या जायत्या उपक्रमांनीं ताचो वेलो क्रम लागतालो.

उपीक स्वतंत्र व्यापार-धंद्याची मुळाक पसून ओड आसली. शिकून नोकरी करचेपरस स्वतंत्र व्यापार-धंदो आपले योग्यतेक बरो अशें ताका दिसतालें. ताणे आपल्याक भाटांत एक पसरो घालून दी असो गोपीकडे हट्ट धरलो. निमाणें घरा बसून तरी कितें करतलो अशें येवजून गोपीन आपल्या एका भाटांत उपीक पसरो घालून दिलो. पसऱ्यार बसूंक लागतकूच मात उपीच्या आंगांत दडलेल्या व्हड गुणांचो उदय जावंक लागलो. शाळेंत शिकूं ना शिकूं पूण योग्य संद सांपडटकूच कांय ना शिकपी तरणाटे पसुन आपल्या वेव्हार गिन्यानान कीर्त मेळयतात. तेच परी स्वतंत्रपणान पसऱ्यार व्यापार-धंदो चलयतना उपीचे गूण उजवाडाक येवंक लागले.

गिरायकाक फुलां माळून माल गळ्याक घालची उपीच्या आंगांत बरी कला आसली. काळजाचेर घयरांव मांडलेल्यान काळीज कसलें घडलां तें कळनासलें पूण उपीचें तोंड बरें वाजतालें. बातां आनी पटे एकसारके चालूच आसले. आंग आळशी आसलें तरी पैशे कमोवचे कामांत तें बरेच मेहनती आसलें. खंयूय पैसो आसल्यार उपी कितलेय कश्ट काडपाक तयार आसलो. जितलो जितलो पैसो साठूंक लागलो तितलो तितलो उपीच्या आंगांत मोदूय चडलो. पैसो सांबाळून दवरूंक लागतात ते हिमटेपणाचे आनी चामटेपणाचे सदगूण उपीच्या आंगांत हिसपाभायर आसले. माल खपोंवकूय तो खांपो आसलो. शिटूक बुद्धीन आनी काटूक वृत्तीन उपीन आपले समृद्धींत बरीच भर घाली. शाळेंत नांव वगडायल्लें तें पसऱ्यार जोडलें.

उपीचो पसरो जरी मेर्शे आसलो तरी ताच्या व्यापाराचो पसारो पणजे, म्हापशां मेरेन आसलो. पणजे म्हापशा बाजारांत तो ठोक माल विकूंक लागलो. केळी,पणस तो पणजे बाजारांत विकतालो जाल्यार नाल्ल म्हापशेंच्या बाजारांत खपयतालो. मनशाचे जागेन माड नाल्ल चड दितात असो एक समज आसा. पूण ती एक अंधश्रध्दा म्हणची पडटा. गोपी आपल्या चारूय भाटांक सारें सारकेंच घाली आनी वावर सारकोच करी. पूण उपीचे जागेन ताच्या ह्या भाटाचें उत्पन्न मात दिसान दीस देवूंक लागलें.

व्यापार - धंदो नित्य नेमान केलो तरी खंयूय 'तोपी' घालूंक मेळ्ळ्यार उपी फाटीं रावनासलो. तोपी घालूंकूय आंगांत एके तरेची कला आसची पडटा. ती उपीच्या आंगांत बऱ्या प्रमाणांत आसली. पणजे बाजारांत खंय खंय तोपी घालून जातकूच तो थंय थोडे दीस दिसनासलो. भाणस्तारच्या बाजारांत उदेतालो. मागीर थंय कार्यभाग सादतकूच म्हापशां कीर्त करतालो. थंय दुबाव येवंक लागतकूच पणजे परतो प्रसन्न जातालो. नित्याच्या वेव्हारांत उपीन पैसो जोडलो तसोच रंगार येतकूच तोपी घालूनूय जोडलो. अदीं-मदीं तोपी घालपाची ताची फॅशन कशी जाल्ली.

मदल्या काळार मेर्शे-कालापुरांत 'प्रोटेक्टर' चळवळ जाली. हें ना तर तें प्रोटेक्ट करपासारकी ही चळवळ आसली. गांवच्या कांय समाजसुदारक तरणाटयांच्या आग्र्याक लागून उपीन हे चळवळींत आंग दाखयनासतना वांटो घेतलो. थंय थोडी भोव पुण्याय आनी थोडें भोव गुप्त-धन उपीच्या पदरांत पडलें.

मूळ धंद्याक अशे जायते जोड-धंदे उपीन जोडले. उपरांत मेर्शेंत जमीन सुदारणा चळवळ आयली. पणजेंत सगळ्याक इमारती जाल्ल्यान जमीन उरूंक नासली. पणजी इल्ली इल्ली करून मेर्शे-कालापुरच्या दोंगरांनीं, भाटांनीं आनी शेतांनी शिरकूंक लागिल्ली. जमीन विकास आनी बांदावळीचो धंदो तेजींत चलूंक लागिल्लो. प्लॉट तयार करप, डेव्हलप करप, रातयां झाडां पेडां आड घालप, दीस रात बांदावळींची निर्मिती करप अशो हे चळवळीच्यो जायत्यो पद्धती आसल्यो. तातूंत मध्यस्थांक भरपूर दलाली मेळटाली. उपीन ही मध्यस्थाची भुमिका बरे तरेन रंगोवन तातूंत बरेंच मानधन मेळयलें.

उपीन आतां बरोच पैसो कमयला, ताणें आतां दुर्भाटा आपल्या गांवघरा वच्चो अशें गोपीचें मत जाल्लें. अशें मत जावपाक आनिकूय कारणां आसलीं. भाटाकूय ताची जाग 'माल' पडूंक लागिल्ली. गोपीन उपीक गांवघरा वच्ची सुचोवणी करून पळेली; पूण उपीक आता मेर्शेची आनी भाटाची माया लागिल्ली हे मायेक लागून तो थंय दसून उरलो. वचपाचें नांव काडिना जालो. गोपी दुश्टपणान

आपल्याक भाटांतलो धावडायत असो उपीक दुबाव मारूंक लागलो.

फोंड्या उपीचो एक भुरगेपणांतलो मित्र रावतालो, तो आता व्हड समाजवावरूपी आनी व्हड साहित्यिकूय जाल्लो. अन्याया बद्दल ताचे लिखणेक तिडक आसली. बरयतना ताची लिखणी नागीण कशी चलताली. अन्यायाविरूध्द कमालीचो डंख धरताली. भाटकारशाही नश्ट करात ही चळवळ आसूं जांव संवसारांतलें दुसरें असलें कितेंय नश्ट करचें आसूं, ताची लिखणी पेपरार डंखीण कशी चलताली. संकटाच्या काळार उपी ह्या आपल्या इश्टाक वचून मेळ्ळो.

"तूं मामलेदार कोर्टांत मुंडकार कायद्या सकयल अर्ज कर. फुडलें हांव पळेतां. चड केल्यार गोपीचे नांव पेपरार घाण करतां. बोल्साक इल्लो खार लागत. पूण मामलेदार आमच्या बॉल्सांतलो असो 'बॉल्स' ह्या कथाविशयाचो ताणें पाल्हाळ केलो. ह्या समाजसेवकाच्या थोड्याशा सहवासान उपीच्या आंगांत बरोच धीर आयलो. बरोचसो मोदूय चडलो. उपीन पणजे मामलेदार कोर्टांत मुंडकार संरक्षण कायद्याखाल अर्ज करून उडयलो.

आपल्या नात्यांतल्या मनशाआड कोर्टांत झगडप म्हळ्यार आपणें मेळयल्लें नांव वगडावप अशें गोपीचें आदले काळचें मन सांगतालें. आतांच्या काळार पैसो आसा थंय नांव, मागीर कितेंय नांवरूप केल्यार चलता. हें ताका कळनासलें. कोर्टांत वचप आनी थंय हरल्यार तोंड आनीकूय काळें करप ताचेपरस तोंड लिपोवन घरा राविल्लो बरो अशें गोपीचे मत जालें.

उपी मात कोर्टांत अन्यायाविरूद्ध झगडपी झुजाऱ्याच्या थाटांत हजर रावतालो. दुस्मान भियोवन पळिल्लो. उपी जिकलो. उपीन गोपीक ताका सोबशी तोपी घाली. उपीक गोपीपासून संरक्षण तर मेळ्ळेंच, पूण त्या भायर पसरो आनी भोंवतणचो तीनशें चौखण मिटर जागो उपीन आपल्या नांवार सुगूर केलो. मागीर आनीक वाटार वाडोंव येतालो.

गोपीची आता त्या भाटांतली सत्ताच सरल्या. उपीचो तरतर सुरू जाला. पावलापावलाक अपमान सोसचो पडलेल्यान गोपीन भाटांत पावल घालपाचेंच बंद केलां. उपी आतां ताका मानपाकूच तयार ना.

गोपीक आपल्या भाटाची माया आसली. आपणें जतनायेन वाडयल्लें एक एक झाड आनीक एक एक माड म्हळ्यार उपकाराक जागपी जीवसृश्टींतलें एक एक जिवीत अशें ताका दिस. पूण हें ताचें भावनेक आतांच्या काळार व्हडलोसो भाव ना, हेंय ताका कळून आयलें. उपकार स्मरपाची स्मरण शक्त हेर जिवांइतली आतां मनशांत उरली ना हेंय सत्य ताका गमून आयिल्लें.

उपेंद्र भाईक मात आतां गावांत खूप मान मेळूंक लागलो. थोडोसो पैसो कमयतकूच गावांत तो उपीचो उपेंद्र जाल्लोच. आतां तर लोक ताका आपलेपणान उपेंद्रभाई म्हणूंक लागले. उपी रावता तें भाट गांवच्या मध्यार आसा. थंयचे माड आड घालून थंय केन्ना काय प्लॉट जातात हेंच सरभोवतणचे आस्तीक लोक पळेत आसात. उपी संद मेळटांच तें काम बरे भाशेन करतलो हाचेर जनता-जनार्दनाचो विस्वास आसा. त्या विस्वासाक पात्र जावंक गोपी केन्ना आड पडटा तें उपी पळेत आसा.

म्हापुरसांची कर्तुबां हीं अशीं अफाट आसतात. गांवच्या एका क्लबान हालींच उपेंद्रभाईचो सत्कार केलो तेन्ना उपस्थित सभासदांनी उपीच्या कार्याचो विस्तार जावचो अशी आस्त परगटायली. यशश्रीन उपीच्या गळ्यांत लक्ष लक्ष मोलाची माळ घाल्या. गोपीक मात गोपीचंदन सारोवन ताच्या हातांत रूद्राक्षांची माळ दिल्या.

◆ ◆

सुर्या

सुर्या व्हडले गोंयचो एक व्हड मनीस. आमच्या व्हडल्या गोयांक आदली राजधानी म्हूण आलायतें व्हडपण आसा. सुर्या सुमार गुणांचो. पूण आमच्या व्हडल्या गोयांत ताका बेसुमार मान आसा. खरें व्हडपण दनपारच्या सुर्यासारकें खर. आमचो सुर्या सकाळ सांजच्या सुर्यासारको. सोसपासारको, गूण गावपासारको. सुर्या आयज संपन्न आसलो तरी भुरगेपणांत तो विपन्नाअवस्थेंत दीस सारतालो.

मालवाड्यार ताचो जल्म. ह्या वाड्याक आदल्या काळार कदंब राणयेचो स्त्राप पडिल्लो म्हणटात. ऐन प्रसंगार राजाक एकलोच सोडून हांगचे लोक पळ्ळे आनी धुरी घालपी मुसलमानांनी कदंब राजाची हत्या केली. म्हूण राणयेन जीव दिवचे पयलीं ह्या वाड्याक स्त्राप दिलो अशें सांगतात. " तळटभर वाडो, शेंकड्यांनीं रांडो" अशे ह्या स्त्रापाचे शब्द आसले अशें आजून हांगचे लोक सोपूत घेवन सांगतात. गोंयचे कदंब राजा आनी राणयो कोंकणी उलयताले, कानडी न्हय हाचो हो एक जबरदस्त पुरावो आसा.

अशा ह्या वाड्यार सुर्याचो जल्म. वाड्यार लोकवस्ती कमी. स्त्रापाच्या भंयान हांगा आदल्या काळार सावन लग्नां - काजरां जावंक कठीण जाल्लीं. वाड्यावेलीं चडशीं जाणां माद्री जाताल्यो अशें सांगतात. तात्पर्य, आदीं हो वाडो चडसो पाड आसलो. ह्या वाड्यार सुर्याच्या जाण्टेल्यांचो आदलो पसरो. पसरो चलोवप कठीण आसलें.

सुर्या शाळेंत गेलो तेन्ना विद्येंत ताचें व्हड लक्ष नासलें. गड्ड्यांनी चड आसलें. बराबरचे सवंगडी इल्ले तकलेन गड्डेच. पूण त्या मानान सुर्या हुशार आसलो. ताच्या आंगात फुडारीपणाचे गूण आसले. ह्या गडड्यांचें फुडारपण पसून तोच करतालो. सुर्याच्या गुणांचो उदय भुरगेपणांत चडसो जालो ना. पूण पिलार माध्यमीक स्तरावेल्या स्कुलात पावतकूच जावक लागलो.

सुर्याच्या आंगात शिकपाचे गूण कशेय आसूं, कलेचे गूण दिसून

येताले. थोडेशे बरोवप्याचेय गूण दिसताले आनी तातूंत थोडे पसरकाराचे गुणूय भरसल्ले. आपल्या मालाची आनी आपले कलेची जायरात करूंक ताका बरी जमताली.

पिलार पाद्रींच्या शिक्षणीक वावराक लागून थंय शिक्षणाची वेवस्था बरी जाल्ली आसा. सुर्या हायस्कुलांत पावतकूच तांच्यांतली हाय- क्वालिटीचे, हाय - टेक गूण दिसून येवंक लागले. नाटकुल्यांनीं संवंगा करप, वेळप्रसंगार नाटकुलीं बरोवप, भेट दिवंक आयिल्ल्या फुडाऱ्यांफुडें आनी मंत्र्यांफुडें विद्यार्थ्यांचे वतीन भाशणां ठोकप असलीं कर्तुबां सुर्याक बरीं जमतालीं. सुर्याची मराठी शुद्ध आनी इंग्लीश अती शुद्ध. आपल्या भाशणांनीं सुर्या मंत्र्याक पसून लज करतालो. एक फावट मंत्र्यान सांगलें, "कोकणी सोपी करूंक जाय आनी मराठी कठीण करूंक जाय."तर सुर्यान आपल्या भाशणांत जाप दिली." कोंकणी घरांत उलोवंक जाय, मराठी सभेंत उलोवंक जाय. हेरकडेन इंग्लीश जाय." मंत्र्यांपरस सुर्याचीं भाशणां मुद्देसूद आनी नकसूद आसतालीं. एक फावट एका शिक्षण मंत्र्यान आपूण खंयचेय अकादमीक भरपूर अनुदान दितलों अशें सांगलें तेन्ना सुर्यान आपल्या भाशणांत "आमी आतां आमच्या गांवांतूच एक संगीत-नाटक अकादमी स्थापन करची केल्या " अशें सांगून अनुदानाक येवपाचे आसात ही खबर मंत्र्याक दिली.

सुर्या इंग्लीश स्कुलांत णव्वेक पावतां पावतां आमच्या गावांत नवें वारें व्हावंक लागिल्लें. व्हड व्हड 'नेशन बिल्डर' आमच्या गावांत पाविल्ले. सुर्याचे कुंडलेंत रवी बरो आसूंक जाय. ह्या नव्या वाऱ्यान सुर्याक बरेंच तेज आयलें. सुर्याचें मुखामळ उदेत्या सुर्यासारकें जालें.

व्हडल्या गोयांक शाराचें रूप येवंक लागिल्लें. पणजी शार कालापूर बांबोळेक वेंगेंत घेवन आमच्याय गावांक वेंग मारूंक आयिल्लें. गावांत आदीं गंवडे पसून दिसूंक कठीण आसले थंय आतां व्हड व्हड बिल्डर पाविल्ले, मेळत थंय बांदावळी, बिल्डिंगो वयर सरूंक लागिल्ल्यो. आतां आमचे गांवचे जमनीक खूब भाव चडिल्लो. स्मशानां आनी शिमीतेरी पसून लागीं आसल्यार आतांच्या बांदावळींक ताची पर्वा

नासली. कदंबाच्या आदल्या राजरस्त्यार म्हळ्यार बिर्दींत आदीं कोण घर बांदिनासलो. बांदल्यार बादता म्हणटाले. पूण थंय पसून बिल्डिंगो वयर सरिल्ल्यो. बांदतल्यांचो भरभर जावंक लागिल्लो आनी बादतले भराभर पळूंक लागिल्ले.

मालवाड्यार आतां बिल्डर पावले आनी वाडो पावन जालो. स्राप होच वरदान जालो. आदलो वाडो ओसाड आसलेल्यान नव्यो बांदावळी करूंक बरेंच सोंपेपण मेळूंक लागलें. सुर्याच्या मालवाड्याचें रुपूच आतां बदल्लें. नव्यो बांदावळी वयर सरल्यो. राणयेचो श्रापूय आतां व्हडलोसो बादनासलो जावंक जाय. आतांच्या काळार घातक्यांचेंच बरे जाता अशें येवजून राणयेन वाड्याची फाट सोडली आसतली. आतां राजांचे दीस सरले, पसरकारांचे दीस आयल्यात हें सत्य तिका समजलें आसूंक जाय.

वाड्यार सुर्याचो पसरो आतां बरोच फुलूंक लागिल्लो. शिकपांत कांय अर्थ ना अशें येवजून धाव्वेची परिक्षा आंगार आयिल्ली आसतनाच सुर्यान शाळेक रामराम केलो आनी पसऱ्यार येवन 'जय श्रीराम' म्हणूंक लागलो. बापूय जाण्टो जाल्लो. आदले मुस्तींतल्या लोकांक आतां पसरो जमचोना अशें सुर्याचें मत जाल्लें. बापायक घरा बसोवन आतां सुर्या पसऱ्यार बसूंक लागलो.

सुर्या पसऱ्यार उदेत पसून पसऱ्यार बरो उजवाड पडला. शाळेंतल्या शिकपापरस पसऱ्यावेलें शिकप ताका मानवलां. ताच्या आंगांत कला आसा. नाटकीपण आसा आनी ताची पसरकारीय तोखेवपासारकी आसा. बड्डेल्ली हळद, ती हळद न्हय फळद, हळदेची उंचेली जात म्हूण सांगून तो ती खपोवंक खांपो आसा. तेवेल्लें गोड स्वदेशी गोड म्हूण, तर भेसळ तूप तो घरावें, सोवळें तूप म्हूण खपयता.

पसरो बरो चलूंक लागिल्ल्याक ताणे शिमिटाचोय ठोक वेपार सुरू केला. बांदावळीच्या विकास कार्यांत तो आतां वांटेकार जाला. कृषी उत्पादनाक मजत करूंक ताणे साऱ्याचोय नेगोस सुरू केला. तरांतरांचें उद्देग करून आतां तो आमच्या गांवच्या उद्देजकांचो एक नांवास्तो संयोजक जाला. गावांत लोक चड पियेवंक लागिल्ल्याक ताणें

पियेतल्यांक शुद्द सोरो दिवंक आतां थोडो सोऱ्याचोय नेगोस सुरू केला. सुर्या पसऱ्यार बसता तरी उजवाड सगळ्याक घालता. प्रपंच वेव्हार नेटान करून परमार्थ सादता. सादता तो शाणो आसता. तातूंत सुर्या सर्वगूण संपन्न. नाटक, कला, देव-धर्म, समाजकर्म ह्या सगळ्या कर्मांनीं तो गावांत लकलकता. गांवच्या उत्सवी नाटकांनीं आनी संगीत नाटकांनी पसून ताणें सवंगां रंगयल्यांत. गांवांत पेटको पेटीवालो आनी उश्णो तबलजी हे ताचे पेटंट साथी. ते ताका आनी ताच्या स्वरांक सांबाळून घेतात. तांच्या नेटार ताणें स्पर्धेच्या नाटकांनीं पसून वांटो घेतला आनी एक दोन पुरस्कार मेळयल्यात. पुरस्कारप्राप्त सुर्या आतां गोंयांत वेपारांत तसोच नाट्य कलेच्या आनी समाजसेवेच्या व्यापांत गाजता. हालींच गांवच्या गावांत ताणें संगीत नाटक अकादमी स्थापन केल्या आनी उलयल्लें उतर खरें करून दाखयलां. दान, अनुदानूय घेतलां.

सुर्या उद्दोजक तसोच गांवच्या कसल्याय कार्यांत संयोजक म्हूण वावुरता. सगळ्यांनी बिल्डिंगो बांदल्यो तेन्ना देवाकूय एक बिल्डींग बांदची अशें येवजून वाड्यावेल्या लोकांनी आनी समाज वावुरप्यांनी वाड्यार देवाक एक देवूळ बांदचें येवजिलां. कोण देव तो अजून थारूंक ना. चड मेळकत हाडपी देवाची थंय स्थापना जावची अशी येवजण चलता. ह्या मंदिर मंडळाचोय सुर्या अध्यक्ष आसा.

असो हो आमचो सुर्या. संपन्न तसोच सर्वगूण संपन्न. व्हडल्या गोंयच्या व्हड लोकांमजगतीं तो खूप व्हड आसा. मोयांतूय ताका जायते जाण मानतात.

◆◆

जगू

जगू जगांत कितें तरी जगावेगळे करूंक जल्माक आयलो. जगूचें पुराय नांव जगन्नाथ. पूण ताच्या साथीदारांक नाथ म्हणप नसाय जावंक लागलें तेन्ना ताणीं ताची नाथ ही पदवी काडून ताका जगू करून उडयलो. जगूचो सभावूय खालतेपणाचो. नाथ म्हणून घेवन जगांत नाच करून दाखोवची ताची वान्सा ना. खालतेपणान वावरून पसून जगांत खूपशे मेळोंव येता हाचेर ताचो विस्वास.

जगूचें शिकप चड नासूं. जाय तितलें आसा. ताच्या आंगांत जायत्यो विद्या आसल्यो तरी तकलेक चड त्रास दिवपी पुस्तकी विद्येक ताणें म्हत्व दिलें ना. चडशो परीक्षा तो कांठार पास जालो. ताचो बापूय मेडिकल रेप्रेझेंटेटिव्ह. ताका जगू फुडें पावन दोतोर जावचो सो दिस. पूण जगू आठवे-णव्वेक पावतासर ताच्या बापायन ताका दोतोरकीचें शिकप जमत हाची आस सोडली. रेप्रेझेंटेटिव्ह पसून जगू जायतसो दिसनासलो. जगूची नदर मात हांगा थंय चड आसताली. तो डिटेक्टिव्ह जायत पुण रेप्रेझेंटेटिव्ह जायत अशीं चिन्नां नासलीं. तरी जगूक आपूण प्यून पसून जायत जाल्यार कितें तरी वेगळें करतलों असो आत्मविस्वास आसलो. खयचेंय काम आसूं तें कशें करता तें म्हत्वाचें आसता. त्या कामांतल्यान दाम मेळोवप हें दरएकल्याचे हुशारेचें काम आसता. जगूचें तत्वगिन्यान अशें आसलें.

जगू एस. एस. सी. पास जालो. हीय परीक्षा तो कांठार पास जाल्लो. पूण जगूक कांठ पुरो आसलो. फुडें शिकून गरजेभायर वर्सां खर्च करप हो नश्टखर्च अशें जगूचे मत आसलें. बापायकूय तें पटूंक लागिल्लें. वळखीन खंय तरी जगूक नोकरी मेळटा काय पळोवंक बापायन खूप खटपट केली. थोड्यो नोकऱ्यो मेळटाल्यो. पूण मुलाखतीवेळार मोडटाल्यो. आपूण धरतालो तितलो आपलो बापूय बरो सेल्समन न्हय, तसो सेल्समन आसल्यार आपल्याक खंयूय खपयतलो आसलो. ह्या निर्णयाचेर जगू पावलो आनी नोकरी सोदपाचे खटपटीक

आपूणूच लागलो.

क्लार्काची एक नोकरी मेळटाली, पूण बरयत बरयत बेजारचे पडटलें म्हूण ताणें ती सोडली. बरोवप्यांबद्दल जगूचें मत बरें नासलें. पुलीस कॉन्स्टेबलाची एक नोकरी आयिल्ली पूण थोडेशे चिरीमिरीचेर समाधान मानप जगूक मान्य नासलें. कॉस्टेबल चड जोडटा सो दिसता पूण अदीक सो वांटो वयर वयर पावता.

जगून अशोच एका फाटोफाट नोकऱ्यो नापसंत केल्यो. कांयच जमना जाल्यार राजकारणांत तरीं पड असो एक शाणेपणाचो सल्लो कांय बऱ्या मागत्यांनी जगूक दिलो, पूण जगू ते भरीक पडलो ना. ग्रहमान बरें आसल्यार राजकारणांत बरेंच जमता. पूण हालींचे राजकारण बजबजपुराण जालां. तो खवदळ आपल्याक उपकरना अशें चिंतून जगून राजकारणांत रस दाखयलोना.

निमणें जगून पी. डबल्यू. डी. ह्या सरकारी खात्यांत सादी प्युनाची नोकरी धरली. सरकारी खातें म्हणटकूच 'प्रवेश फी' लागता. बापायकडल्यान धा हजार रूपया घेवन जगून ही प्रवेश फी भरली. सुरवेक खालतेपण धरीत तर मागीर करतेपण दाखोव येता असो ताचो विश्वास आसलो. प्यून म्हळ्यार एक न्यून असे जायते जाण मानतात. पूण जो समानता मानता ते सगळ्यो नोकऱ्यो सारक्योच मानता. खालतेपणान समाजसेवा जांव सरकारसेवा करप हातूंत खरें व्हडपण आसता. आनी ताचें बरें फळ मेळटा . मोटद्या अभिमानान जगून ही नोकरी पत्करली.

कांय प्यून पगारापुरते प्युनासारकें काम करतात, तर कांय प्यून कलाकारासारके सोबतात. ह्या कलाकारांचो संचार ऑफिसांत सगळ्याक आसता. ऑफिसाचो प्राकार हो एक लळीत प्रकार कसो ते मानतात . कर्मचारी सदाचारी आसूं ना तर दुराचारी आसूं शाणे आसूं ना तर मूर्ख आसूं, सगळ्यांकडे कलाकार प्यून समान नदरेन पळेता. फाव तेन्ना नारदाची भुमिका घेता. शाण्याचो आदेश तो मानता तर मुर्खपणाचे हुकूमूय तो मनांतल्या मनांत कितें तें समजून मुमख्यांनी मानता. कांय जाणांक लागच्यान सलाम मारता तर कांय जाणांक

लांबच्यान सलाम मारता. सगळ्यांकडे विस्वास संपादून तो भितरल्यो गजाली काडून घेता. खंय खतखतता, खंय शिजता, खंय करपता, खंय समरादना चलता हाचेर तो बारीक नदर दवरता आनी इतलेंय समजून घेवन आपल्याक कांय कळना कशें दाखयता. केन्ना कितलें काम करचें, भायर कितलो वेळ काडचो, भितर कितलो वेळ काडचो हें ताका कळटा. असली कळाशी आसलेले प्यून, शिपाय, जांव चपराशी सरकारी कचेरी बरी सोबयतात.

जगूच्या खाशेल्या व्यक्तिमत्वांत एस. एस. सी. परीक्षे परस ही कळाशी अदीक प्रमाणार आसली. आपले लळीत कलेन ताणे सगळ्यांकडे सलगी बरी दवरलेली. पूण तांतल्या तातूंत खात्याच्या कोठयेकाराकडे ताची बरीच दाटी जाल्ली. स्टोर राखतल्याचें अंतकरण थोर आसता. आनी तें राखल्यार आपशींच आपल्या करंडांत भर पडटा हाचेर ताचो विस्वांस आसलो.

. सेर्मांव सांगूं ! खावपाक मेळ्ळयार कोण खावपाचे सोडटात? खावपाची संद आसून पसून खालें ना जाल्यार हेंच जग आपल्याक पिशांत काडटलें अशी जगूची खात्री जाल्ली. क्लार्काची नोकरी सोडून प्युनाची नोकरी धरल्या ती पिशेपणां करूंक न्हय तर तातूंत आपणें आपलें अंतीम हीत पळेलां हे जगू मनांतल्या मनांत जाणा आसलो.

जायते फावट भागी धंदो बऱ्याक पडटा. भागीदार मात भाग्यलक्षणी आसूंक जाय. जगूची लक्षणां वाखाणपासारकी आसली. कोठयेकाराक आर्दी कोठी साफसूफ करचें काम कठीण जातालें. आतां दोगांयची गट्टी जाल्ल्यान माल पासार करप आनी पसार करप ही घडी बरी जमूंक लागिल्ली. सुरवेच्या कांय दिसांनींच जगून आपणें भरिल्ली धा हजार रूपयांची प्रवेश फी वसूल करून घेतली आनी मागीर तो फुडल्या फायद्याच्या भागीदारी धंद्यांत नेटान वावरूंक लागलो.

धंदो आनीक वाडयतलो जाल्यार हॅड क्लार्क आनी ताच्या वेल्या एक दोन अधिकाऱ्यांक तरी शेअर होल्डर करची गरज आसली. स्टोर किपराक हें काम जड आसलें. पूण जगूचे सगळ्यांकडेन बरे

संबंद आसलेल्यान आनी सगळ्यांच्या सभावातले गूण-दोश ताका खबर आसलेल्यान जगून हें काम आपल्या आंगार घेतलें आनी मोटे अक्कल हुशारेन तें तडीक व्हेलें. आतां हो शेअर बाजार व्हड फायद्यांत चलूंक लागलो. उलाढाल आनी उचल कितलेशेच पटीन वाडली. हें सेवा-व्रत प्रसिद्धी करिनासतना जायती वर्सां निश्ठेन चल्लें. प्रसिद्धीपसून पयस रावन जे निश्ठेन काम करतात तेच व्हड कार्य करूंक पावतात. जे प्रसिद्धी फाटल्यान लागतात् ते घुस्पागोंदळांत पडटात.

सार्वजनीक सत्कार्य खात्याचें हें समरादनेचें व्रत सुसंगीत चलूंक लागलें, खावप हो सुविचार, पोटाक मारप हो अविचार. ह्या खात्यांच्या पोथीनिष्ठ पोटनेमाप्रमाण ह्या यज्ञाची वेवस्थीत मांडावळ जाली. यजमानपण कोठयेकार करतालो. पूण खरो वावर जगूचो आसलो. कित्येक वर्सां हो याग चलतालो. पूण आतां यागाची सांगता करूंक जाय असें जगूक दिसूंक लागलें.

जगू तकली थंड दवरून शांतपणान गुपीत कार्यां करपाक बरोच शिकिल्लो. पूण एक दोन नवशिके जेन्ना ह्या यज्ञकार्यांत सामील जाले तेन्ना इल्लो गोंदळ जावंक लागलो. कांय जाण पैसो जातकूच रोखडेच मस्ते आनी बेफिकीर जातात. कांय नव्या वांगड्यांनी बडाय मारीत कार्याची थोडी प्रसिद्दी केली. फुडाराक ह्या यागाक गरजेभायर चवकशी करतल्या कांय राक्षसांचो उपद्रव जांव येता असो दृष्टांत जगूक जावंक लागलो. ताणें योग्य वेळार व्हडा समाधानान आनी स्वखोशेन नोकरेचो राजीनामो दिलो. बरें काम केल्ल्याचें प्रमाणपत्रूय ताणें आपल्या बऱ्या मागत्या वरिश्ठां कडल्यान घेतलें. आतां ताका हे नोकरेची व्हडलीशी गरजूय नासली.

राजकी पक्ष केन्ना धरचो आनी केन्ना सोडचो हे जशें शाण्या राजकारण्याक कळूंक जाय तेच परी शासकी संस्था केन्ना धरची आनी केन्ना सोडची हे शाण्या कर्मचाऱ्यांक कळूंक जाय. जगू संस्थेत प्यून आसलो जायत पूण तकलेन बरोच फीन आसलो.केंदीय व्हडली संस्था आसूं ती केन्ना सोडची हाचे गिन्यान तत्वगिन्यान्यांकूच आसता.

खालतेपणान वावरून जगू आतां बरोच गिरेस्त जाल्लो.

समाजांत ताचो मान सन्मान वाडलो. लोकांनी ताका अर्दकुटच्या नांवाचो जगू केल्लो पूण तो आतां आपले कर्तबगारीन भोवमानेस्त जगन्नाथ जालो. नोकरी कित्याक सोडली असें जेन्ना ताचे इश्ट मित्र ताका विचारतात तेन्ना थंयचो गोंदळ पळोंव नज जावन नोकरी सोडची पडली अशें सभ्य भाशेंत तो सांगता. जगूकडे बरोच पैसो जाल्लो आसा. पैसो कसोय केलो तरी पैशेकार मनशाक मान आसता. जगून ते परिस्थितींत कितें केले तें त्या काळार ! ताचें भूत आतां नाचोवची गरज ना, आतां जगू जगप्रसिद्ध जाला.

पैसो आसा पूण घरा बसून रावचे परस कसल्या तरी बऱ्या कामांत मन घालचें असें येवजून जगून गांवांत सामाजीक वावरांत वांटो घेवंक सुरवात केल्या. जगू आतां व्हडलीं व्हडली भाशणां दिवंक शिकला. ताची भास बदल्ल्या, भेस बदल्ला, भीस पसून बदल्ल्या. उंची भाषा, उंची भेस, उंची आचार, उंची विचार, सगळे वाटेन जगन्नाथबाबाच्या व्यक्तिमत्वाक उंचाय आयिल्ली आसा. वर्स-देडवर्स एकसारकी ताणे समाजसेवा केली. सोयरो, खासा सोयरो, मुख्येल सोयरो असो तो ह्या काळार सगळेकडे जग-सोयरो जाल्लो. तो आदीं प्यून आसलो असें सांगल्यार पसून कोणाक खरें दिसचें नासले. ताचो अवतारूच बदल्लेलो. डायरेक्टर कसो सोबतालो. कांय व्हड मनशांचे ल्हानपण कठीण अवस्थेंत गेल्लें आसता. पूण आपल्या व्हड कर्तुबांनी ते व्हडपण मेळयतात.

सामाजीक कार्यूय केन्ना सोडचें तें शाण्या मनशाक कळूंक जाय. चड घुस्पून रावंक फावना. बापायच्या वैजकी मळावेल्या अणभवी सल्ल्यान आनी खात्यांत मारिल्ल्या डल्ल्याच्या मालवजार जगून मागीर शारांत एक फरमास फार्मास घाली. ऐलोपेथीक, होमिओपेथीक, आयुर्वेदीक अशी सगळें तरेचीं वखदां आतां ह्या फामाद जगन्नाथ मेडिकल स्टोरांत मेळटात. सार्वजनीक भलायकेचो वावर आता जगू करूक लागला. सार्वजनीक बादकाम खात्याचो स्टोर आनी थयच्यान आता हा 'जगन्नाथ मेडिकल स्टोर' असो हो जगूचो जगावेगळो जिणेचो प्रवास आसा.

खालतेपणान वावरून यशाचे तेंगशेर पावपाची जांका ओड लागल्या तांका जगूची ही ओडलायणी जीण मार्गदर्शक जांव येता.

◆ ◆

पावलू आनी रवळू

पेद्रूच्या बार्रार फातोडेच्या पारार जे वेंचीक सुर्योदय़ी सभासद जमतात तातूंत मुखेलपणान पावलू आनी रवळू हे दोग निश्चित आसतात. ते फांतोडेर इगर्जेचे पांचाचे घांटीर उठ्ठात आनी सोमते पेद्रूच्या बार्रार पावतात. रातचे घुवळेचे निवळणेक तांका हें पयले कॉप मारचें पडटा.

सकाळीं धा तें दनपरां दोन आनी सांजेचीं स तीं रातचीं धा हीं खरी म्हळ्यार बार्रांची अधिकृत वरां. पूण हें टायम-टेबल टेबलावेल्या गिरायकाक लागता. बांकावेल्या न्हय. पेद्रूच्या घराच्या एका वांट्याक ताचें बार्र. घराचें आनी बार्राचें फाटलें दार उक्तें करून दारा भायर दवरिल्ल्या बांकाचेर रातचे उसरां आयिल्ल्या गिरायकांची तान. भागोवपाची कामगिरी पेद्रू आनी केन्ना केन्नाय ताची बायल सेवाभावान करता.

माड, काजू, आलें, उर्राक अशा आयुर्वेद मान्य आसवांचे हें फांतोडेवेलें सेसांव इस्तिमासांवाचें आसता. रवळू आनी पावलू ह्या अधिव्यसनाचे नित्य नेमान हजर रावपी खाशेले सभासद आसात.सुर्योदयाच्या समयार केल्ल्या ह्या पयल्या नमना उपरांत दोगांचीय 'कुरीयर' सेवा सुरू जाता. दुदा पोतयो आनी वर्तमान पत्राची कागदां जांची तांका घराकडेन पावोवपी ही कुरियर सेवा आसता. गरजे प्रमाण पाव आनी हेर जिनसूय ते पावयतात. रवळू आनी पावलू हें काम समाजसेवा हे भावनेन करतात आनी ते सेवेचें तांकां लागिल्लें मानधन आसता.

उपरांत बाजारांत एक दोन पिकअपी शारांतल्यान भाज्यो आनी फळ फळावळ घेवन येतात. पोटल्यो देवोवपाक आदार करपाक हे दोगूय जाण धांवून येतात. समाजसेवा आनी ताचे पसून मानधन हो दोगांयचो सकाळचो नित्य वेवसाय आसा. दोगांकूय इल्ले इल्लें देवस्पण

लागता. भानार आसूं, नासूं, पावलू केन्ना केन्नाय इगर्जेंत मिसाक वचून येता. मिसांचीं उतरा कानार पडूं ना पडूं ताचें ध्यान बरें लागिल्लें आसता.

रवळू कोणा कोणाच्या ऑट्टांनी वचून देवस्पणी लोकांच्या देवस्पणाक फुलां हाडून दिता. कोणाच्यो गाळी पडल्यार पसून त्यो देवाक लागून गोड मानून घेता. देवस्पणी मनशांकूय जितलीं देवाक चड फुलां धालीत तितले देव गुन्यांव अदीक भोगशिता अशें दिसता. होळी, नरकासुराक तर रवळू फुडें आसता.

आदीं केन्ना तरी पावलून आनी रवळून दिसवड्याची कामां केल्लीं आसत. सतत सात-आठ वरां काम करप हें आपले योग्यतायेक कमीपण अशें ते हालीं मानूंक लागल्यात. सद्याक खावप कमी आनी पियेवप चड असो तांचो 'डायट' आशिल्ल्यान तांचें वजन देंवलां आनी आदली शक्त आंगांत उरूंक ना. शक्ती परस युक्तीच्या कामाकडेन तांचो ओडो आसा. सांजेच्या वेळार मटक्याच्या साधू-संतांच्या आखाड्यांनी ते चड घुस्पल्ले आसतात.

हांगा नायंटीनाय्न हो तांचो मटकेकार गुरू आसा. नायंटीनाय्न हो आदीं गावांत शुन्य आसलो. पूण एक फावट ताणें दामून नायंटीनाय्न आंकडो लायलो आनी तो फुटलो. तेन्नाच्यान लोक ताका 'नायंटीनाय्न' म्हणूंक लागले. हालीं तर लोकांक ताचें आदलें नांव खबर ना. जात-पात, धर्म-कर्म कांयच खबर ना. देवांच्या नांवां परस मनशाक जर सिक्स्टी फायव्ह, सेव्हंटी फोर, थर्टी सिक्स आदीं आंकड्यांची नांवां दिल्लीं जाल्यार नगरपालिका जशी येरादारीक आड येवपी अनधिकृत बांदकामां मोडून उडयता तेच परी धर्मा-धर्मा मदल्यो वण्टी मोडून पडटल्यो आसल्यो. सर्वधर्मसमभाव आनी आमी सगळे भाव भाव अशी भावना निर्माण जातली आसली.

नांयटीनाय्न हो आदीं मटकेकारांचो मजतनीस आसलो. आतां ताणें मटक्याच्यो स्लिपी घेवपाचो स्वतंत्र धंदो चलयला. ताका जे मजतनीस आसात तातूंत थोडे भोव प्रमाणांत पावलू, रवळू हेय आसात.

गरजे पुरतें तांकांय ह्या धंद्यांत कितेंय सुट्टा. पावलू आनी रवळू हांचे सभाव सादारणशे सारके आसले तरी तातूंत इल्लोसो फरक आसा. रवळनाथ इल्लो बोवाळनाथ तर पावलू मात्सो पागलनाथ आसा. एकलो बोवाळ पातळायता, जाल्यार दुसरो पिसाय पांगुरता. बरे 'टायट' जातकूच एकलो हुयेली मारता जाल्यार दुसरो कुयेली घालता. सूर पियेवन तालार येतकूच एकलो सुरार सुगम संगीत गायता, जाल्यार दुसरो तालार येवन पेपारें वाजयता. गावांत जायत्या लोकांक तो नस्तो बोवाळ कसो दिसता पूण गांवचे संगिताचे दर्दी लोक तांकां तोखेतात.

गांवांत बऱ्या वायटाक दोगूय पावतात. इंत्रूज आसूं ना तर इंतेर आसूं पावलू हजर आसता. रथयात्रा आसूं ना तर स्मशानयात्रा आसूं रवळू बोवाळूंक तयार आसता. सोऱ्याक लागून दोगांयचीं मनां संवेदनशील जाल्ली आसात. स्मशान यात्रेवेळार कॉपाचें दिवन दिवन कसलींय कामां करूंक लोक रवळूक तयार करतात. कोणूय मरूं मातयेक लावच्या कामांत पावलूची गरज पडटा. पावलूक रडुंकूय रोखडें येता. दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवतात. तीं चड जाल्ल्या सोऱ्याक लागून व्हांवतात काय खरेंच दुख्ख जाल्ल्यान व्हांवतात तें कळूंक मार्ग नासता. दोळे मात आरक्त जाल्ले आसतात म्हूण हीं अतिरिक्त दुकां आसतात अशें कांय जाण समजतात. खरें कितें तें समजूंक मार्ग नासता.

अशीं जिनसावार कामां करून दोगूय जाण बेजार जावन आरते परते पेद्रूच्या बार्रार पावटी मारून वतात. रातच्या वेळार तर ते चडसो वेळ थंयच आसतात. निमाणे लकत पडत घरा येतात.

पावलू आनी रवळूचे लकलकते जिणेंचें हें सर्वसादारण वेळापत्रक आसा. हंगामा प्रमाण तातूंत हांगा थंय, थोडो भोव फरक जाता. पूण मूळ समाजसेवेंचे तत्व आनी सोऱ्याचें सत्व बदलना. केन्नाय हंगामो चड आसता, केन्नाय कमी आसता. गीम आसता, पावस आसता. पूण जिणेची जुवारी आनी मांडवी व्हांवत आसता.

दर्याक मेळसर ती अशीच व्हांवची आसा.

◆◆

रानराज्य

जंगलांतली शिकार हिसपाभायर जाल्ल्यान एका रानांतले सगळे शींव आनी वाग सोपले. आदीं शिकार हो एक खेळ आसलो पूण आतां प्राण्यांच्या चामड्यांक पासून दर आयिल्ल्यान तो एक व्हड उद्योग धंदो जाला. पूण काळ आयला तो वाग शिंवांचेर. राना वनांतले शूर आनी वीर प्राणी हे शिकारेक बळी पडल्यात.

सगळें रान निक्षत्रीय केल्ल्यान आतां रानराज्याचो राजा कोणाक करचो असो प्रस्न उप्रासलो. राजा वेंचून काडूंक रानांतल्या प्राण्यांची एक व्हड सभा एका खास सजयल्ल्या पिंपळापोंदा जाली. हतयाचें नांव पयलें आयलें. पूण तो आळशी आनी भकारो. गस्त घालचे परस रानां वनांतली वनसृश्ट फस्त करचें काम तो चड करता आनी येदो महाकाय आपलो राजा म्हूण उपकरना अशें सर्वसादारण प्राण्यांचें मत जाल्ल्यान ताचें नांव भायर पडलें.

मागीर घोड्याचें नांव फुडें आयलें. ताका माकडान विरोध केलो. घोड्याक आतांच्या काळार रेसीकूच चड वापरतात, मनशांचो तो सामको गुलाम जाल्लो आसा असो आक्षेप माकडान धेतलो आनी तो मान्य जालो. नंदीबैल सभेक सजून आयिल्लो. आपूण महादेवाचो बैल म्हूण धर्मिश्ट आनी तेजिश्ट अशें ताका दिसतालें. आपल्या नांवाचो प्रस्ताव मांडटना ताणें म्हळें, "हांव रानराज्याचो राजा जायन जाल्यार सगळ्या रानांत धर्म किल्लायतलों, फुलयतलों आनी फळयतलों. जनावरांक देवभक्तीच्या मार्गाक लायतलों. सगळे धर्मिश्ट जातले. सगळे मानव आमकां मान दितले, दान दितले, देव वयल्यान फळांचो वर्षाव करतले, गंधर्व किन्नर चरव पातळायतले. महादेवाचो बैल हांव. सगळ्यांचे बरें जांव. अशें आशिर्वचन ताणें दिलें.

प्राण्यांक नंदीबैलाचें आख्यान मानवलेंना. जनावरांक धर्म लागना. तांचो सभावधर्म होच तांचो धर्म, मनशांनी तरातरांचे धर्म निर्माण

करून झगडीं झुंजां वाडयल्यांत. धर्माच्या नांवार मनशांनीं खवदळ घाला तो पुरो. आमकां आनी त्या अडेच्या धर्माची बादा नाका, अशें जनावरांचें मत जालें. देवलोकांत आनी मानवलोकांत वचून आख्यानां सांग, हांगा रानांत तुजें अरण्यहामेवप आनी अरण्यरडप नाका, गरजेभायर अरण्यपंडीत जांव नाका. अशी सक्त ताकीद नंदीबैलाक हेर प्राण्यांनीं दिली.

वानर रानांत रामराज्य हाडचे उतर दिवन रानाचो राजा जावंक उडटालो तो बैलाक फैलार घेतिल्लो पळोवन धर्तरेर आदळ्ळो, रामराज्यूच न्हय तर सेतू बांदचेलें कॉन्ट्रेक्ट पसून ह्या रानराज्यांत आपल्याक मेळपाचें ना हाची शुद्ध ताका आयली. संवसारांत इतलीं कश्टाचीं कामां बिनतक्रार करून पसून अनुपकारी संवसारान आपलो इतलो अपप्रचार केला की आपल्याक राजा जावची संद मेळप कठीण अशें गाढवाक दिसतालें. तेन्ना राजाक सगळो अधिकार दिनासतना वनसभासदांचें एक पार्लमेंट आसचें असो एक ल्हानसो पूण म्हत्वाचो थाराव गाढवान मांडलो. पूण कोणेंच ताका मत दिलें ना. परतो जाल्यार गाढवाक आड्ड्पाक आनी भर सभेंत गळो काडपाक पार्लमेंट जाय असो हेरांनी आक्षेप घेतलो आनी ताचो थराव बारगळ्ळो. राजकारण पार्लमेंटाच्या हॉलांनीं करपाचें नासता तर रानावनांतल्या धोलींनीं आनी बिळांनी करचें आसता अशें कांय घोलनिवासी आनी बिळनिवासी जनावरांचें मत पडलें. यकश्चीत हुंदरान पसून कितेंय बील हाडचें आसल्यार तें आपल्या बिळांत हाडून दी अशें गाढवाक फर्मायलें. बिनतक्रार कश्ट करतल्याच्या नशिबांत खडी आनी फातर आनी धगयता, फुगयता, कश्ट करिना ताच्या तोंडांत खडीसाकर हो नियतीचो न्याय अजापाचो म्हणचो पडलो ! तोंड धांपून गाढवाक हुंदराचें च्यूं च्यूं आयकुचें पडलें.

जायत्या जनावरांनीं उमेद दाखोवन पसून राजा कोण जावचो हें थारना जालें. आदीं राजा कसो आसचो हाचो आदर्श थारावचो आनी मागिरूच उमेदवारी अर्ज घेवचो अशें मत जावन एका व्हडल्या वडापोंदा जाण्टचा वांस्वेलाच्या यजमानपणाखाल जनावरांची एक चिंतन बैठक

जाली. वाग शींव सोपले ते एका अर्थान बरें जालें. तसले सिंहावलोकन करपी आनी वागरें घालपी राजा आतांच्या काळार उपकरनात अशी विचारांची मांडणी सुरवेकूच जाली. शाणेपणान उणे आसल्यार चलतात. नाडपणांत बहुगुणी आसूंक जाय. दिलदार सभाव उपकरना तर कारस्थानी, धूर्त कावेबाज सभाव आतांच्या राजांक सोबता. आंगान पातळ आसल्यार चलता. पळपाक चपळ आसूंक जाय. सोंडकूट सोबीत दिसलें तरी काळीज काळ्कूट आसूंक जाय. गिन्यानी नासलो तरी दुसऱ्यांची हानी करचें गिन्यान आसूंक जाय. राजा म्हळो म्हणटकूच तो भोळो आसूंक फावना. ताचो दोळो नित्य भक्षाचेर आसूंक जाय. केन्ना केन्ना कपट करून तर केन्ना केन्नाय कळप करून खावंक येवंक जाय. मनशांक केन्नाच फितूर जायना असो चतूर राजा जनावरांक जाय. चिंतन बैठकीचो सादारणपणान सूर असो आसलो. चिंतन बैठक कवळून मागीर सगळी जमात परती पिंपळापोंदा राजा वेचूंक जमली.

हे जमातींत कोल्याचें नांव सगळ्यांत फुडें आयलें. कोल्यान आपली उमेदवारी जाहीर करतांच ताका जायत्या जनावरांनीं आपली मान्यताय आनी फाटबळ रोखडेंच दिवन उडयलें. कांय जाणांनी तर ताच्या नांवाची आदींच फर्माईश केल्ली. चिंतन बैठकींत सुचयल्ले जायते सदगूण कोल्यांतूच अदीक प्रमाणार आसात अशें जायत्या प्रामाणिक प्राण्यांचें मत जाल्लें. उशेलांनी रातीच्यो रातीं सारिल्ल्यान कोल्याच्या कंठाक एक मधूर गोडसाण आयिल्ली. सोबीत सोंडयेंतल्यान साकरेंची उतरां किलोनीं भायर सरतात काय दिसतालीं. आपल्या नांवाचो प्रस्ताव मांडून प्रास्तावीक करतनाच ताणें "म्हज्या प्राणापरस प्रिय प्राण्यांनो" असी सुरवात केली आनी मागीर आपले गूण सभेसामकार मांडटना कोल्यान म्हळें, "राजाचीं लक्षणां सांगतना तुमी धूर्त, चतूर, चपळ तसोच कावेबाज राजा जाय अशें म्हळां तसो हांव कितलेशेच पटीन आसा हें जांणी म्हज्यो लटाफटी आनी म्हजी पळपाची गती पळेल्या तांकां आनी सांगपाची गरज ना हांव धूर्त आनी चतूर आसा हें आमचे एक नंबरचे दुस्मान, मनीस पसून मानतात म्हजी कोलेबुद्द घेवन मनशां मदले जायते जाण व्हड व्हड फुडारी जाल्यात

आनी ताणीं आपलो फुंडार बरो करून दवरला. 'कोलो बुद्दीन भलो' अशी तर म्हणूच जाल्ली आसा. तरी आसतना आमचे दुस्मान आमचेर जळटात आनी कोल्याक द्राक्षां आंबट अशें म्हणून आमकां सकयल पळोवंक लावचो प्रयत्न करतात, पूण आमच्यो आकांक्षा द्राक्षांपरस कितल्योश्योच वयर आसात. मनशांचीं उशेलां जे पांयांपोंदा सहज लिळेन माड्डितात आनी तांचेर भरपूर ताव मारतात तांकां इल्ल्याश्या द्राक्षांचे पडूंक ना. पडलां मनशांक पूण ते पाडे बुद्दीचे आमचेर धुकलतात. खरें म्हळ्यार कोले तांच्या हाताक सापडना म्हूण तांचे हात आमटाण कल्लावंक पडल्यात आनी तांच्यो पाड्यो आकांक्षा आंबट जाल्यात.

मागीर कोले रानां वनांच्या अनुशासनाचेर उलयलो. अनुशासन बरे तरेन चलोवंक आपूण कसो शिटूक आसा तें ताणें रसाळपणान सांगलें. जनावरांमदीं करप्शन नाशील्ल्यान अनुशासन करूंक बरें पडटा, असो एक मुद्दो कोल्यान मांडलो. वन्य प्राण्याचें संरक्षण बरें जातलें जाल्यार जनावरांमदीं एकवट घट आसूंक जाय. हे खातीर युनायटेड सोसायटी ऑफ ऍनिमल्स अशी एक सोसैायटी अस्तित्वांत हाडची एक नवी कल्पनाय कोल्यान आपले कोलेबुद्दीन मांडली.

कोल्याचे कोलेबुद्दींतल्यान आयिल्ल्यो एक एक कल्पना आयकून जमिल्ल्या जनावरांक अजाप जावन तांचो कोल्याबद्द्ल आदरभाव वाडलो. प्राप्त परिस्थितींत कोलोच प्राण्यांचो राजा सोबता अशें कोल्याची रसवंती आयकतना एकंदर प्राण्यांचें मत जालें. अदीक चर्चा चर्वण करिनासतना महासभेक जमिल्ल्या प्रतिश्ठीत प्राण्यांनीं कोल्याक आपल्या रानराज्याचो सार्वभौम राजा म्हूण वेंचून काडलो आनी व्हडा सन्मानान ताका राजासनार व्हरून बसयलो. हालींच्या काळार राजासनाचेर कोले बरे सोबतात!

कोल्याच्या राज्यांत सगळे आलेभाव कोलेभाव सुखी जांव. तांच्यो सगळ्यो वान्सा पुर्‍यो जांव असें पसायदान मागप हें दरेक प्राण्याचें पवित्र कर्तव्य आसा.

◆ ◆

सोबेचीं झाडां

सोबेचीं झाडां तरेकवार आसात. मोगरीं, चाफीं, शेवंतीं, गुलाबशेवतीं, जाय, जूय आदी फुलां हीं सुवासीक फुलां. तांच्या वासावेल्यान तांचो सभाव कळटा. पूण दसणे फूल ,आबोलें, असलीं फुलां उलयनात, तांचो सभावूय गूढ, पूण दिसण्याक लागून तीं सोबतात.

हीं फुलां खंयूय फुलूं येतात पूण हीं बागांनीं नटून आदर्श अशीं खासा मंडळां करून रावतात. अध्यक्ष स्थानार चडसो गुलाब आसता. केन्ना केन्नाय मोगरो जांव चाफो आसता. खजीनदार आपटो आसता. अनंत जांव शंकर सेक्रेतार आसता. रोजां, शेंवती हीं चडशीं सम्मेलनां करूंक बोवाळटात. पूण आबोलीं तोंड धापून वावूरतात. शब्दुलीं सांजेवेळचो शिरंगार करून शब्दांनीं भुलोवंक लागतात.

क्रोतोनचीं झाडां म्हळ्यार सोबीत पानांचो प्रकार. हांका फुलांचें म्हत्व ना. तोंडार भाव नासूं पूण आंगार पानां शालवा भशेन सोबतात. तरा तरा रंगांची वस्त्रां नेसून 'फॅशन शो' दाखोवचो हांका शौक.

रंगाक, वासाक आनी सोबेक लागून लोक ह्या सोबेच्या झाडांक लागीं बाळगितात म्हूण तांचो लौकीक खूप जाता. पूण मनशाच्या वासाक ना रावपी कांय फुलझाडां आसात. लजेंचीं झाडां हातूंत मुख्येलपणान येतात. आफूडटकूच तीं लजतात असो मनशान आपलो समज करून घेतला. पूण लजतात काय धिसपटायतात तें एक देवाकूच खबर. हीं वालोराचीं फुलझाडां मनशांमजगतीं रावचे परस वालेतीनीं रावप अदीक पसंत करतात. मनशाच्या अपुर्बायेची तांका गरजूय नासता. उदक शिंपचे पडना. लत्तुबाय करचीं पडना. वेळ येतकूच आपशांच जातात आनीं आपशांच फुलतात. लजेक आनी पेजेक पडटा असो हो एक अपवाद आसा.

साळीक मात गर्भश्रीमंत फूल. तें बागेंतल्या फुलांच्या मंडळांत

रावना. तळ्यांत रावता. साळकाचेर लक्ष्मीचो वरदहस्त आसता अशें मानतात. म्हूण हें फूल चिखलांतल्यान जरी उप्रासलें तरी त्या चिखलाची पसून लोक तोखणाय करतात हें सर्वसामान्यावांगडा रावपी फूल न्हय. तळयांनी हवेलींनी रावपी. लक्ष्मीचें अपुर्बायेचे फूल. जायते कांचनशेठ ताका भजतात. कांचनाक भुल्लुसून कांय सरस्वती भक्तूय अर्दी मर्दी कमळाबायच्या लक्ष्मीपुजनाक वचून येतात. सरस्वती पूजन आतां चडशें शाळानींच उरलां. भोवतणी शेळो आसलो तरी कमळाच्या लक्ष्मीपूजनाक लोक धांवतात. पारजत मात राजकारणी म्हणूं येता. वाडटा एकल्याच्या पोरसांत पूण फुलां दुसऱ्याच्या पोरसांत. पक्ष सहज बदलूंक ताका कळटा. हे झाड कृश्णाक आवडटा असो समज आसा.

कळयो ह्यो कवींचे आवडीच्यो. जाये कळी आनी मोगरे कळो हांचेर तांचो दोळो. निशीगंधा, रजनीगंधा, रातराणी हीं उतरां तांच्या काव्याक बरीं. कलंवतीणीची फुलां मात खरीं कलावंत फुलां. पूण उपेक्षीत. संवसारूय तांचेकडेन पळेना आनी कवीय तांचेर बरयनात. कांटयेच्या झाडाचीं फुलां कितलीं सोब दितात! पूण तींय उपेक्षीत. बऱ्या बऱ्या फुलझाडांक कांटे आसतात हे कांटे रखवालदार कशे. मनशांच्या उपद्रवाक लागून तांची नेमणूक जाल्ली आसा फुलांचेंय संरक्षण खातें आसता जावंक जाय. काटयांचीं झाडां, हातो असलीं फुलझाडां हाची गवाय आसा.

कदंब हे राजेशाही फूलझाड. हे युद्दाक फुडें आसता. ताका फुलां पसून जातात तीं गडगड्याच्या आनी जोगलावणेच्या वेळार. शम हेंय तशेंच युद्ध प्रसंगाचें झाड. ताच्या गाभ्यातूंच उजो आसता असो समज आसा पूण तो शमन करची तांक ताचेकडेन आसता. भितरल्यान धगधग पूण भायल्यान शांत. रूशी - मुनी सारको ताचो सभाव आसता. हाचीं फुलांय गोंडे कशीं सोबतात. पूण मुख्येलपणान उजो पालोवपी दळांतलें हें एक 'फायर फायटर' झाड आसा.

तुळस हें झाड आंगणांत सोबता तें खूप पवित्र मानतात ह्या झाडाच्या पानांक मान आसा देवांक हें चड मानवता देवांच्या पुजेक आनी नेवेद्याक तुळशी पानां म्हत्वाची आसतात तुळशी लग्न हें वर्सासन

आसता. लग्नाक उत्सूक आसलेल्यांक तुळशी लग्न केन्ना जाता काय जाता. "आतां लग्न जावंक हरकत ना "असो ना हरकत दाखलो तुळशीकडल्यानूच घेवचो पडटा. फुलां परस तुळशी पानांची माळ गळ्यांत घालप हें देवस्पणाचें व्हड लक्षण मानतात.

माथ्याक फुलां माळप म्हळ्यार आदल्या तेंपार बायलांचो एक सोबीत शिंगार आसलो. पूण आतां केसांचें आंबाडे कमी जाल्ल्याक फुलांची दवरणींय कमी जाल्यांत. आतां फुलां माळिनात, फुलां खोयतात.

आतां फुलां दादल्यांक अदीक सोबूंक लागल्यात. कपलाक तिळो लावन, गळ्यांत फुलांची माळ घालपी दादले बायलांपरस बरे सोबतात. सुरंगा वळेसर आनी जायां पोड आदीं जोड बरी दिताले. आतां फुलांच्यो माळो आनी हार तुरे हीं दादल्यांची प्रसाधनां, जोडीची साधनां जाल्यात. फुलांची आरास ही व्हड मिरास जाल्या. राजकी सभांनीं उलोवपां खंयूय पावूं फुलांच्या माळांनीं आनी हार तुऱ्यांनीं सभा सोबता आनी फुगेटयांच्या माराणांनी सभा गाजता.

फुलांनीं संवसाराक खूप सोब हाडल्या. सोबेक लागून फुलझाडां बागेंत लागीं जाय कशीं दिसतात. तांची अपुर्बाय करीन दिसता. फुलांकडे पावन कवीमन भावूक जाता. जाय, जुयेचेर आनी शेवत्या, मोगऱ्यांचेर कितल्यो कविता जायत हाचो हिशोब ना. पूण ही अपुर्बाय फळझाडांच्या वाट्याक चडशी येना. फुलझाडां मजगतीं तीं रोयनात. तांच्या सावटान फुलझाडां वाडनात. फुलझाडांक फळझाडांची नसाय. फळझाडां वाडटात चड आनी फुलझाडांक वयर सरूंक दिनात. ती पयस कडेक लावचीं पडटात.

सोबेक जितलें मन भावूक तितलें खावंक आगांतूक. आपलें फळ खा म्हूण झाडान मनशाक सांगूंक ना, पूण झाडाचेर उपकार केल्लेवरी तो झाडाचें फळ तोडून, ना तर फातरावन पाडून खाता. फुडें आनीक घड दिवची ना म्हूण केळीचेर कच्च करून कोयतो मारून, जाचेर तिचो जीव प्राण आसा त्या घडासैत तिका सकयल उडयता. पणस खाता तो खाता पूण पणसाचें झाड मात्शें जाण्टें जाल्याबराबर

ताचेर कुराडेचे घाव घालून ताका मोक्षाक धाडटा आनी आपूण ताचें मदेर तोखेता.

सोबेचे पूजक आसतात ताणी सोबेचीं झाडां सासपूंक जाय. तोखेवंक जाय. तांका कसलीच दूख जावची न्हय हाची जतनाय घेवंक जाय. तांची अपुर्बाय करूंक जाय. फळांची झाडां फातरावंक जाय, फळां तोडूंक मेळना जाल्यार पाडूंक जाय. तांच्या मदेराचें फर्निचर करून ताचो उपेग करूंक जाय.

सोबेची झाडां तोखेवपाक बरीं. फळांची झाडां स्वभावाप्रमाण आपलें सत्कार्य करीत आसतात. फळाची आस मात मनशांक चड आसता.

◆◆

फाटलीं चार दसकां नेमान कोंकणी साहित्यिक वावर. सुरवेक मोलिएर, शेक्सपियर, कालिदास, पुश्कीन ह्या आदल्या श्रेष्ठ बरोवप्याच्या वेंचीक साहित्यकृतीचें कोंकणींत भाशांतर आनी रुपान्तर.

गणपती पूजा, तुलसी-विवाह पूजा तशेंच संत सोहिरोबा हांच्या कांय विशेश अभंगांचें कोंकणी भाशान्तर. अभंग-आरती, स्तोत्रां आदी धर्मिक साहित्य तशेंच भाव गीतां, बाल गीतां, देश गीतां आनी हेर गीत रचना. ललित निबंध, व्यक्तिचित्रां, प्रवासवर्णनां आदी. सद्या गोंयच्या पुर्तुगेज राजवटी आदल्या इतिहासाचें संशोधन.

कोंकणी भाशेंतल्या साहित्यिक वावराखातीर फा. स्टिफन्स कोंकणी केंद्राचो १९९७ चो आंतोन पेरैर पुरस्कार.